नकळामी

एन्. शिवदास



दोन कादंबरिका

नकलामी

गर्भदान

एन्. शिवदास

उर्बा प्रकाशन

अंत्रुजनगर फोंडे - गोंय

© सौ. रजनी एन शिवदास

पयली उजवाडावणी
डिसेंबर १९८७

उजवाडावपी :
उर्बा प्रकाशन
अंत्रुजनगर फोंडे - गोंय
४०३ ४०१

मुखपृष्ठ :
श्रीधर कामत बांबोळकर

छापपी :
करुणा ग्राफिक्स
नागझर फोंडे - गोंय

मोल
वीस रुपया

• • • •

याद जाली म्हणून सांगता. धा वर्सां जाली खबरीक. नकलामी आनी गर्भदान धा वर्सां आदी बरयिल्ली. नकलामी भाशा मंडळाच्या 'कोंकणी' ह्या दिवाळी अंकात अुजवाडाक आयिल्ली कादंबरिका; तर गर्भदान चंद्रकांत केणी हांगेल्या साहित्य ह्या अंकात अुजवाडाक आयिल्ली कादंबरिका.

नकलामी वाचून जायत्या जाणानी तुस्त केल्ल्याची याद जाता. ह्या दोनूय कादंबरिकानी अेक आगळो वेगळो विशय हाताळला. नकलामी अेक वयार येवपी भुरगो अके जुवान पुण मेल्ले चलयेच्या भुताक भोगता वो जुवान मेल्ले चलयेचो आत्मो त्या वयावयल्या चल्याक भोगता मदली कल्पना कशी येवजली तें आयज याद जायना.

गर्भदान होवूय असोच अेक खास विशय. गुरवार आसतना बायलेचेर मानसिक परिणाम जायत जाल्यार ताजो परिणाम जल्माक येवपी भुरग्याचेर जाता वो जावंक शकता. घोव माकड मारता ही गजाल तिका पसंत नासता, पुण माकडांचो संहार थांबना. ती तेंच चित्ता. चित्ता चित्ता गुरवार जाता आनी णव म्हयन्यानी बाळंत जाता. तिगेर माकड जाता. ताज्यामदीं आनीकय अेक गजाल घडटा. ताजो सबंध तन्ने वावराडेकडे येता आनी खरें गर्भदान हांगांच जाता.

नकलामी आनी गर्भदान आयज पुस्तक रुपान येता. कोंकणी साहित्यांत कादंबरिकांचो आकडो तसो साप्प अुणो. त्या अुण्या आकडयांत अेक आकडो चडटोलो, पुण म्हजो विस्वास आसा, म्हज्यो हयो दोनूय कादंबरिका कोंकणी वाचप्यांक वाचपाचो आनंद दितल्यो. म्हजे तेंच समाधान

वर्साभितर म्हजें दुसरें पुस्तक येता. कोंकणींत पुस्तकां छापून घरांत दवरुपाचोच हो काळ, गांठीक आशिल्लें खर्चून हें सगळें करप; पुण म्हजी दोन पुस्तकां वर्साभितर येवपाक आनी अेक शक्त आसा तीं शक्त म्हळयार करुणा ग्राफीक्साचे मालक श्री सागर दळवी. म्हाका जमता तेन्ना, जमता तशें ताजें बील हांव फारीक करतां. हया हातान घे आनी त्या हातान दी अशें जर ताणें म्हणिल्लें जाल्यार म्हाका पुस्तकां अुजवाडावपाचो धीर जावचो नासलो. आमचो चित्रकार श्रीधर कामत बांबोळकर म्हज्या पयल्या पुस्तका पासून चित्रां काडटा कसलोच वेवार फुडें करीनासतना, हांवे सांगलें आनी ताणें दिलें अशें हें आमचें चलता आनी चलतलें. तांचें अुपकार मानपाक म्हजीं फुडलीं पुस्तकां आसात.

तर अिश्टानो, वाचप्यानो, म्हज्यो हयो दोन कादंबरिका हया पुस्तकारुपान तुमचे सेवेक सादर करता.

एन् शिवदास

□ □ □

चार दोंगुल्ल्यांच्या मुळसाक आशिल्ल्या पाचव्या कुळागारांत आमचो राबितो. जायतीं वर्सां म्हज्या आज्या-पणज्यानी वसयल्या हचा माड–माड-यांच्या बेसांत म्हज्या बापायक मात चार पारेतीचें धाकटुलें घर बांदचे अशी वानसा केन्नां जालीच ना. पुण म्हजे जीणेंतल्या आठव्या वर्सा, बापायन जेन्ना म्हाका भवानीशंकर शाळेंत नारू मास्तराकडें चार अक्षरां शिकपाक सोपयलो, तेन्नांच माडयेच्या कामटांच्या कडव्यांत म्हजो गुस्मटमार जाता तो पळोवन एक दीस बापायन आवयच्या आदारान दोंगराचें देगण खणपाक कुदळ मारल्ली. देगणाची मातो खोटल्यांनी भरून आंगणांत काल वपाखातीर आवयन आपले धाकटे भयणीक, मालाक कुळारच्यान मुद्दाम हाडली, आनी माती कालोवन हातपारे घालपाक बापायन आपले हात तांबडे मातयेंत बुडयले.

भूसभुशीत मातयेचे हातपारे कामटांचो जागो बेवपाक लागले, कामटां-कामीच्या आडकळ जळवान काबार जातली म्हण आवयन सगळचा हाडपाचो भोरो बांदून खश्टी मुळांत दवल्लो. पारे थांपूक बापायचे हात पावना जाले. बापायन शेडुचाल्या पांडूक आपयलो. पांडू विस–बावीस वर्सांचो धश्ट-पुश्ट मातलेलो मानाय. आंगाच्या काळचा कातीन तो तेल काडिल्लो सुळसुळीत फातार कसो तिवतिवतालो. चिरपुट माल्ल्यार रगत येत इतलो तट्टटालो. पांडून येवंन पयलींच माला मावशेच्या माथ्यावयलो मातयेचो पाटलो एकाच हातान सकल दवल्लो. आनी एकाच हातान दोंगोर उबारिल्ल्या भशेन नेटान परत तोच पाटलो उबारून राशीक माल्लो. माला मावशेन पांडूच्या दंडाक पळेलें, आनी तिची नदर पांडूच्या रुंद हड्डयार गेली. पांडूचे काळें हड्डें म्हळयार दोंगरावयले एक काळें कुळकुळीत तळप कशें! माला मावशेची नदर पांडूचेर पडली, आनी पारे घालपाच्या कामांक खरो नेट आयलो.

हांव मात मोन्यानी सगळें पळोवपाचें काम करतालों. हावें इल्ली माती पाटल्यांत भरून हाडपाचो यत्न केल्लो, पुणून बापायन म्हजेर धेंगसो घालो.

'चेडचा तुका मास्तरान कांय अभ्यास दिवं ना रे? वोचोन शिक चल. तुका नाकात ती असलीं कामां.

नाना आंगवण्यांनी नव-नवसांनी सांगण्या-गाराण्यांनी, आनी देवसपणांनी मागून घेतिल्लो म्हण म्हाका तायटावयल्या फोडाभशेन बापूय जपता ते पळ.वंन बापायच्या मनांत फुलील्लो मायेचो रुख आवाटान आनी मुळान केदो आ तलो हाची हावें कल्पना केली.

म्हज्या जल्मा विशयीं उलयतना, म्हज्या जल्माची खुशालभरीत गवाय गावभर दिवपाक बापायन सात सटयो पुजिल्ल्यो आनी व्हडलें फेस्त करतात तसो बारसो केल्लो, अशें कोणें म्हजे सटयेक मोठ वाटिल्लो सांगपाक सदांच छाती फुलयता. एकलो एकसुरो जाल्ल्यान आवय-बापायचे लाड जितले म्हजे नशिबात आयले, तितले कोणाच्याच नशिबांत आयलेना जातले.

आनी चाटे पावलाक म्हाका हे गजालोची जाणीव जातालो. पाटलो भरून माती लेगीत हावें हाडची न्ही, आनी म्हज्या आंगात कुसभर दुख भरची न्ही अशी म्हज्या बापायची इत्सा आशिल्ल्यान बापूय म्हाका कसलींच कामां करपाक आडमेळे हाडटालो. आनी देखूनच हांवें मोन्यानीच सगळें पळोवचें आनी ताची बारीकसाण करची इतलेच म्हजें काम जाल्ल्यान पांडू आनी माला मावशेचें वागणें म्हजे बगळचानदरेतल्यान सुटलेना

'जड लागता?' पांडून पयलेच खेप माला मावशेक विचाल्लें. माला मावशी गोरोच. म्हज्या आवोयसारखी कापड न्हेसयल्यार तो सारखी म्हजी आवोयसारखी दिसूंक कमी पडची ना. माला मावशेचें तोंड कितले वाटकुळेंच! गाल कुळागारांतल्या पिक्या जांबाभशेन. आनी ताज्या ओंठाक पळेल्यार दसणीच्या कळयांची याद कोणाकूच जाल्या बगर रावची ना. माला मावशेची छाती लेगीत कितली उंच. माला मावशी जेन्ना उणोव घालून पाटलो उकलताली, तेन्नां पांडू तिज्या छातयेक पळोवपाक कसोच विसर नासलो. म्हाका एक गजाल समजलीना, कीं पांडून फकत माला मावशेचेच छातयेक कित्याक पळोवचें? हेर कामऱ्यांय ओणव घालूनच माती कालयताली. पुणून बारीक पळोवंक गेल्यार येत पासून पांडू फकत माला मावशेकच चोरून पळेतालो.

खऱ्यांनीच माला मावशेकडेन कसलो तरी जादू आसूंक जाय. ताका दोगांकूय पळोवपाची म्हजी इत्सा चड-चड जाली. तांच्या त्या वागपांत खूप मजा आसली. खऱ्यानीच हांव पयलेच खेप असलें पळेंतां कितले दादले, बायलो अशी पळेलीं, पुणून तांची पळोवपाची तरा अशी नासली. म्हजो बापूय लेगीत आवयक केन्नां असो पळेत राव नासलो.

'जड लागता जाल्यार हांव धरता.' पांडून परत माला मावशेक म्हळें, आ... माला मावशेक जड लागता ताची पांडूक परवा, त्या कामेऱ्यांक कोण विचारीकूय ना. खरेंच माला मावशी नशीबाची !

'जड लागना. पाटलो पिंजला ... माला मावशी पयलेच खेप पांडूकडेन उलयली. उलयतना तिने गालांत हांसत मुरको माल्लो. आनी लजिल्या-भशेन करून मान सकल घाली, आनी पाटल्याच्या पिंजील्ल्या बुराकाचेर हात धल्लो.

'ही ती चांदड्याची पानां घाल. बुरांक पुरोवचोना. पुणून माती वोतची ना; राव आं हांवूच घालून दिता. तुका जमचे ना तें.' अशें म्हण पांडुन मोठी चांदड्यांची पानां देठां सयत तोडली, आनी माला मावशेकडच्यान पाटलो घेवंन त्या पाटल्यांत ती पानां सारखी एकमेकाचेर दाळलीं.

'फोरसान पानां पिंजची नात ?'

'पिंजल्यार दुसरी घालू या.'

'परत परत वावर न्हु ?'

'मागीर कितें करतोलो. आता नवो पाटलो कोण हाडट्टोलो ?' पांडू आनी माला मावशी उलयतना म्हज्या बापायची नदर तांचेर पडली, आनी बापायन मातयेचे हात झेलयत पांडूक विचाल्लें, ये पांडग्या कितें जालां रे ? बेगीन जांव दी.'

'भावडे हो पिंजला. हेगेलो पाटलो. पानां घालतालो.'

बापायच्या उतरांक उतरां जोडून म्हाकाय कितें उलवचेंशें दिशील्लें' पुणून हांव थंयच आसा म्हण बापायक कळल्यार बापायचो व्हडलो धेंगसो घेवचो पडट्टोलो आसलो. आनी कितें पळोवपाक मेळटा तें लेगीत पळोवंक मेळचें नासलें. हांव वगी रावलो. पांडू चादड्याच्या पानांनी तोंड पुसतालो, ताका घसघशीत घाम आयिल्लो. पयल्या बोटाचे केकलें करून ताणें कपलाचो घाम पुसून काडलो.

शी पानांनी घाम पुसता ? माला मावशेन हांसत विचाल्लें. पांडूक माला मावशी विचारतली हें नक्कीच खबर आसलें जावंक जांय. कारण ताणें रोकडेंच फाव तशेंच माला मावशेक विचाल्लें.

'पानांनी पुसूं नाका जाल्यार कितें तुज्या कमराच्या तुवाल्याक पुसों ?

'पुस. पुणून तेका माती लागल्या ती मात तुज्या तोंडाक लागतली.'

'लागल्यार लागों. दी तूं.'

'घे.' अशें म्हणून माला मावशेन पांडूक कमराचो वालो सोडवन दिलो.

पारे बरेच वयर आयलें. मळबांत सूर्य लेगीत माथ्यार पाविल्लो. वताचो कड आनी घामाचो पावस. अर्दी मातो फकत घामानूच कालवताली. पांडूच्या आंगातल्यान तर धारो गळटाल्यो. बापूय-आवय मन लावन काम

करताली. पांडू आनी माला मावशी मात वेठीचो वावर करताली. इल्लें-इल्लें पांडूचें लक्ष कामावयल्यान उडलें. आनी माला मावशीय बी झेमेंल्ल्यांवरी काम करूंक लागली. खरटी मुळांत रावन कितलो तरी वोगोत जालो हांव हातपान्यांचें काम पळेतालों. एकूण 'स' मनशां म्हज्या मांणकुल्या घराच्या कामाक वावुरताली.

'साडेबारा जाली.'

'पुरो आतां, सांजेचे तिनांक येयात.' बापायन सांगनाफुडें कामेऱ्यांनी पाटले राशीर ओमथे मारले, आनी पाटार वचून हात पांय धुले. बापायनूय हात-पांय धुवपाक खोणाऱ्यांत पावलां बुडयली. आनी आवय जेवणाची तयारी करपाक भितर गेली.'

'माला मावशी आनी पांडू दुसऱ्या पाटांत गेली, तेन्नां परत म्हजी नदर तांचेर थिरावली. म्हाका नाका आसली अजाणता उमळशीक लागली तांची हाल-चाल, उलवप आनी हांसप, लजप हे सगळें म्हाका नवेंच जाल्ल्यान ते पळोवपांत एकतरेची मजा म्हाका दिसली. तांतयातल्यान भायर येतल्या पिल्लांक खंय, भोंवतणचो संसार पळोवन जितलें अजाप दिसता, तितलें अजाप माला मावशेचें आनी पांडूचें तें वागप पळोवन म्हाका दिसलें. 'अशें खासा कितें काय तें ? म्हजी तान-भूक गेली आनी म्हजी नदर परत तांचेर पडली.'

'मालान उदकांत पांय बुडयले आनी ताज्या फाटल्यान ताका पळेत पांडू रावलो.'

'तूं धुंयना ? माला मावशेन पांडूक विचारलें.'

'धुंयतां तर. तूं धुय पयलें.'

'तूं केन्नां येयलां ?'

'कालूच येयलां. भावोजीन आपोणें धाडलेलें.'

'उरतलें ?'

'पळोवया !'

'राव गो, दोन-तीन दीस. येयलांच न्हु ?

'रावन दिसता.'

'मागीर कसली आडकळ ?'

'घराकडेन कितलीं कामां आसात. मिरसींगो, काळगां, वाली आनी चवळचो रोयल्यात.'

'हय दोन दीस रावल्यार कांय मरना !'

'पळोवया.'

'तुजें नांव कितें ?'

'माला.'

'बरें नांव आं.'

'तुका मानवले ? '

'खुब.'

'तुजें नांव कितें ?'

'पांडुरंग. पुणून लोक म्हाका पांडू म्हण्टात.'

'देवाचें नांव न्हूं ?'

'हय. पंढरपूरच्या देवाचें. आवय खंय शिरवणात पंढरेक मावलेक गेल्ली. तेन्नां खंय विठोबाक सांगणे केलें आनी चेडो जाल्यार तुजेंच नांव दवरतां म्हण हें आवयनूच सांगलें म्हाका.'

'मागीर तूं जालो?'

'हय, पंढरपूरच्यान येवंन बी हांव जाल्लो खंय.'

'आनी माला मावशी हांसली. मालाच्या हाशांत एक तरेचो ताल आनी रंग आसलो. पुण म्हाका पोराक बरो पारखूपाक येयनाशिल्ल्यान सगळीच धांदळ जाताली, तरुय सगळचो गजाली पयल्योच जाल्ल्यान म्हज्यांतली बारीकसाण मात कमी नासली.'

'ये ... पांडू, जेवण जालें. बापायन पांडूक साद घालो. आनी बापूय म्हाकाय सोदतोलो म्हण हांव बेगीन. बेगीन घराचे फाटल्यावटेन घरांत भितर सल्लों.'

सांजेचे परत पारे थापपाचे काम केमेंस जालें, तेन्नां पांडू आनी माला मावशी सकाळच्या सारखीच खबरो मारतालीं. पांडू आनी माला मावशेचो कामेऱ्यांक दुबाव आयलो. जावंक जाय. तींय बी म्हज्या सारखींच तांका दोगांकूय चोरून पळोवपाक लागलीं. एकदां तर पांडून माला मावशेच्या हाताक धल्लें. मालान आपलो हात सोडयलो ना. तें हांसलें आनी ताणें ल्हवूच कितें तरी म्हळें. हांव बरोच पयस उबो आशिल्ल्यान ताणें ताजो हात कित्याक धल्लो काय ? कसली मजा आसता ! एकवटेन तांचे दर करणें फाटल्यान म्हज्या बाळ मनांक ह्या नव्या गजाली संबंदान प्रश्न पट्टाले. पुणून जाप मेळनासली.

देवळांत इशारद जाली. आमच्या कुळागारांत आयकूंक आयली.

'आमोरी जालो एका कामेऱ्यान वोगोत जाला, आमकां घरा पावपाक जाय हें सूचक उतरांनी सांगलें.'

'हय, चलात. उल्लेलें फाल्यां करचें. थोडया धन्यांक टायप धरचें पडटूलें, बापायन उबो रावन म्हळें.'

'च्यार दिसाचें काम हें. आवयन कामाचो अदमास सांगलो.'

'कांय ना गो, झपझप केल्यार जालें. व्हडलें न्हु तें. पोरुं आमी ओमण्यालें घर आठ दिसानी उबें केलां. कामण्या कामेऱ्यान आपल्या कामाचो अणभव कितलो पेन्नो आसा हें सांगपाखातीरूच ओमण्याल्या घराचें नांव काडलें

बापूय. कामेऱ्यां उलयतना पांडू आनी माला मावशी पाटार गेलीं. हावें निमित्याक हातांत घेतिल्लो पाटी सकल दवल्ली, आनी हांवूय चोर पावलानी तांच्या फाटल्यान गेलों आनी, पणसा आडसाक उबो रावलो.

'पुरो जालें? पांडून माला मावशेक ल्हवूच विचाल्लें.'

'ना. तूं आसून पुरो जालें कशें दिसलेना.'

'खरेंच?'

'तुज्यान तर!'

'म्हाजो सोपूत घेव नाका.'

'कोणाचो घेंव?'

'देवाचो.'

'तूं म्हण कितें देवासारखो न्हूं? नांव लेगीत देवाचें पांडुरंग!'

'हय?'

'न्हुं?'

'माला?'

'हं ...'

'माला म्हाज्या फाटीर माती पडल्या, मातशी पुसून काडशीत?'

'आमकां कोण पळयनात मरे?'

'ना गो. काळवांत कोण येता? तीं पळय सगळीं थंय उलयतात.'

'यो तर, असो फाट करून राव'

आनी माला मावशेन पांडूल्या फाटीवयली माती पुसून काडली.

'बरें दिसलें!'

'कितें?'

'तुयें फाटीर हात भोंवणायलो तो. आंगाक कातकुतल्यो जाल्यो.'

'आनी भोंवणावं?'

'तुका जाय जाल्यार.'

'तुका नाका?'

'म्हाकाय जाय.'

'बरें दिसता न्हु?'

'कितें तें?'

'अशें गो एकमेकांच्या आंगाक हात लावप.'

'हय. कशें तें?'

'देवाक खबर.'

'ये, तुजें आंग कितलें तिवतिवता रे.'

'आनी तुजें म्हणोन ?'

'तुयें केन्ना म्हाज्या आंगाक हात लायला ?'

'पळेल्यार कळटा. पुणून आतां तूं इतल्या फुडयांन आसताना पळोवपाची कसली गरज ?'

'माला.'

'हं ...'

'अशें ... गो. माला हांव तुका वेंग मारूं ?'

'इशी ... नाका. कोणूय पळयत. भावोजीन पळयल्यार भावोजी जितोच खातलो.'

'ना गो. काळोख जालो आतां.'

'पळय हे वटेन कोणूय येता जाल्यार.'

'खंय कोण ना. बेगीन'

'घे ... धर म्हाका.'

हें कितें ? पांडून माला मावशेक वेंग मारली ? हांव कितें पळेतां? पयलेच खेप कित्याक काय ताणें तशें केलें ? माला मावशेक अशें कितें आसा म्हण पांडून मालाक घट्ट धल्लें ? आवंय ... आवंय, हांव माला मावशेक मागीर विचारतोलो, अशें येवजून हांव तांका परत पळेत रावलों, पांडून मालाक घट्ट विळखो घालो. आनी आपल्या आंगार लोटून घेतलें. तो ताका फाफशीतालो. तांजे हात माला मावशेच्या सगळ्या आंगार भोवताले. एकदां तर पांडून माला मावशेची छाती घट्ट धरली; आनी मालान ल्हवूच आवयस केलें. पणसा मुळांत म्हाका जूस्त आयकूंक आयलें.

माला मावशेक पांडू मारता जावंक जाय, माला मावशेक तो दुखयता, बापायक सांगल्यार बरें म्हण हांव बेगीन बेगीन पणसाच्या आडोश्यातल्यान धांवपाक लागलो. धांवताना सुक्या खोंलयांचेर पावलां पडून पत्र्याचो चरचर आवाज जालो, आनी माला मावशेन म्हाका पळेलो.

'बाबू ... बाबू ... बाबू ... राव सांगता.'

'माला मावशेच्या उल्यांत थरथर भरिल्लो. काकूळटेन तें म्हाका उलो मारतालें. हांव रावलों.'

'बाबू ... तूं खंय आसलेलो ?'

'हांव हांगाच उबो आसलो.'

'बाबू, पळय तुका मरे हांव मामागेर व्हरतेंलें. थंय मरे खूब खावंक मेळटा.'

'केन्नां व्हरतलें ?'

'फाल्यां.'

‘ खऱ्यानीच ? ’

‘ हय. ’

‘ मावशे, तो पांडू तुका कित्याक मारतालो गे ? ’

‘ तो मस्तो जालो. ’

‘ दादाक सांगू या ? ’

‘ नाका. काकुळट तेजी. ’

‘ मस्तो न्ही, तुका धरून चिड्डीता ! राव, हांव दादाक सांगून तेका सारखेंच दाखयतां. ’

‘ नाका आं. हो पळय तो गेलो, चल आमी या आतां. ’

‘ तो मारताना तुवें ताका कित्याक मारलो ना ? ’

‘ पिसो, मागीर सांगतां. ’

केन्नां ? ’

‘ न्हिदतना. आनी जाणां मरे आयज तुका हांव बरो काणी सांगतलें. ’

‘ खऱ्यानीच सांगतलें ? ’

आनी काणी सांगपाचें उतर घेवंन माला मावशी आनी हांव घरांत आयलीं. घरांत यो जाल्यार उभारेचेर राऊन आवय लामण दिव्यान वात सारताली. पसऱ्यार पेत्रोल हाडूक बाटली घेवंन वचपाचे तयारीन बापूय भायर सरतालो. आमकां पळोवन बापायन सांगलें ...

‘ चेडया तिनसांजचें भोंवप बरें न्हु, चल देवाक पायें पडून परवड म्हण. ’

‘ बरें दादा. ’

आनी चामडयाचें ज़ोतें करकरायत बापूय पसऱ्यार गेलो. माला मावशेन लांब उस्कारो सोडलो, ताजी उब म्हजेर बसली.

‘ माला ? ’

‘ हं ... ’

‘ चुलींतलो उजो मात्सो फूंक; जेवण जांव जाय बेगीन. ’

आवयन माला मावशेक सांगना फुडें, माला मावशेन म्हजो हात सोडलो.

पारे काडून जातकूच माला मावशी आपल्या घरा गेली. वतना म्हाका व्हरता म्हण सांगिल्लो, पुणून म्हाका फोटोवन मावशेन म्हाका व्हेलो ना. माला मावशी गेली. माला मावशी येवंन म्हाका मात कसली तरी हय–न्हय शी खंय तरी काळजाच्या एका कोनशाक उमळशीक लागली. मन जेन्नां–जेन्नां रितें आसतालें, तेन्नां-तेन्नां दोळयामुखार रावतालो तो आमोरेचो खीण ! ते आमोरेच्या खिणाचे यादस्तीक ! म्हजें चड करून आमोरेचेर चिंतन चलतालें.

निमाणी आमोरी फकत आमोरोच राव नासली. आमोरेची रात जाताली. केन्नां पुनवेची, केन्नां उमाशेची; केन्नां धगमोडी तर केन्नां शेळावी. तरूय

रात जाताली. रातीचे पार जाताले. आनी शेवटाक परत रामपार येतालो आनी नव्या दिसाचों दोंगरा पलतडच्यान येवपी रथाच्या चाकांचों आवाज, काळजाच्या रानानी घुमतालो.

भवानीशंकर शाळेच्या वाठारांत आनी कुळागाराच्या शिवरांत दिशीं-दिशीं म्हज्या दांगानी, म्हज्या आंगानी वसंतात आकऱ्यांवरी रुखा-पाना वाढीच्यो आकऱ्यो येताल्यो. नाकटाच्या मापान दर सकाळीं म्हजी उंचाय वाढत वताली. म्हाका पळेतलो दर एकलो म्हणटालो, बाबू दांगानी वाढलो. पुणून आवयन मात हांव दांगानी वाडलों अशें केन्नांच चुकून न म्हणपाचें कारण म्हाका बऱ्याच तेपान समजलां अशें हांव समजतां. खंयच्याय आवयक आपलीं भूरगीं कितलींय जाण्टीं जाल्यार तीं सदां ल्हानूच दिसतात. म्हजी आवय तरी त्या नेमाक कशी अपवाद आसत ?

हांव जाण्टो जातां. म्हजी उंचाय बापायच्या भूजाक तेकूंक पावल्या आनी दिस जांवच्या आदीं उजवाड जसो इल्लो-इल्लो, ल्हवू-ल्हवू भुंयचेर देंवता, आनी सवका लुख्ख जायत वता, तसो पांडू आनी माला मावशी ही त्या आमांरेर नेमकें कितें करतालीं, तें इल्लें इल्लें, मात्शें हय-न्हय शें म्हजें तकलेंत झळकूंक लागलें.

भवानीशंकर शाळेंत पमाक नोरू घोव म्हण चाळयताले. पमाक आनी नोरूक, देवळा प्राकारांतल्या अगरशाळेंत दवरिल्ल्या रथाखाचींत जायतें खेपो जायत्या भुरग्यानी धल्लेली. रवी आनी जायू काजीनी वतात म्हण तांकाय तशींच चाळयतालीं. आनी भागील्या पोरसांतलीं पेरां चोरून हाडून सरस्वती पूजनाक सुनिताक दिल्लीं म्हणून म्हाकाय बी जायतीं भुरगीं सुनितालो घोव म्हण्टालीं. सुनिताचो घोव कित्याक म्हण्टात हें जरूय समजलेंना, पुणून हांव सुनिताक पेरां तीय बी दुसऱ्याल्या वट्टातलीं चोरून हाडून दितां म्हण म्हाका ताजो घोव म्हणां म्हाका तें चाळवप खूप बरें दिसतालें. सुनिता मदीं कितें आशिल्लें म्हाका खबर ना. पुणून केन्नां-केन्नांय सुनिताक हात लावचो, सुनिताच्या म्हऱ्यांत ताका तेकून उबो रावचो, अशेंय दिसतालें.

घरा पावतकूच तर कुळागाराच्या सावटाक असवडी जाग्यार जेन्नां माला मावशेचो उगडास जातालो, तेन्नां सुनिताची याद येताली. त्या खिणां सुनिता म्हाका तेकून आसचें अशें दिसतालें. पुणून सुनिता एक कोस पयस, तळये पलतडीं आशिल्ल्यान आमांरेर घर सोडून थय वचपाक भंय दिसतालो एक दिस तर देवळाच्या प्राकारांत धरचेल्यानी खेळटां-खेळटां हांव सुनिताक आपटून सकल पडलों, आनी सुनिता म्हज्या पोंदा पडलें. आमकां मास्तरान रोकडींच उकल्लीं, आनी आमच्या भोंवतणी पांच खेपो भुंयची शेकी मुठींत

धरुन घुवणायली. आनी आमची दिश्ट काडली. सुनिताचें आंग कितलें मोव; मात्शी पडलीं खरी पुण सुनिता कितलें मोव तें पळोवंक मेळ्ळें. पुणून परत मागीर आमी केन्नांच पडली ना. खेळटना हांव ताका आपटूपाचें खूबदां पळेतालों. पुणून सुनिता सांबाळून खेळटालें. तें माला मावशेसारखें आसल्यार? आंगान मोठ्ठें, छाती मोठी, केंस लांब आनी कसलो तरी घम–घम येवपी. पुणून सुनिता सामकें बारीक आशिल्लें. ताका माला मावशेसारखें उभार हड्डें नासलें. ना जाल्यार पांडून जशें माला मावशेचें हड्डें दाल्मीलें, तश हांव लेगीत सुनिताचें दामूक फाटीं रावचो नासलों पुणून तशें केन्नां जालें ना. म्हजी तान मात तशीच उरच्या सुवातेर ती दिशीं–दिशीं खिणा–खिणांत वाढीक लागली.

दुसऱ्या वर्सा सुनिता शाळेंत आय्लेना. भुरग्यांनी म्हाका चाळोवपाचें बंद केलें; आनी म्हाका खंय तरी चुकिल्ल्या भशेन जालें. पांडून जशें माला मावशेक त्या आमोरेर केल्लें, तशें म्हाकाय बी सुनिताक करुंक जाय आसलें. आनी हालीं–हालीं तर म्हाका परत परत त्या आमोरेची याद जातालीं; आनी हांव सामको फुगारमार जातालों. हथा दशेक कितें म्हणप तेंच म्हाका समजलेंना. आनी एकटो आसतकूच म्हाका ते खीण याद जातात म्हण हांवें आवयची शेपडी धल्ली. आवय कुळागारांत शिंपणे करतालो. आवय फाटल्यान भोंवप, बांदली सोडवप, बांदलो घालप, आनी पाटानी उदक सोडप ही कामा करपाक म्हाका मजा दिसतालो.

आनी एक दिस बापूय घाटार वच्चे पयलीं आमी माला मावशेच्या लग्नाक गेल्लीं माला मावशेच्या गळयांत एका दादल्यान माळ घाली. माला मावशेक साडी न्हेसयल्ली, माथ्यांत फुलां माळिल्लीं, त्या दिसा माला मावशी खूब लजताली. आवयन म्हाका सांगलें माला मावशी घोवागेर वता. माला मावशेन पांडूक मात आपयलोना. लग्नाच्या माटवांत पांडू खंयच दिसलोना. पांडू माला मावशेच्या लग्नाक कित्याक आयलोना, हें हांव परत घरा पावसर चिंतूक पडिल्लों. माला मावशेन पांडूक लग्नाक कित्याक आपयलोना हें म्हाका आयज मेरेन समजलेंना.

□ □ □

□ □ □

'बाबू, आरे पाटांत नाचूं नाका. थंडी जातली.' आवयन हातांतलें कल्ले. कोणान्यांत बुडयत म्हाका सांगलें, आनी कल्लें भरून सात–आठ हाताच्या अंतराचेर आशिल्ल्या कावत्यांच्या मुळाक उदक घालें. सुकिल्ल्या जमनीन उदक चरचरीत ओडून घेतलें आनी मातयेचो वास सुटलो. माती उदक ओडून घेवंन पयल्याच पावसाक जसो मातयेक वास येता तसो वास आयज आयलो. आमच्या खोपी भोंवतीं कुळागार जाल्ल्यान फात्यापारार वाघतळयेर वचन तळी सोडून कुळागार शिंपपाक एक तरेची मजाच येता. हय. नां, श्या उजवाडान माडयांच्या सावळयांक माडुात पाटान वाघातळयार वचून तळयेचो गुड्डो काडपाचें काम पयलीं–पयलीं बापूय ना जाल्यार वयल्या कुळागाराचो मालक देसाय करतालो. देसायालें वयरूच कुळागार जाल्ल्यान ताचें शिंपणें पयलीं जातालें. आनी दिस-उजवाडांत येता म्हळयार आमच्या कुळागारांत पयल्या पाटांन उदक भरतालें.

हालीं हालीं शेपडी कशो हांव आवय वता थंय वतालों. फात्यापारार तर शिंपण्याचो वेळ जालो ना जालो, हांव अचरयांच दोळे उक्ते करून पाडसातल्यान भायर पळेतालों. दारांतल्या पणसावयले ना जाल्यार आंब्यावयले कावळे रडूंक लागले कांय ना हाची मोन्यानी जाग घेतालों. आनी केन्ना–केन्नांय सुस्त न्हिदिल्लें आवयक शिंपण्याचो वोगोत जाला म्हण हालोवन उठयतालों. आनी म्हजे हे अुमेदीक लागून आवय म्हाका घेवंनच वाघतळयार खाणीचो गुड्डो सोडपाक वचपाक लागली.

भायर वच्च्याआदीं तर बापायन तळी सोडपाचें काम म्हजेर आनी आवयचेरूच सोपयल्लें. आनी आवयक सांगिल्लें ... 'राव बाबू मात्सो व्हडलो जांव दी, तोच वोचोन तळी सोडून शिंपणें करतोलो. आमकां कांयच लागूंक दिवचो ना.' आनी दोगांचीय नदर म्हज्या वाडे कडें लागिल्ली.

'बाबूक आमच्या बारावें सोपून तेरावें लागलें.' आवयन शेजान्नीक सांगलें तेन्नां म्हाका कळ्ळें कीं हांव आतां मानाय जावपाक पावलां म्हण. म्हज्या मनांत चितप येता ना येता शेजान्नीनूय म्हज्या मनांतलें आयकल्याभशेन रोकडेंच म्हळें ...'

'बबू आता मानांय जालो.'

'आतां हांव सून हाडटली.'

'हाड बाये, बरी शी हाड आं, गोरीपिट्ट. तुमीं सगळीं गोरीच न्हु?' शेजाऱ्नीन परत हेळे ओडून म्हळें आनी पूच्च करून खावचीपानाची पीक शेणान सारयिल्ल्या आंगणभर माल्ली. आंगण पिताऱून शेजाऱ्नीन कुस माल्लो, तसो हांव लव्हूच भितर वचून म्हाजो आंगलट पळोवंक लागलों. मानाय जालो म्हण कशें वळखतात तें सोदून काडपाखातीर हांवें हारसो मुखार धल्लो.

पिपरेसारखे टवटवीत मुखमळ गेल्ले दोन-चार म्हयन्यापयलीं पळयिल्लें तशेंच आशिल्लें, बापायक मिशो आसा तश्यो मिशो म्हाका येवंक नाशिल्ल्यो. बापायच्या हड्ड्यार केसांचें काळें रान आसा, तशें रान सोडूच, एक काळो केंस लेगीत म्हज्या हड्ड्याक फुटू नाशिल्लो. मागीर म्हाका मानांय म्हणपाक कारण कितें जालें काय? आवयक विचारुंक लज कशी दिसूंक लागली. आवय धेंगसो घालची नाशिल्ली. पुणून मनांत मनायपणाच्यो खुणां खंयच्यो-खंयच्यो आसता हाचो अदमास करतां करतांच त्या दिसा म्हाका दोळो लागलो. 'चेड्या ... चेड्या ... आरे, उठ मरे. तळें सोडूंक वच!' आनी हांव कच्च करून उठून बसलों. आयज हांव एकलोंच वाघातळयेर, तळयेच्या खाणीर वचपाचो आशिल्लों. काल बापायन आवयक सांगिल्लें, कीं फाल्यां बाबूकच वचूं दी तळी सोडूंक. आतां ल्हान ना तो.

हांव बेगीन-बेगीन उठलों, घोंट घेतलो, रांदचे कुडींत वचून रातचे थंड, पेजेचो घोट घेतलो आनी दारांतलें कोयतूल घेवंन खोपीची कवडी पयस करून पाटावयल्यान बद्ध वाघतळये वटेन चलूंक लागलों.

पयलेच खेप सांगात नाशिल्ल्यान काळजातली धप्पधप्प कमी जायनाशिल्ली. मात्शें लेगीत सर्र जाल्यार वा माडयेचे चुडीत हाल्ल्यार आंग जड जातालें, आनी पावलां उकळपाक कुस्तार जातालीं. पुणून आवयन मानायपणाची जाणीव करून दिल्ली, त्या मानायपणाची काल्पनीक शक्ती लिपूनच म्हाका नेट दिताली.

माडयेच्या कळसाचेर चान्नयाचो शिवर जाल्ल्यान, माडयांची खोकाळां म्हळ्यार रथाचें घुड कशें दिसतालें. वाऱ्यान हालतकच आनी पळोवपाक मजाच दिसतालीं; पुणून एका मनांत भिरांत आशिल्ल्यान फांत्यापारावयलें तें सोबीत कुळागार आनी कुळागारांतल्या त्या पांचव्या दौलतीची मिरास पळोवपाक चित्त लाग नाशिल्लें.

तरूय मन घट्ट धरून हांव तळया खाणीर पावलों खाणीर उबो रावन तळयांत नदर माल्ली सगळें मळभ आनी मळभाची अख्खी धनदौलत तळयांत तळें भर जाल्ली, अस्तमतो चंद्रीम लेगीत तळयाच्या वयल्या भागांत

ल्हवूच येवंन दडी मारून बशिल्लो. झाडाच्या वयल्या खांदयांक लागून चंद्रीमाचें पडबिंब तळयांत सारखे पडूक नाशिल्लें ; तरूय एके असल मांडी मोडून बशिल्ल्या मोने बायलेभशेन तें तळें फातयापारावयलो मोनो काळ सारतालें. मळभातलीं चलती कुपां तळयाच्या मंद वाळवंटावयल्यान हातांत बडो घेवंन बेगीन–बेगीन चलतले म्हातारेभशेन चलतालीं. पुणून हें सगळें सैमाचे रूप चोरपाक म्हाका वेळ नाशिल्लो.

काळोख–काळोख म्हण्टां–म्हण्टां दिसाचो उजवाड चान्नयाच्या उजवाडांत भरसलो आनी खाणोवयले ओंवळीवयल्या कोगळान पाकां फाफडीली, आनी सदांभशेन 'गोपीके तळयाबांदार शिंपूक यो ' अशें म्हणील्याभशेन रडपाक सुरवात केली. कोगळाचें गीत आयकून कावळे जागे जाले, आनी तळयाचो वाठार कावळयांच्या रडीन गुस्पलो.

हांवें खाणी सकल वचून भोंमांचो गुड्डो काडलो. आनी नाक दाबतकच एकाच नेटान जशें तोंड फूस्स् करून उगडता तशें उदक फस्स् करून गुड्डो काडीना फुडें भायर आयलें. घस–घस करून उदक पाटां भरून व्हांवपाक लागलें. देसायाल्या कुळांगारांत उदक पावलें, आनी कुळागारातले सगळे पाट उदकान उपाट भल्ले. देसायालें शिंपणे जातकच देसाय उदक आमच्या कुळागारांत सोडटालो. आयजूय देसाय शिंपतोलो आनी मागीर आमचें शिंपणें जातलें हें येवजून हांवें उदकाफाटल्यान धांवपाची घाई केली ना· देसाय शिंपता म्हणसर कमीत–कमी अर्धवर तरी जाय. हांवें अदमास बांदलो, आनी पाटांत पांय बुडोवन हांव परत खाणोवयल्यान कुळागारांत आयलों.

देसायाल्या कुळागारांत आयज़ शिंपण्याचो आवाज येना तो पळोवन म्हाका अजाप दिसलें. आयज किते जालें काय ? देसाय शिंपण्याक कित्याक येवना ? देसायालें येवजितां–येवजिता देसायाली मूर्त दोळ्यामुखार उबी रावली. बोमले सकल बाणशिऱ्या इतलो काळो–चामाड्डो वालो न्हेसून शिंपण्याक येवपी देसाय, मदींच गळयांतलें जानवें कानाक लावंन माडयेच्या मुळांत मूतपी देसाय आनी 'पंढरीनाथा झडकरी आतां' हे गीत शिंपताना म्हणपी देसाय ! बरोच वेळ जालो, उदक सामकें पार भरून काटावयल्यान वत्तालें. जळीं–मळीं केळींची सगळीं बांदली तशा–तशीं आशिल्ल्यान उदक भरतालें आनी भरून मागीर बांदावयल्यान व्हांवतालें. देसायान सगळे पाट बरे पेटून घेवंन शेण काडून घेतिल्ल्यान ह्या पाटातल्यान उदक व्हावताना उदकाक पळोवपाक एक वेगळीच ओढ आशिल्ली. पुग उदक शिवरतालें. म्हाका अजाप जालें, केन्नांच शिंपणे न चुकवपीं देसाय आजून कसो आयलोना ? हें येवजीतां–येवजीतां हांव सकल्ल्या दांडयार

पावलों, आनी डोंगराकडेतल्यान व्हांवतल्या व्हाळशेचेर घाल्ल्या खोपडच्याचेर नदर माल्लीं. ह्या खोपडयाच्या खुटयांक एकदां देसायालो न्हेशिल्लों वालो फारावून पिंजील्लो. आनी कमराचो सुटलो तेन्नां देसाय खंय केळीची शिर्त कमराक गुटलांवन घरा वचून दुसरो वालो न्हेशिल्लो. अशें देसायाविशयीं उलयताना कोणूय सांगतात. हरशीं देसाय तसो बरो पुणून आपल्या कुळागारांत कोणेंय परबयान पांय दवल्ल्यार सारखो भूतनाथ जातालो. कुळागारांतलो खंयच्याय सणा-परबेक बी जर कुळवाडयान केळीची शिर्ती काडीत जाल्यार ताचे बारा बिरेस्तार आनी तेरा शुक्रार करपाक देसाय फाटीं रावनाशिल्लो.

असो हो देसाय आयजूच शिंपण्याक कित्याक आयलो ना, हें येवजितां-येवजितां म्हज्या कानार कोणा तरी बायलेचो आवाज हयन्हय सो पडलो. कांकणां वाजलीं, आनी आवाज अस्पष्ट जाल्ल्यान वगीच दुबावान म्हजें आंग मात्शें जड जालें.

बाबू ? म्हाका साद घात्लो तें वटेन पळेलें आनी त्या भर रामपारार गोरेपिट्ट चलयेक पळोवन हांव अजाप जालों.

'तळी सोडली ? तिणें म्हजेवटेन येत विचाल्लें. हांवें दोळे मोटे कोरुन तिका पळेली. वाटकुळेंच मुखामळ आशिल्ली रुपेस्त चली आनी अशी ह्या वाघतळ्यार ? म्हजो विश्वासच बसना जालो. पुणून दोळ्यामुकार साक्षात उबें आशिल्ले चलयेक फट कशी म्हणू येत ? आंगात साय-ब्लावज घालां, उभार छाती, काळ्या केसांच्यो दोन विणयो, आनी बिटबिटीत कोरीब दोळे पळोवन पयलेच खेप म्हज्या जिणेंत म्हज्या काळजाच्या कोनशाक खंय तरी हय-न्हय शी मात्शी चलबिचल जाली.

तें सामकें म्हज्या म्हऱ्यांत आयलें, आनी सामकारा उबें रावलें.

'आयज एकटोच आयला ? ' ताणें हांसत विचाल्लें.

'हय. आयजसान हावूंच तळी सोडोवक येतलों.'

'तुका भंय दिसना ? '

'कसलो भंय ? '

'कसलोय, तुका समजना, एकटो येतकूच कोणूय भेसडायतात म्हण, '

'पुणून म्हाका काय आजून कोणेंच केन्नांच भेसडावना.'

म्हाका बाबा भिरांत दिसता. पुण कितें करतलें ? आयज म्हजेर कशेय-भशेन हांगा येवपाची पाळी आयली. बाबाक थंडी जाल्या. रातीं रातभर खोंकतालो. ह्या तळ्याचें उदक बादलें ताका. आयज म्हाका शिंपचें पडटलें ... तें एकसारखें उलयत रावलां तें पळोवन ताका खंय तरी मदींच थांबोवन म्हाकाय बी ताका सांगन दिसलें को आयजसान हांव्य बो एकटोच शिंपतोलो म्हण. पुणून तें सांगत आशिल्लें. 'बाबा म्हण हें कुळागार, ना

जाल्यार माणसुकी नाशिल्ली रे बाबा.'

'ये बाबू तूं येता ?'

'खंय ?'

'आमचें कुळागार शिंपूक.'

'मागीर तूं आमचें शिंपूक येतलें तर ?'

'ना बाबा, तुमचें म्हण कुळागार आमी शिंपप ? आमी कितलींय जाल्यार देसायां, कोणूय कितें म्हणत ? – हं ... म्हणजे हाका आपल्या देसायपणाची बरीच मिजास आसा तर, हांवे मनांत म्हळें. आनी ताका ताज्याच उतरांनी जाप दिवपाक तोंड उघडलें

'तुमी देसायां म्हण आमचें कुळागार शिंपूक जशें तुका कमीपण येता, तशेंच म्हाकाय बी हांव एक गावडो जाल्ल्यान तुमचे कुळागार शिंपूक कमीपण दिसता. चल शिंप तूं एकटेच. हांव येना, अशे तिडकीन म्हणून हांवें ताका फाट केली परत काकणाचो आवाज जालो. आनी ताणें ल्हवूच म्हज्या खांद्यार दवल्लों, आनी म्हळें 'व्वा, बरो मरे हुशार तूं, बापायपरस शाणो आं, इल्लोसो आसा तूं आनी सर–सर उलयता पळय कसो ?'

'देवान तोंड दिलां तें उलोवपाक न्हय ? तूं उलयना ? तूं कितें रडटा ?'

'म्हजेकडेन झगडीं करतां ?'

'हाव खंय करतां, तूंच तें'

'आरे मोगान कुळागार शिंपूया म्हळचार तुका राग कित्याक आयलो ?'

'आनी हांवें जेन्नां कुळागार शिंपूया म्हळें तेन्नां तुगेलें देसायपण जागें कित्याक जालें ?'

'चुकलें बाबा, आतां तरी जालें ? आनी अशें म्हणून ताणे म्हाका फोर्सान आपणावटेन घुवणायलो. हांव ताका सामको तेकून आशिल्लों ताज्या तोंडातली उब म्हज्या तोंडातल्या उबेन भरसताली. नाकातले श्वास म्हज्या स्वासांत घुस्पताले म्हाका पळोवन तें हांसूक लागलें आनी हांसता-हांसता सामके गंभीर मुद्रेन म्हजेकडेन कितलो तरी वेळ बक्याभशेन पळेत रावलें. ताणें म्हज़ें तोंड पळेलें, छातयेर नदर माल्ली, म्हज्या चेड्डेर नदर माल्ली, आनी म्हाका तेकून उबें राबून म्हजी उंचाय मापली.'

'बाबू, तूं बरोच व्हडलो जालो मरे, आतां तूं मानाय जालो.'

आमचो बाबू मानाय जालो, आनी आतां तूं बरोच व्हडलो जालो, मानाय जालो, दोग वेगवेगळ्या बायलानी एकाच संदर्भांत काडिल्ल्या उतरांचो फरक म्हाका नकळटा जाणवलो आनी आवय आनी परकी बायल मनीस हांच्या मदलो फरक कितलो स्वाभाविक आसता हें जाणवलें.

'सोड म्हाका, पळय उदक पार भरून व्हांवपाक लागलें. चल वचून शिंप. हांवें म्हाका सोडवन घेतलो. आनी हांव ताच्यापासून पयस जालों. म्हज्या

आंगात त्या शिरंतरानी उत्पन्न जाल्ली गरमी म्हाका त्या शियाळ फांत्यापारार उपेगाक पडलो. सदां हाता–पायाचीं बोटां थंडेन सामकीं वातडेतालीं. आयज बोटां घट्ट आसलीं. मनशाच्या आनी तीय बी चलयेच्या आगात उज्यापरस खर गरमी आसता हें म्हाका पयलेच खेप कळ्ळें.'

'ताणें कल्लें घेंतलें आनी उदकांत बुडयलें, कल्लें भल्लें पुणून भरिल्ल्या कल्ल्यांतलें उदक सारखें शिवरलेंना तें पिशाभशेंन म्हाकाच पळेतालें.'

'आगो शिप मुगो.'

'हं ... ?'

'शिप ... ना. जाल्यार बाबा मारतोलो तुका. हांवें हांसून म्हळें.'

'हं ... हं ... तूं ... यो रे ...'

'ना ... म्हाका म्हजें कुळागार शिंपूक जाय, वतां हांव. अशें म्हणून हांव चलूक लागलों.'

'वतां ?'

'हय.'

'राव रे मात्सो, म्हाका एकटोच सांडून वतां ?'

'भंय दिसता ?'

'हय.'

'मागीर एकटें आयलें कशें तर ?'

'तुजी जाग आयकून आयलें.'

'ना, वतां हांव. आवय वाट पळेतली. आनी आयज पयलेच खेप हांव हांव हांगा एकटोच आयला न्हय ?'

'कांय हुस्को करीना, आतां तूं कितें सामकोच ल्हान ना, हांव लेगीत तुजें असलें आसताना एकटें चलीमनीस सगळें कुळागार भोवतालें. तूं तर दादलो तुका कसली भिरांत ?'

'आनी तुमकां चलयांक कसली भिरांत ?'

'व्वा, तुमकां फोर्स आसा तसो आमकां खंय आसा, कोणूय येवंन उकलून घेवन गेलो जाल्यार ?'

'तुका कोण कित्याक व्हरतोलो. तुज्या गळ्यांत काय भांगर न..'

'भांगराखातीरूच उकलून व्हरतात तर ?'

'दादल्यांक जायते कितें जाय आसता आमचे कडच्यान. आनी हें उतर सांगून तें खूब लजलें. ताणें मान सकल घालीं. आनी कल्ल्याचो वयलो भाग जांगा पोंदा घालून नेटान चिड्डिलो. म्हाका ताज्या हचा करणेचे अजाप दिसलें. तें लजलें कित्याक काय ? आनी दादल्याक बायलो नेमको कित्याक जाय, हें येवजूपाक पडलों, तें पळोवन ताणेंच म्हाका प्रश्न केलो.'

‘ कितें येवजीता रे ? ’

‘ ना, दादले बायलांक असवडी सापडल्यार चोरून व्हरतात तें आयकून म्हाका अजाप तर दिसलेंच त्या भायर चोरिल्ल्या बायलांचे दादले कितें करतात हें येवजितालों. ’

‘ तुका खबर ना ? ’

‘ ना. ’

‘ मानांय जावन फुकट तर तूं. आनी तें व्हडल्यान खळखळून हांसलें. ताजो हांसो आनी पाटातल्या उदकाचो खळखळ एकमेकांत इतलो भरसलो कीं खंयचो हांसो आनी खंयचो उदकाचो खळखळ हेंच वळखूंक म्हाका जमलेंना. ’

मानांय जावप म्हळ्यार हयो सगळ्यो गजाली जाणां जावप हें एक आतां कळ्ळें. मानायपणांत तांक, बुद्धी, हुशारकाय जांटेपण, व्हडपण आदी सगळ्यो गजाली आसपावतात तर ? हांवे मनांत म्हळें. आनी हांवें ताका पळेलें. म्हाका म्हज्या मानायपणाची जाणीव जावंक लागली. हांवे आवाजांत जांटेपणां हाडलीं, ताळो खरकीलो आनी जांटो उलयता त्या नेटान उलवपाक तयार रावलों. पुणून तें कितलो वेळ मोने कशें वग्गी रावलें. दोळें फोडून तें म्हाका पळेतालें तितलेंच, पुणून म्हज्यांत अशें कितें पळोवपासारखे आशिल्लें तेंच म्हाका आजून समजूंक शकलेना. हांवें पाटांत त्या उदकांत पळेलें, उदक आडो उबोवन म्हज्या कुळागारांत पावलां जातलें, अशें येवजून हांवें ताका म्हळें ...

‘ बरें गो. वतां हांव. आवय वाट पळेतली. शिंप तूं ? आनी पावलां उकलूपाक म्हाका ताजें नांव विचारपाची उमळशीक लागली. तें म्हजें नांव जाणां म्हूंटकूच हांवय बी ताचें जाणां अशी ताची कल्पना आसू येता. देखून ताणें सांगलें ना जावये हें चितून ताका हांवें प्रश्न केलो. ’

‘ तुजें नांव कितें ? ’

‘ इतलें उलयलों आनी नांव खबर ना ? ’

‘ ना. ’

‘ आरे एकाच गांवची मरे आमी. आनी तुका म्हजें नाव खबर ना ? ’

‘ ना गो, खऱ्यानीच. आमी तुमगेर कित्याक येतात ? तुमी देसायां न्हय ? व्हडलीं मनशां. म्हजो थमणो ताका बसला काय देव जाणां, पुणून देसायां म्हणना बराबर तें मात्शें शादूर जालें. ’

‘ हय, म्हेजें नांव मरे, आतांच सांगूक जाय ? ’

‘ तुका नाका जाल्यार सांगू नाका ? ’

‘ फाल्या मेळल्यार खंयच्या नांवान उलो मारूं ? ’

'तूं फाल्यांय तळयेर येतलो ? '

'हय, आतां हांव आवयचें काम करतोलों. तिका म्हण मात्सो आर दिव नाका ? म्हजो बापूय तर आयल्या हेर धंद्याक वता.'

'ये ... खऱ्यानीच मज्जा न्ही कुळागारांत ? हांव लेगीत बाबावांग येतलें. ताणें तारीत म्हळें. आनी उदकांत पिट्ट करून उडी मारली. ल्ये सरशी पच्च करून उदक उसळलें.'

'यो सदांच यो, म्हाका किते ? बरें ... तर ... वतां हांव.'

'फाल्या येतलो मरे ? '

'हय.'

'खऱ्यानीच ? '

'खऱ्यानीच. आनी इतल्यान म्हजें आवयचो उलो म्हज्या कानार पडं. हांव जाणाच आशिल्लों; ताच्या खबऱ्यांक लागून म्हाका वेळ जालो म आनी आवय हुस्को करतली म्हण.'

हांवे बेगीन–बेगीन ताजेर नदर मारून पाटावयल्यान सकल्ल कुळागारांत धांव मारली.

सकल्या आडयां धांवार पावतकच हांवें नकळटां फाटीं वळून पळेलें. आजून म्हजेवटेन पळेतालें.

□ □ □

□ □ □

'बाबू असो कित्याक हुळहुळटा रे?' मध्यान रात जाल्या. खोपीभायर आंगणाचे पेळेर बसून सुणें आंग फाफुडटालें, खश्टीचेर नातूक रडटालें आनी अदी–मदीं रडटल्या किडीच्या आवाजांत म्हज्या काळजाची धडधड भरसताली. न्हिदतपासून शंभरखेपो कुस बदल्ली. मालाच्या प्रश्नान मात्सो कांचवेलों, उस्कारो दाबून धल्लो, आनी हांव वग्गी न्हिदला म्हण दाखोवपाचो यत्न केलो. माला मावशेच्या प्रश्नान म्हाका चार वर्सांपयलींच्या त्या पळयिल्ल्या खिणाचो उगडास जालो. त्या आमोरेर पडून मालाक कशें सासपिल्लें तीं याद जाली. पडून मालाक त्या आमोरेर नेमकें कित्याखातीर घट्ट धरिल्लें तें आयज मात्शें कळ्ळें. हें कळप म्हळ्यारूच मानायपण आसूंक जाय अशी म्हजी खात्री जाली. माला मावशी लग्न जायतपासून मडगांवा आपल्या घोवागेर रावता अशें बऱ्याच तेपान म्हाका आवयन सांगिल्लें. माला मावशेच्या घोवाक मावसो म्हणूक जाय हेवूंय म्हाका शिकयिल्लें. आनी तेन्नांसान मडगांवच्यान लांब कलसांव घालून आमगेर येतल्या दादल्याक हांव मावसो म्हण्टालों तो म्हाका अपूरबायेन आपल्या म्हन्यांन आपोवन बिस्कूत्यो ना जाल्यार चाकलेटी दितालो. हांव त्यो घेवंन आवय म्हन्यान धांवतालों, आनी आत्रयक लेंमडायतालों. आवय विचारी मावशान खावपाक कितें हाडलें रे? म्हाका दिना? मागीर आवय च्या घेवंन भायर येताली, आनी दारा आडसाक रावन मावशाक विचारी 'माला कशें आसा? भुरगीं बी बरीं आसा मुं?'

'धाकल्याक मात्शी थंडी जाल्या, पयरूच दोतोराक दाखयिल्लो.' मावसो सांग आनी हांव आयकतालों. मावशाक हांवें पळयिल्लो तो खश्टी पोंदचो खीण सांगचो, अशें म्हाका खूप खेपो दिसतालें, पुणून म्हाका कशें सांगचें तेंच जमनासलें. आयज म्हाका त्या खिणाची सारखी याद जातकूच म्हज्याय

आंगात खंय तरी कसली तरी अचळय हालचाल जाता. सुस्कारो गरम जाता. आनी हांव हे कुशीवयलो त्या कुशीर परतलों.'

बऱ्याच तेपान माला मावशी आयज आमगेर आयिल्ली. आयज दनपारां तर माला मावशेन येनाफुडें म्हाका पळेत म्हळें, 'आरे चोरा आतां व्हडलो जालो म्हण जाप दिना, तुजो गु–मुत हांवेंच काडला. तुज्या लग्नाक म्हाका शालू दितलो मरे?' अशें म्हणून माला मावशेन म्हज्या गालाक चिमटो काडलो. हांव हांसलो आनी वग्गीच रावलों.

रातचें जेवण जाले, आनी आवयन सान्न मारून न्हिदपाक आंथरूण घालीं. फांत्यापारार बेगीन कुळागारांत वचूं जाय, हचा गातीर बेगीन न्हिदप हें चिंतून हांवें आंथरूणार घालून घेतलें. आवयन आनी मावशेन पान खालें. पिचकारीं कडव्यातल्यांन भायर माल्ली; आनी दिवो पालोवन दोघांय न्हिदूक आयलीं. 'हांव अशेंच बाबू फुडयांत न्हिदतां.' अशें म्हणून माला मावशी म्हज्यासरीं येवन न्हिदली.

'दिवो पालंव? आवयन माला मावशेक विचाल्लें, तेन्नां हांवें न्हिदला आसतानाच बिटबिटच्या दोळयांनी माला मावशेक पळोवन घेतली. आवयन दिवो पालयलो आनी खोपभर काळांकिट्ट काळोख जालो. कोणूच एकमेकांक दिसना जालीं.

बरीच रात जाली, तरी म्हाका दोळो लागना जालो. माला मावशी परत–परत विचारताली कित्याक हुळहुळटा रे? मावशेक विचारीन दिसलें कीं मावशे मानायपण येतकच रातचे अशेच तळमळे लागतात गे? पुण मध्यान रातीं तसो प्रश्न करप म्हळचार पिशापणां शीं म्हाका दिसलीं. केन्नां वितें उलवप, वा वेळा–काळाचें, आनी थळाचें भान दवरूपाची एका मनशामदीं तांक येवप म्हळचार लेगीत ती मानायपणांचीच लक्षणां आसूंक जाय. तशी मानायपणांची लक्षणांची जाग म्हजीं म्हाकाच हालीं–हालीं चडच जाणवूपाक लागली. देसायाल्या त्या चलयेन तर मजाच केली. खरें म्हळचार हांव मानाय जालां हे ताणेंच पयलें म्हज्या लक्षांत हाडलें.

आनी आयज आतां लेगीत मानायपण म्हाका न्हिद पडूक दिना. म्हऱ्यांत माला मावशी न्हिदल्या. माला मावशेची उब मेळची, माला मावशेच्या वगेंत न्हिदचें, असो विचार त्या काळखांतूच म्हज्या तकलेंत आयलो. पुणून काळजाच्या कोनशाक हचा चितपान कसली तरी परत धड–धड सुरू जाली. आनी हड्डे वयर–सकल जावपाक लागलें. आनी हचा हुस्कारांच्या धडपडीं-तूच आसताना न्हिदेंतच माला मावशेन म्हजेर हात उडयलो. माला मावशेचो जड हात म्हाका कसोसोच लागलो. हांवें हात काडलो ना. तसोच दवरून

घेतलो, आनी हांवेय बी म्हजी कूस परतीली. आनी माळा मावशेक तेंकून गेलों.

माला मावशेचे मोव-मोव आंग म्हाका तेन्नां दांबीन दिसलें. हाच्या पयलीं अशें केन्नांच दिसू नाशिल्ल्यान आयजूच म्हाका इच्छा जाली. आनी आंगात कसलो तरी भार आयिल्ल्याभशेन म्हजीं शिरंतरां शेकान–शेक शिरशिरलीं, आनी हांव अधिकूच माला मावशेक तेकून न्हिदलों.

फांत्यापारार सदांभशेन जाग आयली. तेन्नां माला मावशी म्हाका आपले वेंगेंत घेवंन सुस्त न्हिदील्ली. हांवें ल्हवूच तिचे हात कुशीन काडले, आनी वेंग सोडवन घेतली.

चेड्डेची दोरी सदळ जाल्ली, ती घट्ट करीत हांव चादर कुशीक उडयत हांथरूणावय्लो पयस जालों, आनी आवयक उलो माल्लो.

'आवय, दिवो मात्सो पेटय गे.' आवयन कसलीच हालचाल केली ना ती पळोवन परत नेटान उलो माल्लो आनी दुसऱ्याच उल्याक आवय पिरंगत जागी जाली.'

'कितें रे ?'

'दिवो लाय.'

'फातोड जाली ?'

'हय. दिस जावचो जालो.'

'तळचार वयतां ?'

'हय.'

'एकटोच ?'

'दिवो पेटय गे पयलो ; मात्सो आवाज चडयनाफुडें आवयन उशा पोंदच्या फस्काक हात घालो, आनी फस्क काडून काडी माल्ली. काडी पेटळी ना. दुसरी माल्ली, तिसरी माल्ली, पाड पडों शेळेलां दिसता, अशें म्हणून चवथी माल्ली तेन्नां दिवो पेटलो.'

खोपींत दिव्याचो उजवाड जालो आनी त्या उजवाडांत म्हजी नदर गेली ती माला मावशेचेर. माला मावशी उदारीच न्हिदील्ली तिचो छातयेवयलो पदर तिच्या पोंदा पडिल्लो. न्हेसण तर मेळत तशें जाल्लें. कमराच्या मिरयो सुटिल्ल्यान सगळें न्हेसण कुशीक पडिल्लें. मात्सो कापडाचो शेव तिच्या आंगार आसलो. पायांच्यो पोंवटयो आनी जांगो, सोलील्ल्या केळीचे गोबे कशे दिसतालें. म्हजी नदर बरीच वेळ तिच्या आंगार थिरावली. जांगा

वयर पडिल्लो पदर कोणें तरी कुशीक काडचो अशी इच्छा म्हज्या मनांत आयली. आनी आवयन पेटयिल्लो दिवो म्हाका नसाय जालो. उजवाडाचो दुस्वास करून चिमटी मारून दिवो पालोवचो आनी परत वचून न्हिदीलो थंय न्हिदचें अशें म्हाका दिसलें.

'चल रे, घोट घे. उबो कितें रावला ? आवयच्या प्रश्नान हांव तंद्रीतल्यान भायर आयलों, आनी चोराभशेन हांवे ल्हवूच थंयच्यान पावलां उकल्लीं. दोळयांमुखार माला मावशेचें उक्तें आंग दिसूंक लागलें. अशें केन्नांच जाय नासलें. असो इतलो अस्वस्थ केन्नांच जाय नासलों. आयज मात म्हजी पुराय खात्री जाली की हांव खऱ्यांनीच मानाय जालां. माला मावशेच्या त्या देहाचें येवज़ीतां–येवजीतां म्हाका तळयार वचपाची उमळशीक लागली. तळयार देसायाली चली येतली म्हाका तेकूव रावतली, मागीर पांडू माला मावशेक तेन्नां करतालो तशें हांवूय करतोलों. चितपानीच आंगाक कातकुतल्यो जाल्यो. बेगी–बेगीन घोंट घेतलो, शेळां पेज पिलों, आनी खोपीची कवडी काडून आंगणातल्यान वाघतळयावटेन चलूंक लागलों.

आयज वाटेर म्हाकां कांयच दिसलेंना. कसलीच भिरांतूय दिसलीना. झपाटून चलतल्यः मनशाभशेन हांव बेगीन–बेगीन पाटाच्या काटावयल्यान चलतालों. मदींच कालची याद जाताली. आनी खिणां–खिणां माला मावशेच्या त्या उदारे न्हिदेची तरा दोळयामुकार रावताली.

केन्नां वाघतळयार पावलों तेंच समजलेंना. मनीस एकामेकांक दिससारखें उजवाडलें आनी खंयची माडी आनी खंयचो कावतो वा खंयची वोवळ आनी खरट तें नितळ वळखूंक येवपासारखो उजवाड जाल्ल्यान तळयेच्या खाणीर वचून परत सकल देऊन तळयेचो गुडडो काडूंक म्हाका कसलीच आडकळ जाली ना. तळयेच्या गुडुचाक हात घालपाक खंयतरी अयस–पयस कोणाची तरी कांकणां खिळखिळलीं. हांवें आवाज आयिल्ले ते वटेन पळेलें पुणून कोणूच दिश्टी पडलो ना. देसायाली चली बी काय कितें ? आनी सट्ट करून कणक्या माडाभशेन हांव उबो जालों. हांवें परत चोयिवशीं नदर माल्ली, पुणून कोणूच दिसलोना.

'कोण थंय ? – हांवें व्हडल्यान अदमासान विचाल्लें. कोणाचीच जाप आयलीना. मागीर कांकणां खंयच्यान आनी कोणाची खिळखिळलीं काय तीं ? हं ... म्हाका भास जाला जावंक जाय ! अशें येवजून हांवे परत गुडुचाक हात घालो, आनी परत कांकणाचो तोच आवाज आयलो. आता मात हांव मातसो जड जालों. पायांतली तांक गळून पडिल्ल्यावरी जाली आनी हांव नेट करून फोर्सान उबो रावलों ; चारी वटेन पळेलें, कोणूच

नजरेक पडलोना. हांव आबूज जालों. आनी खऱ्यानीच आतां मात मात्सो भिलों, हांवें खाणींवयल्या बोंवळीचेर पळेलें.

‘ये ... बाबू ?’

‘कोण ... तूं ?’ देसायाल्या चलयेक बोंवळीचेर पळोवन हांव सपनांत आसा काय जागो आसा तेंच समजलेंना.

‘बोंवळ हालयतां, बोवळां झट्टलीं, आयज म्हाका खूब बोवळां माळूंक जाय. वयल्यानूच तें सांगतालें. पुणून हांव पुतळो कसो घट्ट जावंन ताका एका रुकार चडलां तें पळेतालों.’

देसायाली चली आनी बोंवळीर चडट्टा, ही कल्पनाच म्हज्या तकलेंत येना जाली. तरूय लेगीत वयर पळयतकच म्हाका मानून घेवचें पडलें.

‘ये ... पडशी, अशें म्हणून हांव बोंवळी पोंदा आयलों.’

‘बाबू, हांव वयर चडलां, आनी तू म्हाका पळेता ? लज नाशिल्लो.’

‘हं ... कितें जालें ?’

‘वयर पळेता ? येदो व्हडलो मानांय तूं ?’

‘कित्याक ?’

‘हांवें चेड्डी घालूं ना !’

आनी तें वयर पळोव नाका हें कित्याक सांगतालें तें ताणेंच लज–भीड सोडून सांगलें. खरें, म्हळचार त्या अर्ध्या काळखांत, अर्ध्या उजवाडांत कांयच दिसनासलें. काळोख आसा हें ताका खबर आसूनय ताणें म्हाका मुद्दाम सांगलें.

मानांयानी अशें केन्नां-केन्नांय वयर पळोवंक जायना, त्या जायत्या खिणांपैकीं हो एक खीण. जेन्नां एक चली झाडार चडल्यार वयर पळोवंक जायना. हांवें केंसांक गांठ मारली. ताणें बोंवळ हालयली आनी बोंवळां झडयलीं. म्हज्या माथ्यार लेगीत जायतीं बोंवळां पडलीं, आनी केंसानी आडकून उल्लीं. बोंवळांच्या वासान बोंवळी पोंदा घमघम सुटलो.

‘म्हाका बोंवळां पुंजावन दिवशींत ?’

‘म्हाका शिपणें करूं नाका ?’

‘पिसो, अशें म्हणून तें खो–खो करून हांसलें.’

‘हांसता कित्याक ?’

‘तुज्या कर्माक.’

‘कसलें कर्म ?’

‘तुवें तळी सोडली ना, आनी शिपणें कशें करतोलो ?’

‘हय खऱ्यानीच हांव तुका बोंवळीर पळोवन बोवाळांत विसल्लों आतांच सोडयतां.’

'नाका, मागीर सोडय, पयलीं वोंवळां एकठांय कर. अशें म्हणून ताणें म्हज्या हाताक घट्ट धल्लो. फातर पुंजायशी, आनी वोवळानी भरशीयशीं.'

'म्हाका दोळें बरे आसा. कुड्डो जावना हांव.'

'बरो उलयता मरे तूं? बाबू तूं आतां ल्हान ना. खऱ्यानीच आतां तं मानांय, आतां तुवें मानायासारखोच उलोवंक जाय. दादलो मात्सो जाण्टो जाल्यार ताका मानांय म्हण्टात. बायलां जांटी जातकच तांका कितें म्हणप काय? मनांत दुबाब आयलो. पुणून ताका विचाल्ल्यार चडान चड तें वझरो कशें हांसतलें, म्हण ओगी रावलों.'

'पुंजायलीं?'

'घे.'

'म्हजी होटीं वोवळानी भल्ली. आतां आमी वोवळां गुंतूया.'

'हांगाच?'

'मागीर खंय तर?'

'तुजें घर ना काय कितें?'

'हांव वचना घरा. थंय गुंथूक खंय मेळटा?'

'व्हा ... मागीर गुत. पयलीं हांव शिंपूक वतां.'

'नाका रे; ये, बाबू?'

'हं ...'

'आयज शिंपणें बंद!'

'ना बाये, तुका कितें? आमच्यो माडयो मरतोल्यो. ह्या दिसांनी कसलें वत पडटा जाणां?'

'कांय ना, एक दिस शिंपल्यो ना जाल्यार कांयच मरना. हांव लेगीत आयज शिंपणें करचें ना.'

'शिंपणें करचें ना, मागीर इतल्या वेगीन कुळागारांत कित्याक आयलां तर?'

'काल तुका सांगू नाशिल्लें, हांव येतलें म्हण.'

'काल सांगिल्लें तें तुवें तूं शिंपण्याक येतलें म्हण.'

'हय, पुण आयज शिंपन दिसना.

'बाबा उलोवचोना?'

'ना, बाबाक शिंपलां कांय ना तें कांयच कळचें ना.'

'मागीर आतां तूं इतलो वेळ कितें करतलें?'

'ये, एक हिकमत!'

'कसली?'

'आमी दोघांय हे त्या तळपार बसूया?'

'कितें करपाक?'

'बेठींच रे. खबरो मारपाक.'

'शी– बाये. येदचा सकाळीं खोबरो मारपाक थंय त्या तळपार बसप ? ना गो बाये. आवय बी वयर आयल्यार ?'

'कांय भिवपाचें ना. आवय आयल्यार हांव तुका लिपयतां.'

'तूं खंय लिपयतलें ?'

'खंय म्हणजें ? अशें म्हज्या फाटल्यान, म्हज्या आडोसाक.'

'ना ... बाये म्हाका शिंपूक वचूं जाय.'

'बाबू !'

'हं ...'

'आतां मानांय जाला न्हय रे, मागीर असो लजता कित्याक ?'

'मागीर मानांय जालां म्हण तूं सांगता तें करप ?'

'तुका अशें दिसना ?'

'कशें ?'

'म्हज्या म्हऱ्यांत बसचें, म्हाका घट्ट धरचें.'

'आं ... हं ... ना ...'

'गोंधळटा कित्याक ! हांव जाणां चलो मनीस वयांत येतकच ताका कसली गरज आसता ती.'

'कसली गरज आसतां ?'

'चल थंय, त्या तळपार बसूया, थंय सांगतां तुका सगलें.'

'तें तळप देवचाराचें न्हय ? थंय खंय लाव–लुतां–भुतां बी येवन बसतात'

'येदो व्हडलो मानांय तूं, भूतांक भिता ?'

'हाव भिना पुणून ताणींच म्हाका कितेंय केलें जाल्यार ?'

'कांय ना, बऱ्या भुरग्यांक तो कांयच करीनात. चल.'

'पुणून थंय बसून कितें करप ?'

'तेंच तर दाखयता न्हय.'

आनी नकळटां म्हाका माला मावशेचो उगडास जालो. माला मावशेक पांडू कसो आवळून–पिवळून घट्ट धरतालो ती याद जाली. रातीं पळयल्ली माला मावशेची उक्ती कूड दोळ्यांमुकार आयलो, आनी देसायाल्या चलयेच्या आंगलटार पयलेच खेप एके वेगळेच नदरेन–नदर पडली. हांवे ताचें वाटकुळें गोरेंपिट्ट मुखामळ तेयळें. तांबडेंच खांवचीपान खाल्लें कशे ओंठ आनी माथ्यार सोडिल्लें काळे केंस म्हाका रेसमाचें काळे दोर कशें दिसूंक लागले, म्हजी नदर ताज्या छातयेर पडली, आनी कोणाची तरी धन–दौलतीचेर नदर पडची आनी ती धन–दौलत आपल्याक मेळची हे आशेन पळेताल्याभशेन हांवें ताच्या तट्टीत थानांक पळोवन घेतलें, आनी

म्हज्या आंगांत परत एकदां ठयीत वादळान माडा उंचायेची वसाड येता तशी व्हडली शिरशिरी आंगातल्या लव्हेकणांतल्यान येवपाक लागली. आंगाची लव्ह ताठरली आनी आंगात हुनसाण आयली. हुनसाण खंयच्यान आयली तीव कळ्ळीना. पुणून कानसुलां तापलीं, हांवें ताका पळेलें. तें आपली साय कमराक खोयतालें, आनी पोंदचे नदरेन म्हाका पळेतालें. घडये म्हज्या मनांतलें चितप आनी म्हजी जाल्ली अवस्था ताका कळल्या जावंक जाय, देखूनच तें अशें चोर नदरेन म्हाका पळेतालें.

'बाबू ... कितें येवजीतां ! '

'हं ... खंय, कांय ना. '

'मागीर म्हाका असो कित्याक पळेता ? '

'पळोवचें न्हय ? '

'पळय, पुणून थंय या आमी तळपार. '

'तळपारूच शें कित्याक ? आमी हे त्या चाफ्या मूळांत बसुया. '

'खऱ्यानीच ? '

'हय. '

'बाबू ? '

'हं ... कितें ! '

'तुज्या आंगात कसली चमक भल्ल्या ? '

'हांव नकळो. '

'तशेंच जाता तें पयलें–पयलें. हांव जेन्नां वयांत आयिल्लें, तेन्नां म्हाका कितें जातालें जाणां ? बाबू तूं जाणां बायलां वयांत येवप म्हळचार व्हड्लो सुवाळो. तशें दादल्याचें ना. खरें म्हळचार दादलो जल्मताच सगळें शिकून येता. आवयचें दूध पियेवपाक कितली मजा आसता न्ही ? तें कितें उलयतालें तेंच म्हाका समजना जालें. म्हजीं रद्रांरद्रां भेरेलीं. आनी म्हाका म्हजी थंयच शिळा जाता काय कितें असो भास जालो. हांवें बेगी–बेगीन जागो बदलल्लो हांवें हालून पळेलें, हय, म्हजीं पावलां उकलतालीं. '

'बाबू, तूं घामाघूम जालो, येदचा सकाळीं तुका घाम सो ? '

'ना, खबर ना. पुणून ये तुजें नांव कितें ? तुका हांव कितें म्हण उलो मारूं ? '

'उलो मारपाक नांव कित्याक जाय ? आगो, मगो म्हळचार जालेनारे. '

'पुण नांव सांगपाक कितें जालां ? '

'म्हाका देसायाली चली म्हण्टात. नांवान कोणूच उलो मारीनात. '

'मागीर हांवूय तुका देसायाली चली म्हणूं ? '

'जाय तें म्हण, चल तर आमी थंय वचून बसूयां. '

‘ खंय चापया मुळांत ? ’

‘ ना. तळपार, चल यो. आनी ताणें म्हज़ो हात घट्ट धल्लो, आनी म्हाका ओडूंक लागलें.’

यो रे ... यो रे ... बाबू ... यो.

केन्नां आमी तळपार पावलीं तेंच म्हाका समजलेंना. कोणें तरी न्हिदेंतच अचल्य उकलून नकळटां व्हरचो, तशें म्हाका तळपार पावतकच दिसलें.

काळें–किट्ट तळप, आनी तळपा फाटल्यान व्हडलो वड. वडाची जमनीत रोमिल्ली पांळा–मूळां लंबकळतल्या हारावरी दिसतालीं. ह्या तळपार बापूय सदांच आयतार-बुधवाराक वोडी दवरून उदक सोडटाना हांवें जायते खेपो पळयिल्लें. केन्नांय देसाय घुडी लावन, नाल्ल फोडटालो. आवय लेगीत म्हाराकडच्यान पाळणें करून त्या पाळण्यात पिंजर–हळद घालून दवरताली आनी तोंडान पुटपुट्टाली. जाग्याच्या देवचारा आमच्या ठिकाणाचो राखण कर.

‘ बाबू, तूं असो कितें ? पळयिल्ले खेपो कितें तरी येवजीत आसता, कसली तंद्री लागता रे तुका ? ’

‘ ना, खंय, कितें ? ’

‘ मागीर असो वगीच कित्याक ? ’

‘ कितें करूं ? ’

‘ खबर ना ? ’

‘ कितें तें ? ’

‘ तूं दादलो मरे ? ’

‘ हय ! ’

‘ मागीर जेन्नां एक परकी बायल मनीस तुका अशी असवडीं घेवंन बसता, तेन्नां तुवें कितें करप तें तुका समजना ? ’

‘ हांवे भुरगो आसां, हांव दादलो खंय जालां ? ’

‘ मानांय जावप म्हळ्यार दादलो जावप, तिकतोच दादल्यापणांत पूर्ण रुपांत येता.’

‘ कशें कळप ? ’

‘ शी बाबा, आतां तुका कशें सांगप, कशें दाखवप ? ’

‘ ना गो, खऱ्यानीच म्हाका कांयच समजना ? ’

‘ ये बाबू, तूं तुज्या घरांत कोणाच्या म्हऱ्यान न्हिदता ? ’

‘ हं ... हय कालच्या रातीं म्हज्या म्हऱ्यान माला मावशी न्हिदील्ली ’ ना जाल्यार हरशीं हांव एकटोच न्हिदतां.

‘ आनी बापूय खंय न्हिदतां ? ’

'तो भितल्ल्या कडव्यांत न्हिदता.'

'एकटोच ?'

'ना. आवय लेगीत थंयच खंय तरी न्हिदता.'

'बापाय म्हऱ्यांत ?'

'म्हाका खबर ना.'

'खऱ्यार्नच ?'

'देवाच्यान तर.'

'तुवें केन्नांच पळोवंक ना ?'

'ना तुज्यान तर.'

'हं ... हांव सांगू तीं खंय न्हिदतात तीं.'

'तुका कशें कळ्ळें ?'

'हांव जाणां, हांव आतां लग्नाचें जालें न्हय रे ? म्हाका घोव-बायलांनी खंय न्हिदप तें खबर ना जाल्यार कोणाक खबर आसप, जाल्या भुरग्याक ?'

'खंय न्हिदप ?'

'घोव-बायलांनी अशीं घट्ट एकमेकांच्या वेंगेंत न्हिदप. अशें म्हणून ताणें म्हाका आपल्या वेंगेत घेतलो, आनी म्हज्या ओंठाचेर आपले ओंठ घट्ट धरून चिड्डीले. ताज्या हया करणेन हांव घुसमटलों. ताणें आपलो हात म्हज्या आंगार भोवणावंक सुरवात केली. आनी ल्हवू-ल्हवू हात सकल हाडून म्हजो न्हय तो जागो घट्ट मुठींत धरून दामलो.'

'आवयस !'

'कितें जालें ?'

'दुखलें ? तूं कितें करता ? सोड म्हाका.'

'ना ... बाबू ... बाबू पळय, हांव पिसावलां बाबू तूं मेळत पासून हांव पिसावलां. बाबू म्हाका घट्ट धर.'

'तू कितलें मोठें आसा ? तुका कशी वेंग पावतली म्हजी ?'

'घट्ट धर तू. पावता तशी मार. घे ... अशे तुजे हे हात गळ्या भोंवतणी घाल आनी म्हाका ओडून घे.'

आनी परत एकदां मनांत नासतनां खंयच्या तरी पोरसांत सांजवेळ जातकच आपोआप शबदुलीं फुलचीं नशीं म्हज्या आंगांत वासनांची फुला फुल्लीं. नव्या पोरसांत फुलां फुलतकच पयलेंच खेप त्या पोरसाची सोबा आगळीच आसता. म्हज्या आंगांतल्या हया वासनांच्या फुलांची सोबा पळोवपाक म्हज्या आनी ताज्या शिवाय थंय कोणूच नाशिल्लो कुळागारां-तल्या माड-माडयांक आनी कावत्या पोरांक जर दोळे आसत, जाल्यार ताणी म्हज्या आंगात फुलील्ल्या पोरसाची सोबा नक्कीच तेयळचा आसूंक जाय.

आंगार पिताम आगिल्ल्यावरी तांबसाण निशेल्या. म्हज्या गालांत चमकी भल्ली. आनी पावलांच्या पोवठांनी ताठरपणां आयलीं. जांगो वयर-सकल जावंक लागल्यो, स्वास वादळी वाऱ्याभशेन नाकांतल्यान येवंक लागलो. हड्डुचाचे वयर-सकल जावप, आनी नाजूकसो घुस्मटमार जावप, हे अणभव नवेच आशिल्ल्यान त्या नव्या अणभवाचें सूख आगळेंच आसलें. दोगांच्याय आगांत वासनांचें होमकण पेटिल्लें. आनी त्या होमकणांत सुक्या लाकडावरी हांव जळटालों, म्हज़ो, गोबोर जातालो. पुणून अश्या एकटो अेकटेपणांत कोणांक लागून तरी गोबोर जावप लेगीत आवडप, हाचे सारखी आनी दुसरी आवडूच ना असो समज जावप हे लेगीत एक खूप म्हत्वाचें अजापूच म्हणूंक जाय. अशा तन्न्या मनांत अशीं चितपां येतात, तीं पळोवन त्या खिणां हांवूच अजापांत बुडलो, तरुय थंय चितपांत गुल्ल जावपाक आसर नासलो. ताजी हालचाल चडूच जाली. म्हज्या आंगाक पडिल्ल्या ताज्या कुडीच्या विळख्यान म्हजी बारा-तेरा वर्सांची कूड चिड्डून वचपाची भिरांत म्हाका दिसली. पुणून पावसाळचांत केन्नां-केन्नांय येवपी वादळांवरी ही चितपां येतालीं, आनी रोकडींच वतालीं. खरें म्हळचार वासनांच्या सतत पावसांत हांव चिप्प जाल्लों, आनी आता तर म्हजो बुद्दचो खीण आयल्लो. ताणें म्हज्या खाको काल्सांवाचे बुतांव आपल्या हातानी काडले आनी आपुण त्या काळचा तळपाचेर उदारें न्हिदलें. आनी म्हज्या बारा-तेरा वर्सांच्या पिरायेंत केन्नांच पळोवंक नाशिल्ली, ताची करणी पयलेच खेप पळोवपांत हांव म्हाकाच विसल्लो. ताणें आपल्या वस्त्रांची बांदली खिणांत सोडयली. यो, अशें म्हणून ताणें आपल्या गोऱ्या आंगाचेर ओडून घेतलो. आनी घट्ट आवळून फुडली करणी कशी करप हें आपणेंच दाखयलें. एका सर्कशींतल्या मोनेजातीकडच्यान काम करून घेतात तशें तें आपणाक जाय तशें म्हजेंकडच्यान करून घेतालें.

हें अशें करप, तें तशें करप अशें सांगता-सांगता पयलेच खेप म्हज्या आंगांत केन्नांच येवंक नाशिल्ली. ती हुनहुनीत शक्त भारावरी अवसरली. आनी दर्यादेगेर व्हडली वसाड येवन नेटान फुट्टा आनी तिजो फेस जावंन खंयच्या खंय नाच जाता. देठांतल्यान वोंवळां निकळून अचलय भुंयचेर पट्टात, तसो हांव वासनांच्या देठांतल्यान गळून पडलो.

मोन्यानी तें उठलें. आनी तळपावयल्यान देवून ल्हवूच मोन्यानी चलूंक लागलें.

त्या तळपार बसून हांव ताका वयल्या रानांवाटेन चलतना पळेलें तितलेंच. तें खंय वता हे चितप लेगीत म्हज्या मनांन आयलेना. पांडून माला मावशेक जे करुं नाशिल्लें ताच्या फुडलें हांवें केल्लें.

□ □ □

'वेडयाचें चित्त थाऱ्यार ना, वाघतळयार वसतपासून माल्लूक जाल्याभशेन वागता.' घाटावयल्यान येनाफुडें आवयन बापायक म्हज्यांत जाल्या बदलाची खबर कानार घालीनाफुडें हांव शिटकावलों. एकूण हालीं-हालीं हांव चोरून–मारून फुगासांवानीं वागतालों, तें आवयच्या नदरेंतल्यान सुटलेना हाची जाणीव आवयचीं उतरां आयकून जायनाफुडें हड्डयांत आनी एक खंत जमा जाली. बापायन तोंडाकडें व्हेल्ली उणी ओंठाक तेकयच्या-आदींच आवयच्या उतरांनी ताज्या मस्तकांत पावलां दवरिल्लीं. ताणें उणी सकल ताटांत दवल्ली ; 'आनी कितें ... कितें म्हण्टा तूं ? म्हजो अपूरबायेचो पूत माल्लूक–अशा अजापाच्या अर्थान मोने नदरेन बापायन आवयक मोठ्ठे दोळे करून पळेली.' हय. विचाल्ल्यार कांयच सांगना. आनी तळयार वचूं नाका म्हण सांगल्यार फांत्यापार जावच्यापयलींच तळयार धांवता. केन्नां–केन्नां रातचो न्हिदना लेगीत

'मागीर ही गजाल तुवें म्हाका कळयली ना ? '

'तुका थंय कामाक गेल्लेकडेन नाका आसलो हुसको नाका म्हण, इतले दिस वगी रावलीं.'

'हं ... वगीच रावली ... पूताफुडें म्हाजी कामां व्हडलीं काय कितें म्हाका ? बापायच्या हया उतरांनी म्हजें हड्डें भरून आयलें आनी म्हज्या बापायची म्हजीवयली माया सिम–मेर नाशिल्ली आसा, तिका आवाटच ना अशें दिसलें.'

‘हय, चूक जाली म्हाजी. आवयन आपली दुबळ्यापणा सदांभशेन दाखयलीं. आनी मान सकल घाली.’

‘चेड्याक फांत्यापारार एकटोच धाडपाची गरज नासली.’

‘आपूणच वयता म्हणोंक लागलो.’

‘तो जायतो म्हण्टलो, वयता म्हण ; तेका जाय–जाय तें करपाक दिवप कांय ना, तें तुवें थारावपाचें न्हु ?’

‘हय, खरें. पुणून ताजी उमेद कित्याक म्होड म्हण वगीच रावली.’

‘आतां उलोवन फायदो ना, पुणून शाळेंत तरी सारखो वयतालो कांय ना ?’

‘कांयच समजना, केन्नां–केन्नांय मदींच येता, तर केन्नां–केन्नां वचकच ना.’

‘कितले दिस शाळेत वोचोंना तो ?’

‘काल, पयर तर वचूंकच ना.’

‘येर लो आतां ?’

‘येयलो जातलो.’

‘पळय, तूं म्हणोन सामकेंच हडेजय, मात तरी आपल्या भुरग्याची कुयद.द कशी घेवची तें कळना जाल्यार आवय कित्याक मड्याक जाल्ली ?’ पयलेच खेप म्हजो बाबूय म्हजें कितें तरी वायट घडटा हे कल्पनेन आवयचेर तापलो. बापायचो अवतार पळोवन आवय थरथरपाक लागली. हांवें आवयक पळेली. भयान आवयची दांतकडीच बशिल्ली.’

आवय भायर येवपाक आयली. हांवें कडव्याच्या धाळेतल्यान आवयक पळेली, आनी बापूय अर्ध्या ताटावयल्यान उठलो तेंवूय पळेलें. आनी कसल्या-तरी भयान हांव थंड जालों. म्हजी पात्रलांच जाग्यावयलीं उकलनांत जालीं. इतल्यान आवय म्हज्या म्हऱ्यान पावली.

‘बाबू ?’

‘आवय ... कोण दादा आयला गे ?’

‘हय.’

‘म्हाका कितें हाडलां ?’

‘सामान सोडून पळय. पयलो हातपांय धुवन जेवपाक यो.’ आवयन म्हज्या खांद्यावयली बोटवो घेतलो, आनी कडव्याच्या कामटाक खोयलो. उश्टो हात झेलयत बापूय भायर येतालो. आतां बापायचे वेंगेत वचपा इतलो हांव ल्हान ना, हाची म्हाका जाणीव जाली. धाटावयल्यान खूब तेपान बापूय आयला म्हटंकूच म्हजी खोशी कशी तरी परगटांवक जायच आसली. म्हज्या वागण्यांत कृत्रीमता हाडूंकूच जाय, ना जाल्यार बापायक देफेत कळटोलो हे भिरातीन हांवें बापायचो उश्टो हात घट्ट धल्लो, आनी विचाल्लें.

'दादा, दादा म्हाका कितें हाडलां, घाटावयलीं पुस्तकां, लारांजां ? बापायक म्हजी ही तरा मानवली जावंक जाय. आवयन सांगनाफुडें ताजी मनाची जाल्ली दशा मात्शी ल्हव जाली. बापूय मिशांनी ममूरको हांसलो, आनी दाव्या हातान म्हाका थापटीलो.'

'राव आं. आचवून येतां, चल जेवन तूं घे. मागीर तुका कितें ... कितें हाडलां तें दितां. अशें म्हण बापायन म्हाका सोडलो, आनी तो आंगणांत आचवूपाक गेलो.'

म्हज्या हाताक धरून आवयन म्हाका पानार बसयलो, आनी आपूण कुशीकच ताटामुखार बसली.

जेवंन जातकच हांव बापाय म्हऱ्यांत गेलो. घाटावल्यान हाडील्ल्यो सगळ्यो वस्तू बापायन विस्काटावन दवरिल्ल्यो. बापायची ती अडेची हाल-चाल पळयत जाल्यार बापायच्या मनांत वेगळेंच तेंय बी म्हज्याविषयी घोळटा हें वळखूपाक म्हाका कळाव लागलोना. आवयन म्हज्या संबंधान काडिल्लो दुबाव फट दिसपासारखों वागणें बापागक दाखवचेले नदरेन हांवें मन मारुन बापायक हांसत विचाल्लें.

'दादा म्हाका कितें हाडलां ?'

'हें हाडलां तें सगळें तुकाच. आरे, तुज्याच खातीर हांव घाटार वयता न्हु रे ?'

'दादा ही कापडां हांव न्हेसतलों ?'

'ती तुज्या आवयक. आवयक म्हण कितें हाडू नाका ?'

'मागीर सगळेंच म्हज्याखातीर कितें म्हण्टा तर ?'

चडशें तुज्याच खातीर !'

'अशें म्हण, सगळें म्हणू नाका.'

'चुकलों पूता. तुज्या मुकार उलोवपाची माणसुकी ना.'

'दादा ?'

'हं ...'

'दादा घाटार लुगटां खूप सवाय न्हय ?'

'तुका कोण सांग ?'

'मास्तर.'

'मास्तराक कशें कळ्ळें ?'

'व्हा, आमचो मास्तर घाटावलो, तुका खबर ना ?'

'तुवें केन्ना सांगलां म्हाका ?'

'मागीर हांव खंय शिकतां ? कितें शिकतां, कोणाकडेन शिकतां हाची चवकशी म्हजो बापूय ह्या नात्यान तुवें करपाची न्हय ? समज म्हज्या मास्तरान म्हाका चोरी करपाचें शिकप दिल्यार ?'

'बाबू ... बाबू ... खऱ्यानीच रे, देवान तुका खूब मत दिल्या. तूं एका आदवाकादाभशेन उलयता. खरेंच बाबू, तू म्हजें नांव वयर काट्टलो. आनी बापायन हातांतले काम कुशीक दवरून म्हाका वेंगेत घेतलो. बापायची अशी वेंग म्हाका क्वचीत फाव जाताली. भावनावश जातकच, कासावीस कसो बापूय म्हाका वेंगयता. आयजूय तो असोच विवश जालो, आनी म्हाका वेंगयलो. आनी म्हाका दिसलें की, आवयन सांगिल्लें ताका फट दिसलें म्हण. पुणून म्हाका असो आपल्यामुकार दवरून म्हज्या दोनूय भुजांक घट्ट धरून बापायन म्हळें, बाबू, तुवें मरे आतां फकत शाळेंत वचप आं. तळचार बी वचपाचें बंद, तळचार आवय वयतलीं. तू भुरगो आसा, तुवें पयले खूब शिकप ! आं. समजलें ? '

'दादा ... तळवार गेल्यार कितें जाता ? '

'नाका रे. बरें न्हय.'

'कित्याक ? '

'थंय मसंड आसा, आनी नाका आशिल्लो नकलामी जातात.'

'कसल्यो नकलामी ? '

'भूतां–लाव–लुतां भेसडायतात.'

'म्हाका केन्नांच भेसडांवक ना.'

'सांगू येता, केन्नांय भेसडायल्यार ? '

'हांव भिवचो ना.'

'पुणून तुका थंय वचपाची गरज ना. तुजें काम न्हु तें.'

'मागीर इतले दिस गेलो ना.'

'थोडे दिस धाडलो तुका. शाळा नासली म्हण. आतां तुजी शाळा सुरू जाली न्हु ? '

'दादा म्हाका शिपणे करपाक खूब मानवता.'

'कसली आवड रे तुजी. खेळपा–नाचपाची पिराय तुजी. आनी हातांत कल्लें घेवपाचें चित्ता ? '

'ना, दादा. हांव कुळागारांत वतलोंच ! '

'तूं म्हजें आयकुचोना ? '

'हं ... ? '

'तूं म्हजें आयकचोना ? बापायचो आवाज दर्याक जरगतीक चट्टचा पाणयावरी चडूंक लागलो. आनी तितली, म्हजी काळजा पायापोंदची धाडशी रेंव घसरूपाक लागली. तरूय धाडसान नेटान बापायक सांगतोलो म्हण, काळीज घट्ट केलें. आनी म्हळें ...'

'दादा, तुका म्हजें मन मारून म्हाका म्हज्या इच्छे विरयत आलमपेडचार करपाचो आसो ? '

‘ कितें म्हण्टां तूं ? ’

‘ म्हजें मन मारून म्हज्या नाकांत दोरी घालून खेळपी बाबलो करपाचो आसा ? ’

‘ आरे, पुण हांव तुज्या बऱ्याक सांगता. ’

‘ हातून कसलें बरेंपण आयलें ? तुज्या एकसुऱ्या एका पुताच्या मनाविरुद्ध, इच्छेविरुद्ध वचप हाका बरेंपण म्हण्टात ? ’

‘ बाबू ... तुजी जीब चड लांब जाली, तूं आज्या–पणज्यान उलोवंक नाशिल्ला, आनी आयकूंक नाशिल्ली असलीं उतरां उलोवंक लागलो. भुरगो–भुरगो म्हण चड अपुरबायो जाल्यो तुज्यो तुका जाय तें करून तुजी वाट लागता, तूं इबाट्टा तें आमी आवय–बापायन मोन्यानीं पळोवचें आनी वगी रावचें ? ’

‘ हांव इबाडलां, कसो आनी केन्नां ? ’

‘ इबाडूना. पुणून, तुवें नाका आशिल्लीं कामां करप म्हाका मानवना. आमी दोळे आसून कुड्डे. कांयच शिकलेना, आमच्या आवय-बापायक तशी केन्नां बुद्ध लेगीत दिलींना. देवादयेन आयज म्हजे हात–पांय हालतात, घर-भरून दार वत्ता. तुका कांयच फाल्त ना. देवान तुका तकली दिल्या ती म्हज्या पांच पिळग्यांक पुरो, अशें हांव समजतां. देखून तुवें तिचो वापर करून हया कुळाचें नांव वयर काडचें म्हण म्हजी ही धडपड.

‘ पुणून कुळागारांत गेल्यार हें इच्छेक खंय बादा येता ? ’

‘ बादा येयना. पुण शिकतल्या भुरग्यान फकत शिकपातच मत घालूंक जाय. तुका कुळागार कोण शिंपतोलो हो हुस्को नाका. तुवें फकत आपूण कितलो शिकतोलो हेचोच हुस्को करप. ’

बापायक अडाणी समजतालो, पुणून बापायकूय बी तत्वगिन्याना उलोवंक येतात, ती पळोवन म्हज्यातलो उसणो फोर्स इल्लो कमी जावपाक लागलो. मनात देसायाली चली घरू करून बशिल्ली. कितें कोण जाणां, ताजी याद येना-बराबर सगळें आंग शिरान–शिरो एकटावून ताणशेताल्यो. कानसुलानी हुनसाण येताली. आनी सगळे कुडींत कसलो तरी वारो घुसून कुड एका तायट फुगिल्ल्या बोमाडयावरी फुगून फुटूंक पावता काय कितें ? असो भास जातालो. पुणून हो कुडीची अवस्था बापायक कशी सांगची ? देसायाली चली म्हज्या दोळयांमुकार येताली. आनी म्हाका नेट दिताली. ती सांगताली कितेंय कर, कशेंय कर, बापूय सांगता तें आयकू नाका. फांत्यापारार कशेंय भशेन म्हाका मेळूंक यो.

बाबू ... म्हाका मेळूंक यो.

‘ बाबू, कितें येवजीता रे ? ’

'हय ... खंय ... कितें ? '

'हय, म्हणजे एकूण तुजे आवयन कानार घातलेली गजाल खरी तर.'

'कसली ? निमाणेकडेन म्हजें तें वागप इतलें सांबाळूनय बापायमुकार उक्तें जालें. तरुय देसायाल्या चलयेची याद जायनाफुडें म्हजी जी दशा जाता ती प्रत्यक्षांत बापायन पळेली. नकळटां पळयेली. आनी निमाणे म्हजीच हार जाली. म्हज्यांतली विकृती अशी फुटली.'

'बाबू ... बाबू ... तुका जालां कितें ? तूं असो कितें करता ? '

'खंय ... ना ... '

'बाबू, म्हज्या पूता.'

'दादा ... दादा ... आनी उपाट भरिल्ल्या तळ्याची मातयेची खाण उदकाच्या नेटान मोडून, एकदम व्हाळाक पूर येवन सगळें कुळागार उदकान भरचें तशें म्हज्या हड्डयांतलें पिशें हड्डें फोडून भायर आयलें, आनी तें घरभर पसवलें. म्हज्या पिशान म्हजी कुळागारांतली खोप उपाट भल्ली. तातून म्हजो बापूय आवय लेगीत बुडूंक लागलीं. आमचो आवाज आयकून रांदचेकुडींतल्यान आवय बेगीन-बेगीन धांवत आयली.'

'हांवें बापायक वेंग मारल्ली, आनी मुसमुसून रडटालो.'

'कितें जालें म्हज्या पूता, सांग कितें जालां. तुका कोणें भेसडायलो ? '

'ना ... ना ... दादा, खऱ्यानीच ना.'

'मागीर तूं असो कितें करता ? कोणाक पळोवन हांसता ? कोणाक पळोवन उलयता ? कोण तुज्या दोळ्यांमुकार येता ? सांग म्हाका.'

'खऱ्यानीच कोण ना, दादा. खऱ्यानीच ...'

'मागीर तू असो आंग-पांग फुलोवन कितें येवज्रीता ? '

'अशेंच करता. आयज कितलें दिस जाले. आवयन दोळे पुशीत सांगलें. म्हाका दोघांचीय काकूट दिसली हांवें फोर्सान सगळयो वासना दाबून सारखो वागपाचो यत्न केलो. आनी हांवें दोळे पुसले, आनी नेटान बापायक सांगलें.'

'दादा, हांव शिपण्याक वच्चो ना. म्हाका नाका तें. हांव फकत ... आनी अशें म्हणपाक परत देसायाली चली म्हज्यामुकार दिसूक लागली ती म्हाका म्हण्टांली आरे पिशा ... तू कितें उलयता ? म्हाका विसल्लो ? म्हज्या परस तुका तुजी शाळा व्हडली ? '

ना ... ना ... ना ... तू जाय. आनी म्हजें बोबेन परत बापायन म्हाका घट्ट धल्लो, आनी ताणें चोयींवशीं नदर मारून हांव कोणाकडें उलयतालों तें पळेलें.

'बाबू, कोण येयला रे हांगा ? '

‘ खंय ... कोण ना.’

‘ मागीर तूं कोणाकडें उलयतालो ? ’

‘ केन्नां ? ’

‘ आत्तांच. ’

‘ खंय ... कितें ... कांयच ... ना ... वगीच. ’

‘ हें पळय, रवळनाथाक प्रसाद घेतल्यार बरो, आवयन म्हळें. आनी बापायन तकली हालयली. आनी म्हळें ... हय, कितें तरी उपाय करूंक जाय. घाडी खुदयल्यार कसो ? ’

‘ पावशा घाडयाक हाडचो. ’

‘ पावशा घाडया परस, तो पलतडचो खेमू घाडी बोरो न्हु ? ’

‘ तेका देवळांत खुदोवचो पट्टोलो. ’

गळो फोडून आड्डून सांगन दिसलें. म्हाका कांयच जावं ना. हांव सामकों भेस बरों आसा पुणून देसायाल्या चलयेच्या उगडासाचे पडसाद म्हज्यातल्यांन भायर फुट्टाले, आनी ताजो परिणाम आवयचो आनी बापायचो गैरसमज जालो. तांका नक्कीच दिसलें की म्हाका कोणें तरी खऱ्यानीच झपाटला जांव जाय. होंव झपाटलां ही खरी गजाल, पुणून खंयचेच आलवां-तीणीन, लाव–लुतान वा काऱ्या वयल्या भुतान म्हाका केन्नांच भेसणांवक ना, हाची म्हाका खात्री आसली. पुणून एका आंकवार तन्ने करकरीत चलयेच्या मोगान हांव पिसावलां. ते चऱयेबगर हांव रावूंक शकना. ही वास्तवता भितल्ल्या भितर म्हाकाच समजावन घेवची पडली. उकत्या काळजान म्हजी व्यथा जर हांवें आवय–बापायच्यामुकार काडिल्ली जाल्यार म्हजी पिराय आनी म्हज्री मोगाची भाशा आयकून घडये म्हजी गालफोडा तांबडीं जातलीं आसलीं. घडये म्हाका कुळागारांत वचपाचेंच बंद करतलीं आसलीं. एकूण खंयचेच वटेन मार्ग मोकळो ना जाल्यान म्हजो मरणकाळ जालो. मुकाटयानीं सगळें धाडपण, देवपण सोसपाखातीर मनाची तयारी करुंक हांव तयार रावलों.

आनी त्या दिसा मोन्यानी न्हिदपाचे तयारीन हांव हातुणार वचूंक लागलो.

‘ बाबू, आयज तुवें एकटो न्हिदूंक फावना. ’

‘ म्हाका भंय दिसना. ’ हांवें आवयक सांगलें.

‘ नाका म्हजें सरी न्हिद. ’

‘ खऱ्यानीच म्हाका भंय दिसना. ’

‘ नाका, तुजो दादा मागीर म्हाका तापयतलो. आतां येवपाचो जाला तो. ’

‘ ना गे, हांव न्हिदतां न्हय ? ’

‘ बाबू, असो हट्ट बरो न्हु. ’

'बरें, येतां न्हिदूंक, चल तू.'

सगळो दिस येवजण्यानी गेल्लो. दिसभर म्हजेर पाळत दवरून सगळीं आशिल्लीं, पुणून हांवें मातूय देफेत दाखयलो ना. आवयन तर म्हजेंवयली नदर अशी न्ही तशी केली ना. पूणून हय ना शें करून हांव रावलों. आनी आतां परत म्हजेर बंदन आयलें. आवय म्हऱ्यान न्हिदप म्हळचार, सबनरात ती दोळो लायनासताना म्हाका पळेतली, म्हाका राखतली, आनी फांत्यापारार सदांभशेन उठून कुळागारांत वचपाची आशा तर कमीच आसतली. फांत्यापारार म्हाका वचूक मेळचें ना हे कल्पनेनूच हांव कांचवेलों. थंय ना वचप?

आनी परत देसायाली चली रातराणी कशी दिव्याच्या उजवाडात म्हज्या दोळयांमुकार आयली. तोच घागरो तोच पालको तीच पिली, तीच फाती, तोच शिरंगार. आनी पळेयतां – पळेयतां हांव भान विसल्लों आनी नकळटा दिसभर सांबाळून दवरिल्लो ताबो घसल्लो. म्हाका देसायाले चलयेचें रूप याद जावंन हांव खळखळीत हांसलो.

'कितें जालें बाबू .. कितें जालें, कित्याक हांसलो.'

'आवयन परत म्हाक. घट्ट धल्लो. आनी आता तिची पुराय खात्री जाली की म्हजेर कोण तरी बसला. म्हाका कोण तरी लागला. पुणून हांगाय बी म्हजी पयल्या–पयल्या मोगाची गजाल आवयक धाडसान सांगूक शकलो ना.'

मोन्यानी आवयच्या हातुणार न्हिदलों तेन्नां आवयन म्हजी दीश्ट काडली. मिसांगो वोंवाळून उडयल्यो, आनी म्हाका न्हिदयलो. बऱ्याच वेळान बापूय घरांत आयलो.

'बाबूक न्हिद लागली?' बापायन पयली म्हजी चवकशी केली.

'हय, आतांच आड पडला.'

'फाल्या घाडयाक खवळनाथाच्या देवळांत आपयला.'

'एक कोंबो जाय पट्टलो.'

'पुरवार मारपाक मु?'

'हय, आनी कटंब गाळीच्या देवचाराकूय मान आंगवचो पडट्टोलो.'

'जांव. कितलेय मान आंगवचे पडल्यार पडूं, पुण चेडचाक गुण पडल्यार पुरो. अशें म्हण आवयन बापायक उकडचा तांदळाची पेज ताटांत न्हिवत घाली आनी भाजील्लें खारें तोंडांक दिलें.'

बापूय जेवंन आचवून आयलो, आनी बोल्सातली विडी पेटोवन ओडीत बसलो. विडयेच्या झुरक्या कणकणी तो म्हजोच विचार करता आसूक जाय, हें येवजीतां–येवजीतां म्हाका केन्नां दोळो लागलो तें समजलें ना.

फांत्यापारार कोंब्यान साद घालो. आनी सदांभशेन हांव जागो जालों. हांवें कुशींक पळेलें. आवय सुस्त–न्हिदील्ली. दुसऱ्या हातुणार बापूय सुस्त न्हिदिल्लो.

आनी कितें कोण जाणां, म्हज्या आंगात खंयची लिपील्ली शक्त भल्ली देव जाणां, पुणून हांव कणक्या माडावरी कच करून हातुणावयलो उबो जालों आनी बेगीन-बेगीन कवडी उघडुपाक आवयन 'बाबू' म्हणव्हडल्ल्यान किळाच माल्ली बाबू ... बाबू ... बापूय जागो जालो, आनी बापायन म्हाकाच एकाच चपक्यान घट्ट धल्लों. कितें घडटा तें कळच्या पयलींच बापायन म्हज्या कानसुलाचेर पोलोभर थापट माल्लें. बापायच्या त्या थापटान म्हज्या दोळ्यांमुकार काजुले चमकले. आनी हांव भिण्णीनून समतोच भुंय भरवण जालों.

कांय ना, सोड तेका, कांय जाय ना, आवय म्हाका उकलता तो पळोवन बापूय आवयचेर धेंगशेलो.

'शिपण्याची गोडी लागल्या तुका ? कांय गरज ना पाडपडल्यार पडों तें कुळागार, तुका लागना. फांत्यापारार उठून एकलोच धांवता ; म तुय भंय ना ?' बापायचो राग फांत्यापार विरून आयलो. आनी फांत्यापारावयली म्हजी सदांची धुंदी सुके मातयेंत उदक आट्टा तशी खिणांत आटली.'

'वयतलो आनी वयर असल्या रामपारा ?'

'ना ... खरेंच वच्चो ना. बापायन दुसरें थापट उकल्लां तें पळोवन हांवें हात जोडले. बापायन पयलेच खेप म्हजेर हात उबारिल्लो.'

म्हजेर मारिल्ल्या थापटाचे वण आवयच्या कानसुलार नक्कींच उदेल्ले जावंक जाय. देखूनच तिणें खिणांत म्हाका वेंगेत धरून म्हजो पोलो सासपिलो आनी बापायचो हात वयल्या वयर धरून झिडकावन माल्लो.

आवय-बापायचे इतले उपाट मायेन फुगारमार जाल्लो हांव एक चलयेच्या कुडीक पिसावल्लों हें यो तितलेंच सत, म्हज्यान न्हय सैमाच्यान, लेगीत नाकारूंक जावचें ना, पुणून केन्नां-केन्नांय काय सत्य इतलें बरें आसूनय कडूच आसता, तें मेकळेपणान कोणाक सांगपाची माणसूकीच नासता. चारीवटेनी मरणकाळ जाता आनी मागीर असो एकलो, एकसुरो झपाटलेलो म्हण केणोवन घेवचो पडट्टा. आयज हांव जर देसायाले चलयेचेर म्हजो जीव जडला म्हण बापायक जांव आवयक सांगिल्लें, जाल्यार कदाचित् हो असलो रामापार येवचो नासलो. कदाचित् फात्रो तो सोक्ष-मोक्ष जातलो आसलो, पुणून म्हाका तें धाडस ना. म्हज्यान तो शक्त ना. म्हजो दुब्ळेपणां म्हजें पिरायेक सोबतालीं, हातून इल्लोय दुरात्र ना. पुणून म्हजो एक चलयेवयलो मोग, म्हजें हे पिरायेक सोब नाशील्लो. हें यो तितलेंच खरें आशिल्ल्यान हांव असो दुर्दशेच्या फेन्यांत फारावल्लो. सगळें समजता, सगळें येवजता. वायट-बरें पारखूपाची तांक आसा, इतलेंय आसून ह्या सगळ्यांचेर देसायाली चली जैत व्हरता.

आवयन म्हाका परत व्हरून हातुणार न्हिदयलो ; आनी आपूण जागीच रावली. बापूय मात कसलो तरी पच्छताप करीत आपल्या हातांची बोटां कटाकट मोडटालो. तायटार, तायटां घश्टोतालों. आनी परतो-परतो म्हजेंवटेन पळेतालो.

बापायच्या काळजातलें कालवण म्हाका समजलें. म्हजेर थापट मारिल्याचो पच्छताप, बापूय जाग्यानीच दीस जाला तरीय मनयतालो.

'पोराक मारपाचो न्हु. बापायच्या मनातलें इतलो वेळ फोफेवपी वादळ दोन उतरांनी भायर पडलें. आवयक पळोवन ताणें आपली मनांतली व्यथा चटकन सांगली.'

'आयज शिपणें नाका. चेडवाक घेवन रवळनाथाच्या देवळांत वचपाची तयारी कर. आयज कशेंय भशेन सगळें देवसपण जावंकच जाय.'

बापूय उठून भायल्यान गेलो. आवय रांदनीतलो गोबोर भरूंक लागली. हांवें माथ्यावयल्यान चादर ओडून घेतली. सकाळ जाल्ली तरूय उठन दिसनासलें. हया वेळार सदांच तळयाखाणीर आसतालो. काल तर हयाच वेळार त्या तळयार जिणेंतलो पयलो भोग घेतिल्लो. कालची याद जायनाफुडें परत देसायाली चलो खिणांत दोळयामुकार साक्षात उबी जाल्याचो भास जालो आनीं आतां मात सगळी शक्त एकठावन हांवें म्हजो तोल वचूंक दिलोना. सर्कशींतल्या तारीचेर कसरत करतना तोल सांबाळूक जितली मानसीक एकाग्रतेन लागता, तिच्यापरस चड एकाग्रेतेन हांवें तोल बाळगीलो. आनी वासनांचेर जांव कसलेय विवशतेचेर मनाची घट्टसान आनी निश्चय आसल्यार जैत व्हरूं येता हें पयलेच खेप अगभवपाक मेळ्ळें पूण असली ताकद मातशी आदी फाव जाल्ली जाल्यार आता मेरेन जें कितें घडलां. आनी घडत आयलां तें घडये घडचें नासलें. म्हाका दुबळो म्हण रवळनाथाच्या देवळांत घाडयामुकार बसपाची पाळी येवची नासली. 'चेडया बेगीन उठ, तोंड धू. आनी च्या घेवपाक यो.' देवळांत वचपाक जाय. रांदन फुंकता-फुंकतां आवयन सांगलें, आनी हांवें आंगावयले पांघरूण पयस केले.

'कांयच भिवपाची गरज ना, राखणेचो प्रसाद भेस बरो जाला. कोणें तरी मेळो उठोवन घातलेलो, आनी तेका लागून संबद पिडटालों. गुरवान आपली किरवट घट्ट करीत म्हज्या बापायक सांगलें.'

'सगळी पिडा-नड कुशीक माल्ली मूं ?'

'सगळयांची धांवा बांदल्यात.'

'ही बिबूत केन्नां लाबपाची ?'

'ती बिबूत लावच्या पयलीं, पूर्वार कोंबो मारुंक जाय. त्याभायर घरांत बिरामण जेवोवपाक जाय. गुरव हक्कान आनी अधिकारान देवसपणांतली

पिशांपणां बापायक फर्मायतालो ; आनो . बापूय घणसाबैलाभशेन फकत तकली हालयतालो. '

देवळांतलें तें चित्र पळयत जाल्यार कोणाचोय देवावयलो, विश्वासूच वचपाचो. देवाच्या नांवार भट-गुरव, घाडी, जोयशी आनी पुरयत देवभक्तांक कशें नाडटात तें ह्या निमतान पळोवंक मेळ्ळें. खंयच्या तरी पाषाण-शिळेक तकली-हात-पांय आनी रुपडें कोरून पिंडीकेर उबो केल्ल्या फातराच्या निर्जीव देवाक हाडामासाचो सजीव मनीस, आपलें मनीसपण विसरून भावार्थीन कसो भजता, कसो लीन जाता, कितलो अकलेक येता, तें पळोवन मनांत विचार आयलो की, हे फातरा देव कोणाकूय बऱ्या सभ्यपणांन लांच घेवपाक बरे उपेगाक पड्टात म्हण. आनी आयज तर म्हजेर कोण बसला-तो काडपाखातीर रवळनाथाक कोंब्याची लाच दिवपाची आसली, देवचाराक बोकडो दिवपाचो आसलो, आनी गुरवाक दक्षणां दिवपाची आसली. घाडयाक भाडें दिवपाचें आसलें. इतलेंय करून म्हजीं पिशेपणां पयस जातलीं, असो आवय-बापायचो भावार्थ जाल्लो.

देवळांतली इशारत जाली, आनो आमी देवळाचीं सपणां देऊन प्राकारां-तल्यान रस्त्यार आयलीं.

'बाबू, आतां बरें दिसता मरे तुका ? आवयन चलतां-चलतांच विचाल्लें वाटेर वाद घालपांत अर्थ नासलो. मोन्यानी तकली हालोवन साद दिवपातच खूब शाणपणां आसलीं. हांवें 'ह्य' ह्या अर्थान तकली हालयली.'

'तुमी मुकार सरात, हांव मात्सो बाजारांन वयतां. अशें म्हण बापायन वाट बदल्ली, आनी तो आडवाटेन भितर सल्लो.'

आवय आनी हांव पिराभळावल्यांन कुळागारात पावलीं. माड-माडयांच्या सावळेंत पावनाफुडें जीव सू जालो. म्हजी नदर कुळागारांच्या आंगार पडली. आज शिंपणे करू नासून सगळें पाट सुकिल्ले. माडयांची कावत्यांचीं मूळां सुकिल्ल्या ओंठावरी जाल्ली. सगळें कुळागार उदका थेंब्याक तानेलां. तें उदक मागता असो म्हाका भास जालो केळींच्या पोरांक तर पळोवपाचें नासलें. तांच्यो शिबडचो एक दिस उदक नाशिल्ल्यान हे वटेन. ते वटेन लोंबकळटाल्यो. सगळीं झाडां, पेडां, फुलां-पानां, म्हाका उलो मारून आड्डून-आड्डून सांगतालीं, आयज तुका लागून आमीं उपाशीं, तुका लागून आमी अशीं तळमळटात. तुवें पिशेंपणां करुं नाशिल्लीं जाल्यार सदांचें शिंपणें सदांभशेंन आयजूय फांत्यापारा जातले आसलें, आमची तान भागतली आसली. आनी आतां तुका आमी अशीं उदास नदरेन पळोवची नासलीं आमचे तान भागोवपाची शक्त तुज्यांत ना मरे ?

आनी त्या कल्पनेतल्या प्रश्नान हांव म्हज्जें तंद्रेतल्यान भानार आयलों. आवय घरांत गेल्ली, तिणें म्हजी ही दशा पळेली ना म्हण बरें जालें, ना जाल्यार परत आनी खंयच्याय देवळांत वचपाची पाळी येतली आसली. आवय दोळयां आड जाल्या, आतां ह्या बारापारार वाघतळचार गेल्यार देसायाली चली म्हाका मेळत काय ? मनांत खिणांत विचार आयलो ; आनी कशेंय–भशेंन तिका सोदून काडून नाच जाल्यार पलतडीं तिच्या घरा वचून चोरयानी तिका मेळप आनी सगळी गजाल सांगप, हें पक्कें थारावन हांवें आवय घरांत भितर सल्ल्या ती पळोवन वाघतळचाची वाट धल्ली. म्हाका खबर आसली की हांव ना तो पळोवन, आवय बोवाळ करतली म्हण. पुणून म्हाका केन्नांकाळ सगळी गजाल देसायाले चलयेक सांगून तें कितें म्हण्टा, ताकाय बी म्हज्यासारखेंच जाता काय, ताज्या दोळयांमुकार हांव येता काय, तें सपनेता काय, हें सगळें जाणां जावन घेवपाची उमळशीक लागली. आनी परत म्हज्या शिरंतरांनी ती खंयची तरी लिपून आशिल्ली शक्त अवसरली म्हजी पावलां नेटान वाघतळचावटेन धांवंक लागलीं.

तळचाखाणोर पावलों तेन्नां जोरगत आयिल्ल्या दर्यावरी तळें दिसतालें. उदक खाणीच्या वयल्या काटाक तेकिल्लें. आनी खाण मोडून उदक भायर येवपाची शक्यता निर्माण जाल्ली. गुड्डो तर धपर भर उदकांत बुडील्लो. भोंवतणी नदर माल्ली. वोंवळींर पळेलें. ह्या वेळार कोणाचीं कांकणां खिणखिणलींना. कोणाचो हांसोय कानार पडलोना. असल्या बारांच्या कडार देसायालें चली तळचार कित्याक येतलें. म्हाका पिशें लागलां, तशें ताका लागलां जाल्यार तें खरें म्हळचार येवपाचें, पुणून ताणेंच तर म्हाका तिडायला. ताणेंच म्हाका पिडला, आनी पिसायला. मागीर ताकाच म्हज्या-परस चड मोग–पिशें लागूक जाय. खऱ्यानीच तें ह्यावेळार येवपाचें. मनात येवजीतां–येवजीतां हांवें भोंवतणी नदर माल्ली.

दोंगरा तेमकुलेर सगळचा झाडकुलांनी रानाचें गल्ल जाल्लें. सुकणी–पत्री, कवडे, आनी रानपिसोळीं ह्या गल्ल्यांत हुसक्यामेकळीं उट्टाली, रट्टालीं. कुळागारांत सगळें मंद आशिल्ल्यान खंयूय सर्र जाल्यार रोकडोच आवाज येतालो. पयस व्हाळाचे खळखळप कानार पडट्टालें.

देसायालें घर खंय काय ? सगळें कुळागार नागडें उघडें आनी मोने दिशिल्ल्यान म्हाका देसायाले चलये विरयत कुळागाराची कल्पनाच करीन दिसली ना. देवळांत देव नासत जाल्यार त्या बांदावळीक देवूळ म्हणपात जसो अर्थ ना तसो कुळागारांत देसायाली चली नासल्यार त्या कुळागाराक कुळागार म्हणपांत अर्थ ना, इतलें समीकरण करपाच्या दशेर हांव पावलो. ना, घरच्यान चोरून आयलों तो देसायाले चलयेक मेळ्ळेबगर वचप ना.

येवं दी आवय-बापायक सोदपाक. कळूं दी तांका, हांव कित्याक आनी कोणाक लागून असो पिसो जालां तो—मनाची थारावणी करून हांव जे वटेन देसाय कुळागारांत येतालो, ती वाट चलूंक लागलो.

व्हाळाचो खोपाडो चलून हांव कुळागाराच्या पलतडीं पावलों पुणून अयस-पयस कोणाचेंच घर नदरेक पडलें ना. वग्ले-सकले पाट, चडून देवून हांव बरोच पयस पावलों. आनी कुळागार सपतकच एका अनवळख्या भाटांत पावलों भाटांत कोणाची तरी खोप आसली. देसायाले चलयेची खोप जावंकच शकना. कोणाची तरी आमच्यासारखील्यांचीच खोप जातली, आनी थंय वचून देसायालें चलयेचें घर विचारचें, हें येवजून हांव तें खोपीवटेन चलूंक लागलों.

'पाड पाडूं! वतां थंय हे कुत्रे! म्हाका पळेनाफुडें त्या खोपीतल्यान एक हाडकुळो काळो कुत्रो भोंकूक लागलो. भोंकून—भोंकून ताणें सगळें भाट माथ्यार घेतलें. हांव जितलो—जितलों मुकाट वतां तितलो तो कुत्रो फाटीं वचूंक लागलो. म्हाका खबर आसली. खोपींत कोणूय आसल्यार कुत्रो कित्याक भोंकता ते पळोवपाक भायर येतालो म्हण, म्हज्रो अदमास खरो जालो. एकलो हाडकुळो काळे कातीचो काश्टेकार भायर आयलो. काळ्या रुपाक लागून ताजे दोळे धवे तिब्के कशे चमकले तशे तोंडातले धवो दातांचो फेंणोय चमकलो. ताणें पयलो कुत्र्याचेर धेंगसो घालो.

'शेपू फाटीं सर. आनी सुगो भोंकपाचो मात्सो कमी जालो आनी ताणें म्हाका मोन्यानीच विचाल्लें.'

'कोण जाय ?'

'देसायाल्या घराकडें खंयच्यान वपच ?'

'खंयचो देसाय.'

ज्या अर्थी ताणें खंयचो देसाय म्हण विचाल्लां, त्या अर्थी एका परस चड देसाय रावता जावंक जाय, असो अदमास हावें बांदलो. आनी ताकां खंयचो देसाय म्हण सांगचो, हें चितपाक पडलां आसतानाच म्हाका देसायाल्या कुळागाराची याद जाली.

'तो देसाय, वाघतळ्याकडें कुळागर ना ? तो.'

'फोणू देसाय रे ?'

'हय, हय ... तो ... ताजें एकलें चली बी शिपूक वता तें.'

'हांव नकळो. पुणून फोणू देसायालें वर जाल्यार असो सकल्यान वचो जाय, आनी मुकार पावतकच दुर्गातल्यांन भितर सरोंक जाय.'

'ताणें बाट दाखयिल्ली वाट हावें, धल्ली. चलतां आसतानां म्हाज्या घरांकडें हांव ना, तो पळोवन केदो आकांत जाला जावंक जाय, हाची हावें कल्पना केली. फाटल्यान चलतालो बाबू ना तो पळोवन आवयन म्हाका

ताळो फोडून बाबू ... बाबू ... करून सगळें कुळागाराचें शिवर उकलून धल्लां जावंक जाय. आवयचे बोबेन सगळीं शेजारीं-पाजारीं एकठांय जातलीं, आनी इतल्यांत थंय बाजार करून बापूय घरा पावला जातलो. हांव ना तो पळोवन ताजो संताप आनी म्हजें नासपाचें दुःख एक जावंन ताची विचित्र दशा जातली, आनी तो कुळागारांत सोदपाखातीर नक्कीच येतलो. कदाचित् हांगां लेगीत पावत. सांगू नज, हांवें बेगीन-बेगीन पावलां उकल्लीं. म्हाका सोडून काडच्यापयलीं. देसायाले चलयेक मेळप चड गरजेचें, अशें थारावन हांव धांवपाक लागलों. धांवून-धांवून धाप लागली. हड्डे वयर-सकल जांव लागलें. फुलमावांनी स्वास मावना जालो. आनी हांव बरोच खर्शेलों.

हेंच तें दुरीग जावंक जाय. त्या मनशान सांगिल्ल्या खुणेन हांव दुर्गाभितर सल्लो. भितर सरतकच दुर्गाभितल्लें माळयेचें घर म्हाका दिसलें. माळयेक कितलीशींच जनेलां आनी सकले पडवेक कितलीशींच दारां ! हेंच घर जावंक जाय, अशें चितून हांव मात्सो मुकार सल्लों. घराच्या आंगणात सुपारी, मिसांगो, आंब्या साठां, पापड, सोलां आदी जायते जिन्नस सुकत घाल्लें. सगळयांचेर जाळयो घाल्ल्यान सुकत घाल्लें राखपाक कोणूच मनीस भायर नाशिल्लों. घरांतल्यान कोणूय भायर येतलो आनी हांव ताका विचारतोलो म्हण आशेन त्या घराच्या कितल्याश्याच दारांचेर नदर भोंवगा-वपाक लागलों. घराक चड दारां आशिल्ल्यान खंयच्या दारांतल्यान कोण भायर सरत हें सांगपाक कुस्तार आसलें.

कितलोसोच वेगीत जालो, कोणूच भायर येना तो पळोवन हांव घरच्या उजवेवटेन आशिल्ल्या पोरसांतल्यान मागिल दारां वचपाचें येवजून पोरसांत आयलो. पोरसांतल्या तरेतरेची फुलां-वालीनी खीणभर म्हजें लक्ष ओढून घेतलें. आनी फुलांमदल्या एका तांबडया फुलाचेर म्हजी नदर थिरावली. देसायाली चली असलेंच कसलें तरी फूल आपल्या केंसांन खोयतालें. ताच्या केंसांक चेराचो वास मारतालो जेन्नां म्हाका घट्ट वेंगेत धरतालें, तेन्नां ताजे मोव-मोव केंस म्हज्या तोंडान वताले. हांव ते अचळय ओढून काडी, आनी ताजे फटीर सोडी. देसायाल्या चलयेच्या घरा पावलां, हाची सुलूस म्हाका अदमासान लागली. हेंच घर जावंक जाय. अशें पक्कें थारावन हांव पोरसांतल्यांन फाटले वाटेन आयलों.

सरयांची आडकळीची वंय आशिल्ल्यान, म्हाका काटयांच्यो सरयो वयर काडून ओणोव घालून वयेंभितर सरचो पडलो. कसलोच वायट-बरो विचार करी नासताना हांव एकेच धास्तीन मनांत येता ते भयां विरयत करतालों. परक्याच्या आनी अनोळख्याच्या घराचे भितोडेक म्हजें अशें वचप हें एका चोराभशेन वागणें हाची जाणीव लेगीत म्हाका जालीना. देसायाल्या चलयेक

पळोवपाची आनी मेळपाची इतली उमळशीक लागील्ली की म्हाका तेन्नां सगळें किकोंत आसलें.

काटचांची वंय काडून हांव त्या घराच्या मागील दाराच्यान जळवाचे खोपीच्या आडोश्याक येवंन उबो रावलों. खोपींन खूब जळोव भरिल्लो. लाकडाच्या दाळाच्या कुशीक रावून हांवें मागील दारच्यान सगळया घराचेर नदर माल्ली.

बांय आसली. बांयचे धडेचेर कळशी आशिल्ली आनी बांयचे कुशीक नीरपणसाचें व्हडलें झाड आसलें. निरपणसार कावळयांचें भिरें बशिल्लें आनी ताज्या पोंदच्या गंजणाचे पातयेर पिसोळीं बशिल्लीं. कावळे आनी पिसोळीं हांच्या शिवाय म्हाका मनशांची जाग लागली ना. हया घरांत मनशं रावतात काय ना, इतलो वेळ जालो, एका तरी मनशाचें दर्शन घडचें आसलें. मनांत हो प्रश्न येतांच म्हाज्या फाटल्यान कोण तरी खोकलो.

हांवें आंग काडलें. पुण भिला म्हण दाखयलों ना. नेटान फाटल्यान वळून पळेलें. म्हजी नदर एका म्हाताऱ्याचेर पडली. केंस पिकील्लो आनी पोंग घालून चलत येवपी म्हातारो म्हाका पळोवन दांत नाशिल्ल्यो दांताच्यो मावो भायर काडून हांसलो. ताज्या हांशान म्हाका धिर आयलो. हांवें म्हाताऱ्याचो उपेग करचो थारायलो. म्हातारो जळवाचे खोपीकडे आयलो, आनी हांवेंच ताका पयलो साद घालो.

'आज्या बरो आसा मूं ?'

'हय बाबा. काट्टां दिस संवसरांतले'

'आज्या वाघतळचाकडें कुळागार आसा तें कोणालें ?'

'कोणालें म्हणजे, आमच्या भाटकारालें तें !'

'तागेलें हेंच घर न्ही ?'

'हय. तूं कोण ... खंयचो ?' म्हज्या उलोवण्या वयल्यान हांव कोणतरी अनवळखी थंय पावलां म्हणपाचे त्या म्हाताऱ्याक कळ्ळें.

'तूं भाटकारागेर गोरवां राखपाक येयला ?'

म्हज्या येदे भुरगे चडान-चड गोरवां राखपाचे शिर्वीसेक येतात हे कल्पनेन ताणें म्हाका विचाल्लें, तें हांवें पारखीलें पुणून म्हाताऱ्याचेर धेंगसो घालून उपेग नाशिल्लो.

'ना, म्हाका मात्सो देसायले चलयेक मेळूंक जाय.'

'कोणाक धाकटचा बायक; आरे, हें तें पळय पाटार कपडे धुता.' आनी म्हाताऱ्यान उजवे वटेन बोट दाखयलें. दाट झाडाच्या मदल्यान व्हावपी पाटार गोरेंपिट्ट चली ओणव घालून कपडे धुतालें. हांवें आनी वेळ पळेलोना. म्हाताऱ्याकूय परत कांयच विचाल्लेना. म्हजीं पावलां त्या झाडामदल्यावाटेन गेलीं.

म्हज्या आंगांत फांत्यापाराचो अवसर आयलो. वच्चूण वचून ताका घट्ट धरप, ताजें वेंगेत गडप जावप हें येवजून हांव त्या झाडींत भितर सल्लों. हय ... तेंच तें .. घागरो कंबराक खोवन आनी माथ्यार केंस सोडून हुसक्या मेकळें कपडें धुतालें कपडे धुतना ताका म्हजो उगडास येता जातलो. घडये ताज्या मनांत हचा वेळार हांव आपल्या म्हऱ्यांत येवचो. आपल्याक वेंग घालची, अशेंच कितें तरी आयलां जातलें. आनी म्हजें येवजीतां–येवजीता प्रत्यक्ष हांवूच ताज्यामुकार पळोवन ताका आपूण सपनांत बी ना मु ? अशेंच कितेंतरी दिसतले. एका खिणांत ही कल्पना म्हजें तकलेंत आयली. आनी पळेतां–पळेतां हांव चोर पावलांनी सामको ताज्या फाटल्यान पावलो. ताका अळंग हात लावचो आनी भेसडायचें अशें चितून हांवें ल्हवूच ताज्या खाक्यांत हात घालो. आनी ताणे आंगार विंचू पडल्ल्याभशेन व्हडल्यान किळांच माल्लो.

'ये ... भिलें ? '

'कोण तूं ? '

'व्वा ... वळखना ? '

'कोण तूं ? ताजो आवाज चट्टालो.'

'फांत्यापार विसल्लें ? '

'कितें उलयता तूं ... तुवें म्हाका हात कित्याक लायलो ? इल्लोसो पोर !

'हय आयज हांवें तुका हात लायलो, सदां तूं म्हाका हात लायतालें. हात लावंक शिकयतालें.'

'कोण केरेक खंयचो. राव बाबाक आपयतां. अशें म्हणून ताणें तोंड उघडूपाक हांवें ताका घट्ट वेंग माल्ली. ताजें गोरें आंग म्हज्या आंगाक घश्टलें. आनी ताजी स्पर्श जाणवतां न जाणवता ताणें एकूच फोर्स करून म्हाका धकलून उडयलो. आनी व्हडल्यान ' बाबा ' म्हण बोब माल्ली.'

ये ... बोवाळ नाका. बोवाळ कित्याक करता. तूं जेन्नां फांत्यापारार म्हाका घट्ट धरतालें, तेन्नां हांव बोब मारतालों ? ' पाटांत पडला थंयच्यानूच हांवें ताका मात्शा रागान, मात्शा मोगान विचाल्लें.

'हांव तुका वळखना. चोर, मवाली खंयचो. येदोसो पोर म्हाका वेंग मारता. राव तुका दाखयतां, आनी ताणें परत परत व्हडल्यान साद घालो.

तें म्हाका पोर म्हण पाचारतालें, आनी फांत्यापारार मात म्हाका मानांय, मानांय म्हण, परत परत चाळयतालें. म्हजी भूल बी जावंक ना मुं ? त्याच दर्शेन हांवें ताजें मुखामळ सारखें पळोवन घेंतलें. कांयच फरक नाशिल्लो तेंच वाटकुळें गोरें रुप, लांब केंस, उमत्या कळशाभशेन उंच छाती, आनी तीच मोटसाण. इतली वळख आसूनय ते म्हजेकडेन अशें कित्याक वागचें ? फांत्यावयल्या झिळमिळत्या काळखांत ताणें म्हजो भोग घेवचो आनी, आता हांवें असो असवडीं येवंन हात लायल्यार इतलो आकांत कित्याक करचो ?

तें घुघूमाचे दोळे करून नाका पुडयो फुलोवन, दांत–ओंठ चाबून म्हाका पळेतालें. बाबू ... हांव पिसावलां रे, म्हाका घट्ट वेंगेत धर. अशीं अरगां घालून म्हाका लाळे-गोळे लावून, म्हाका आपल्याक जाय तशें करपाक लावपी हें चली आतां अशें कशें वळखनाशिल्ल्या भशेन वागता ?

मनांतल्या प्रश्नांच्या वादळान हांव गुस्पलों. कितें करचें तेंच समजलेंना. थंयच्यान पळून वचपाचोय धीर म्हाका जालोना. चोर भशेन पळून वचप ? ज्या चलयेखातीर म्हजी तन्नीं पिराय हांवें अशी पिडुचार केली, आवय-बापायक मानसीक त्रास केले. ते चलयेक अशी सोडप ? ना ... म्हाका ताणेंच मोग शिकयील्लो ताणेंच म्हजी वाट लायल्या, हें थंय येतल्या ताज्या मनशांक आड्डून सांगतलों म्हण हांव पाटांतल्यान उबो रावलों. आंगाचीं चिप्प भिजिल्लीं. पुणून म्हाका ताजी पर्वा नासली.

‘ कितें जालें ? ह्या प्रश्ना सरशीं हांवें तकली वयर काडून पळेलें. ’

‘ भाई ह्या पोरान न्हय रे, म्हज्या आंगार हात घालो. हळशीक खंयची· कोण खंयचो रे तो ? ’

‘ आनी त्या तरनाटयान म्हज्या गालाक केन्नां धरून केन्नां म्हजेर माल्लें तें म्हाकाच समजलेंना. ताज्या त्या थापटान म्हाका म्हज्या बापायल्या थापटाची याद करुन दिली. हांव झडपलों. मात्सो लकलों. इतल्यांत, कितें जालां ... कितें जालां हें विचारीत येवपी मनशाक हांवें पळेलो. आनी म्हज्या जीवांत जीव आयलो. ’

‘ कितें जालां रे ? ’ अशें म्हण ताणें म्हाका पळेलो. आरे ... हो आमगेल्या शंभूलो चेडो मेरे ... खंय रे, हांगा कित्याक आयिल्लों ?

‘ खंयचो शंभू ?

‘ तो पलतडचो शंभू. ’

‘ शंभूलो पोर, बाबा हाणें म्हज्या आंगार हात घालो. पिडा खंयची ? ’

‘ तूं हांगा कित्याक आयला रे ? ’

‘ म्हजें मात्शें आयकशात ? ’

‘ कितें ? ’

‘ हांव हांगा कित्याक आयलां तें सांगता. ’

‘ कित्याक आयला ? ’

‘ हाका, हे चलयेक लागून हांगा आयिल्लों. दोन–तीन दिस जाले, तूं शिपण्याक नां, तेन्नां, हें फांत्यापारार येतालें. हाणें म्हाका भाळयलो. पिशें लायलें, आनी म्हज्या तन्न्या कुडीचो जाय तसो उपेग करून घेतलो. ’

‘ हो कितें उलयता, बाबा ... हो –

‘ राव गो ... सांगू दी ताका. ’

'आयकय ... हाणें पयर म्हाका तळपार बसयलो. आनी थंय म्हजेकडच्यान आपली वासना भागोवन घेतली विचार, विचार ताका. आनी आपल्या नखऱ्यानी म्हाका पिसायलो, भाळयलो. हांवूय ताका भुल्लों. हांव पिरायेन ल्हान आसूनय म्हाका ताज्या बगर रावंक जायना. खिणा–खिणांत म्हाका ताजो उगडास येता. आनी ताज्या मोगाक लागून —

'बाबा, तूं कितें आयकता. हांव केन्नां गेल्लें कुळागारांत शिपणें करुंक ?'

'राव गो, तापू नाका. भुरगो आसा तो. तकली जाग्यार ना जातली ताजी उलयतां तें आयकूपाक कितें जालां ? देसायान म्हळें आनी हंगाय बी म्हाका पिसाय थारायली एकूण म्हजें वागप इतलें पिशेपणाचें आसले, हे पावला–पावलाक म्हाका जाणोव करपाकच हे लोक आयल्यात काय कितें ? असो प्रश्न पडलो.'

'तूं सांगता तें सगळें सत मरे ?'

'मागीर म्हाका फट मारून ह्या येदे घोडयेची अब्रू काडपाचें कसलें कारण. ताणें म्हजें घोडें केन्नां माल्ल्यात ? आनी म्हजें घर–दार इतलें पयस पलतडीं सोडून हांव ह्या दनपारच्या कडार हांगाच तुज्या घराकडें कित्याकूच येवचो, गांवात आनी घरां नात, आनी त्या घरानी आनी चलयो नात ?'

'जीब पळय कशी चुरचुरीत उलयता !'

'वगी राव गो'–देसायान धेंगसो घालीनाफुडें ताजो रागाचो जोर मात्सो देवलो. पुणून म्हाका ताजी परवा नासलीं. रुपडी पांघरून संवगां करपाचीं बायलांची जात ती. तें तरी कित्याक अपवाद आसत ?'

'सांग रे तूं.'

'कितें सांग, सगळें फट, कल्पीत ?'

'रंजन तूं वगी रावपाक कितें घेतलें ?'

भावूय आतां ताजेर तापलो. आनी तें नॉर्मल जालें. पयलेच खेप ताजें नांव म्हज्या कानार पडलें. रंजन ! नांव विचाल्ल्यार नांव सांगू नाशिल्लें. देसायालें चलयेचें नांव रंजन, व्वा ... !'

'कितें येवजीता रे ? येवजून-येवजून सांगता ?'

'ना. येवजूपाची गरज, येवजूपाक ती कितें रामायणातली काणी न्हय.'

'रावण तूं म्हाका व्हरूंक आयिल्लो ?'

'आसत्त ; पुणून सितेन पयलोच रावणाक लुबाडलो. दर दिसा फांत्या. पारार शिंपणे करपाक येवप, तळयेचो गुड्डो सोडयताना कांकणां वाजोवन म्हजें लक्ष ओढून घेवप, म्हाका भूल घालप आनी मागीर म्हज्या दादल्या-मनशाच्या ह्या कुडीचो, आपल्यो कामावासना भागोवपाक उपेग करप. तूं न्हय तें काल वोंवळीर चडून वोंवळां झडयतालें ? तूंच न्हय तें म्हाका वोंवळीपोंदा रावून आपणाक पळोव नाका म्हण सांगतालें ? तूंच न्हय तें

'म्हाका आपल्या आंगार घेवन चिड्डीतालें ! उलय आतां.'

'बाबा ... बाबा ... हें कितें ... हो कितें उलयता ? आनी तुमी कितें आयकतात ?'

'पळय रडपाचें नाटक करता वशें तें ? तुमकां बायलाक शिण-शिण करून रडप सोपें. मिर्गाची दडक कशी दुकां गळयलीं म्हणजे जालें.'

'बाबू, तुका हे केन्नां सुमार मेळटालें. देसाय मात्सो गंभीर जावन बारीक चवकशी करपाचे नदरेन विचारता तें पळोवन म्हाका खूब बरें दिसलें. आनी सगळें ओकून सांगन कशें दिलें, पुणून जें कितें घडिल्लें तें सगळेंच सांगपाचें नासलें.'

'कोंब्यान साद घालतकच झिळमिळच्या दिसाच्या उजवाडात हें म्हाका मेळटालें. तें आपूण जावंन म्हाका सगळचो करण्यो शिकयतालें. आनी आतां पळय कितलें संत, कितलें सभ्य, कितलें पवत्र!'

'बाबू मात्सो वगीरावशो ? देसायान थंडसाणीन सागलें.'

'हय, हांव वगी रावल्यार सगळो फावत कोण सांगतोलो ?'

'सगळो फावत सांग, पूणून ताका बोट दाखोवन सांगू नाका. कितें घडलें तें सांग !'

'व्हा सगळें घडोवपी तें. आनी ताकाच लागून हांव हांगा पावलो ... आनी ताकाच आनी तूं म्हण्टा ताका बोट दाखयनासताना सांग म्हण. कशें शक्य आसा तें ?'

'बाबू ... बाबू ... आनी म्हज्या बापायचो उलो म्हज्या कानार पडलो. म्हजो अदमास खरो थरलो. बापूय सोदित-सोदित थंय पावलो.'

'आरे ... शंभू ... यो बाबा. हें पळय तुज्या पूतान नावरूप केलां तें !'

'नांवरुप करूं ना. तुज्या चलयेन केलां. म्हज्या परत्या उतरानी देसाय परत गुस्पलो.'

'हय ... हय ... म्हजेच चलयेन. पुण मात्सो वगी राव. तुज्या बापायकडें मात्सो उलोवंदी'

बापूय सामको धामाघूम जाल्लो. म्हाका सोदून-सोदून तो बेजार जावंन थंय आयिल्लो. ताका खरस मारताली. आनी जीव बयर-सकल जातालो तेवटेन आवयच्या जिवांत-जीव नासतोलो. ही सगळी विटंबना करपाक एक देसायालें चली.

'बाबू ... तू ... सांग नासताना आवयचो दोळो चुकोवन हांगा कसो येयलो रे ? आनी बापायन म्हजेर मारुंक उकलील्लो हात देसायान वयल्या-वयर धल्लो.'

'शंभू ताका मारू नाका. हांगा यो ; सांगता. सगळीं घडणूक म्हजें मतींत आयली. आनी नक्कीच म्हाका दिसता तशेंच जावंक जाय.'

'किते तें ?'

'ताका घडलां तें सगळें खरें.'

'कितें घडलां तें? बापायक कांयच खबर नाशिल्ल्यान बापूय गोंधळांत पडपाचो पडलोच. बापायक हांव तकलेन सारखो ना, खंय तरी भिलां इतलेंच आवयकडच्यान कळिल्लें. बाकीचें ताका मातूय खबर नासलें. बापूय अजापान देसायाच्या तोंडाकडेंन अधाशावरी पळोवंक लागलो. देसाय मात्सो दोन पावलां फुडें सल्लो आनी म्हज्या बापायचो हात धरून बापायक मात्सो कुशीन व्हेलो, आनी ल्हवूच कितें तरी सांगूक लागलो पुणून ताचें हालचाली-वयल्यान ते खूप गंभीर जावंन उलयतालें; इतले खरें.'

झक माल्ली हांची गंभीरताय, म्हण हांवें जळवा खोपीकडे उबें आशिल्ल्या रंजनाक पळेलें, आजूनय तें म्हाका रागान पळेतालें. आमचो बोवाळ आयकून देसायाली घरकान्न, आनी हेर भुरगी भायर येवंन तोंड उक्तें करून पळेताली. रंजनाक पळोवन परत ती शक्त परगट जाली. हांव रंजनाक धरपाक धावून आयलों. तशें रंजन बोब मारीत आपले आवयच्या फाटल्यान वचून आडसाक रावलें. हांव रंजनाच्या फाटल्यान लागला तो पळोवन म्हजो बापूय धांवट आयलो. आनी म्हाका घट्ट धल्लो.

'शंभू ... ताका मारू नाका. ताका सारखें समजाय. आता ल्हान तो; तो सांगल्यार समजतोलो. फुडलो बंदोबस्त हांव करता. चल तू ताका घेवंन.'

'फोणूबाब रागार जांव नाका आं.'

'आरे हातून रागार जावपाचें कारण ना. कांय चितपाची गरज ना. चल बाबू ... चल तू.'

आनी बापूय म्हाका भरभरीत हाताक धरुन थंयच्यान ओडीत घेवंन येवपाक लागलो. हांवें रंजनाक दोळेभर पळोवन घेतलें. आनी म्हजी खात्री जाली की आतां हाच्याफुडें आमची दोघाचीय भेट केंन्नांच जावची ना म्हण. देसाय ताका केन्नांच परत शिंपण्याक फांत्यापारार धाडचो ना.

'रंजन हांवें ल्हवूच उलो माल्लो. तो उलो फकत ओंठातच उल्लो.'

बाबूय म्हाका घरा घेवंन आयलो. घरा यो जाल्यार घराच्या आंगणांत जात्रा भल्ल्या. सगळीं शेजारीं-पाजारीं कुळागारांत आमची वाट पळेंत आसलीं.

'खंय आसलो? गर्दैतल्यान कोणेंतरी विचाल्लें.'

'खंय ना, वयर गेल्लो. तळयाखाणीर! बापायन फट सांगलें. तें म्हाका बरे दिसलेंना. सगळ्या लोकांक नेटान सांगन दिशील्लें हांव म्हज्या रंजनाक मेळूंक गेल्लों म्हण पुण ...'

हांव आयला तो पळोवन आवयन दोळयांक पदर लावन दुकां पुसलीं. आनी हात जोडले. सगळे लोक आयिल्लें, तशे गेले. आनी घरांत परत तीच शांततात पसवली. आवयन म्हाका जेवयलो जेवण चल नाशिल्लें ; उणी सकनळये सकल देवनाशिल्ली. तरीय जेवलों. भूक लागिल्ली पोटाची आनी मोगाची. कुडीची आनी फांत्यापाराची.

जेवन बी आवय सांगता म्हण भायल्या सोप्यार मातसो आड पडलों. दोळे धापून न्हिदपाचो यत्न केलो पुणून दोळो लागलोना. बऱ्या वेळान हुबऱ्यार तिरपें वत पडपाच्या वेळार कोणाच्या तरी फुतफुतपान म्हजें कान तायट जाले, आवय आनी बापूय ल्हवूच फुतफुत्तालीं.

'चेडयाक तळयार धाडपाचो न्हू.' बापायचो आवाज.

'म्हाका कितें खबर ?'

'तुका माती खबर आसता.'

'तोच म्हणूक लागलो आपूण वयता म्हण.'

'तो जायतें म्हण्टलो. पुणून तुयें मात तरी चितपाचें न्हू ? एकलो वचपाचें वय तरी जालां तेचें ?'

'मागीर अशें जालें कितें ? म्हजें कान सामकें फोणां फुलोवन बापायचीं जाप आयकूंपाक रावले.'

'चेडयाक नकलामी जाल्यो ?'

'कितें ?'

'हय. चेडयाक देसायाले व्हडलें चलयेन मेळचाक धल्लो.'

'खंयची ?'

'पोरुं तळयांत बुडून मेली ताजी याद जाता ?'

'सायबीणी ! ती लांवसर ?'

'हळू उलय चेडो आयकत. नकलामी म्हण कळल्यार चडच भितलो.'

म्हजी पुराय खात्री जाली की हांव जागो आसा तो पळोंवन म्हाका फसोवपाक बापायन केल्ली नवी हिकमत. मेल्ले चली मनीस आपली कुड दादल्या मनशाक केन्नां दितां ? कशें शक्य आसा. रंजनायले मन पयसावपाक देसाय, बापूय आनी आवय तिघानीय मेळून केल्ली फितूरी म्हळयारुच तळयावयली नकलामी !'

□ □ □



गर्भदान

□ □ □

'खंय तरी घांणी मारतात!'

'माकड कुसला!'

'माकड कुसला?'

'हय, माकडाक माडये मुळांत पुल्ला!'

'जितोच?'

'मारून!'

'कसो?'

'आमी फकत फारानच मारतात.'

'असली हेत्या करचाचें कारण?'

'आमचें कुळागार!'

'पुणून माकडानी कितें केलां?'

'व्वा, हें विचारप जालें?'

'सांग तरी ...'

'माकड आमच्या वराण्याचे पूर्व जन्माचे वैरी, खंयच्या पिळग्यांचे पातक खबर ना. पुणून इतलीय कुळागारां सोडून पाडा पडिल्लीं सगळी माकड जात आमच्या कुळागारांत मरूंक येता!'

'कुळागारांत आयल्यार कितें जाता?'

'तुमकां शारांतल्या लोकांक तें सांगल्यार समजूचे ना. माकड ही जातच तुमकां पयली पळोवंक मेळना, थंय माकडाचे जातीचो वायट गूण सांगल्यार थोडोच समजोतोलो.'

'सांगात न्हय?'

'माकड आमचें कुळागार पाड घालतात.'

'कशें?'

'केळयांचें फोक येवपाक दिनांत! आख्खे कुळागार ना जावपाक माकड कारण. माकडांनी आमचीं अर्दी धन दौलत काबार केली म्हळचार अतीताय जावची ना.'

'त्या कांमाक माकडांचो जीव कित्याक घेवजाय, तांका धांवणावंन घालचें ! '

'धांवणावंन घालपाक सदांच धा पंदरा मानांय घरांत पोसचे पडले.'

'म्हणून कितें जिवे मारप ?'

'उपाय ना. आनी आतां आमकां तें सवकळीचे जालां, आमची परंपरांच जाल्या म्हणना, म्हजो आजो पुतू शणै आनी दादा लेगीत आर्मा बगर कुळागारांत भोंव नासलो. पोरुं दादान एका वर्सांत कमीत कमी शे-दोनशें माकड फारान मारल्यात ! '

'आवयस ! '

'कितें जालें ?'

'शें-दोनशें ! '

'हय, हे कांयच न्हय, म्हज्या आज्यान एका वर्सात खंय पांचशें माकड मारिल्लें ! '

'पांचशें ... ? माकड ! ' आनी 'माकड माकड' करीत शापू बायल मिरा खाटीवयल्यान पडपाक शापून तिका घट्ट ओडून धल्ली आनी बाज्जेर ओडून घेतलो.

'कितें जालें ?' शापून तिच्या तोंडाकडेन तोंड व्हरून विचाल्ले.

'माकड ! '

'मागीर तूं इतलें काचाबुल कित्याक जालें ? '

'आंगार कांटो फुल्लो ! '

'माकडाचे भिरांतीन ? '

'माकडाची हत्त्या जाल्ली आयकून ! '

'कांय ना, सवंय जातली. म्हजी आवय लेगीत लग्न जावंन हचा घरांक नवीच आयील्ली तेन्नां तीय बी अशीच करताली खंय. तुका सवय ना न्हय. तुमी शारातली मनशां, तुमी खंय पळेल्या खेडयांतली जीण. मात्सो तेप वतकच आपोआप सवय जातली. मागीर भंय दिसचो ना.'

'एक विचारूं ?'

'हं ...'

'तूं माकड मारता ?'

'हय ... ना ... कित्याक ?'

'माकडांची हत्त्या बरी न्हय.'

आनी शापू त्या अपाट काळखांत खो खो करून हांसता. तेन्नां बायल मिरा ताच्या तोंडार हात दवरता.'

'केद्यान हांसप ? घरची जागी जातली.'

'हांसो भायर फुटलो, माकडाची हत्त्या बरी न्हय म्हण, सागपी काकुबाय म्हाका

भेटली म्हण हांसूक येता.'

'मागीर कितें माकडाची हत्या–'

'अशीच चलतली. जो मेरेन आर्मा आसात आनी आर्मानी गुळयो आसतात तो मेरेन हे कुळागार, भाटबेंस राखूंक माकडाची हत्या करचीच पडटली.'

'म्हजें आयकना ?'

'आनी कितेंय सांग, तें सांगू नाका.'

'ना, पळय उपकार जायत, माकडाची हत्या बरी न्हय. आंमक नाका ते पातक !'

'कसली पातकांची भास उलयता. आमच्या पूर्वजानीं केली ना काय कितें ? तांका खंय कितें जालां ? सगळी बरें मालम्हातारे जावंन हांसता हांसता भरिल्या पोटार मेल्यात.'

'दादाक केन्सर जाल्लो न्हय ?'

'तो कितें माकडाक लागून जाल्लो ?'

'माकडांचो शापू आसू येता !'

'पिशें ! चड कुडुचापणा केल्ली बरी न्हय, शिकील्लें सवरिल्लें तू; कॉलेज काडून फूकट काय कितें ?'

'कॉलेज काडलां म्हण तर म्हाका जिवाचें महत्व कळ्ळें हय.'

'कॉलेजांत शिकयतात ?'

'कॉलेजात प्रत्येक जिवाचे महत्व शिकयतात. जितलो एका मनाशक हें भुंयचेर रावपाचो, जगपाचो हांगा थंय भोवपाचो अधिकार आसा तितलोच अधिकार खंयच्याय एका ल्हान व्हड मोनजातीक आसा अशें तुका दिसना ?'

'हें पळय, हें सगळें पुस्तकांतलें गिन्यान म्हाका सांगू नाका, पुस्तकार कोणूय कितेंय बरयतात तितलेंय आमी मोन्यानी पाळचे काय कितें ?'

'पुस्तकांतलें घेंवचें वो ना घेवचें जण वाचप्याचो प्रश्न, पुणून म्हज्या मतान बरें तें मुजरत घेवचें, वायट तें भायर मारचें.'

'मिरा मात्शें म्हजें आयकशीत ?'

'सांग ?'

'आयज आमी कसल्यो खबरी करपाच्यो ?'

'तो माकडची घाण आयली न्हय मदीच !'

'मागीर जनेल बंद करूया.'

'नाका, गुस्मटमार जातलो !'

'मागीर घांण येतलीच.'

'शो बाये, खंयच्या म्हुर्तार आमची गांठ पडली पळय, पयली राती पाडपडिल्ल्या त्या माकडाची घाण.'

'देखूनच दार बंद करूंया.' शापू जनेलांचें दार बंद करपाक उठूक मिरान ताजो हात घट्ट धरून ताका आपल्या आंगार ओडून घेतलो.

'अं ... हं ...'

'कितें ?'

'जनेल धापू नाका !' मिरान हळूच कानांत म्हळें.'

'घांण येता न्हय ?'

'येवं दी.' अशें म्हणून मिरान उशाकडचे फस्क काडलें आनी धाकटया मेजावयल्यो चंदनाच्या उजवातीच्या पुडयांतल्यो चार पांच उजवाती काडून पेटयल्यो.'

'उजवाती लायल्यो ?' शापून विचाल्लें आनी मिराक ओडून लागी काडलें.'

'राव न्हय, सारख्यो लायता त्यो !' अशें म्हण मिरा परत कुशीर वळ्ळे आनी उजवाती मातयेच्या धाकटुल्या वाझातल्या रेवेंत रोंबल्यो'

'बरो वास आयलो न्हय ?'

'माकडाची म्हण घांण सोसू येता ?'

'आमची पयली रात अशी घांणीन सुरवात जाली न्हय ?'

'मिरान आपल्या मनाकलो दुबाव ल्हवूच उलोवन दाखयलो. ताज्या आवाजांत एकतरेची भिरांतशी लिपून बशिल्ली. ती शापूक जाणवली नां. शापूक केन्नां-काळ मिराक घट्ट धरून रातभर न्हिदपाचे आसले आनी मिराच्या वेंगेत न्हिदच्या पयली. लग्नाची पयली रात मनोवचेली आसली. आनी पयले रातीचे उमळशीकेन शापू सगळ्या सोयऱ्या दायऱ्याक चुकोवन कुळागारावटेन आशिल्ल्या आपल्या कुडींत आयिल्लो.'

शापून जेन्नां धडधडत्या काळजान आपल्या कुडीन पावल दवल्लें तेन्नां मिरा बाज्जेर बसून ताची वाट पळेतालें. शापू भितरसरनाफुडे मिरान पयलो प्रश्न केलो तो घांणीचो. खंय तरी घांण मारता हया प्रश्नान शापू आनी मिराची पयली रात सुरू जाली

आनी हेच राती शापू आपल्या पोशांतलें धन मिराचे ओंटयेत घालपाचें येवजून खुशालभरीत जावंन कुडीत भितर आयिल्लो. लग्नाक आयिल्ल्या सगळ्या इश्टांच्या फकणांक तोंड दीत तो मदल्या सालातल्यान राजांगण काडून आपले कुडीवटेन चलत येतालो तेन्नां ताज्या मनांत कातकुल्यो जातात्यो. मिरा, गोरे पिट्ट तन्नें आंगलटाचें, तिवतिवीत कातीचें, कातलेवरी ओंठाचें, जांबावरी गालांचे आनी मोरांकुच्यासारख्या कांठभर केंसांचे सोबीत मिरा ताच्या वेंगेंत गप्प न्हिदतले ही चितरां ताच्या काळजांत येवंन आंगात धुंदीची लकार आयिल्लो आनी ते लकारीचें घुवळींतच तो केन्नां-काळ आपले कुडीन पाव शे हे ताका समजलें ना.

'आता घांण येता ?'

'मात्शी कमी जाली, उजवातीचो वास बरो येता.'

'दिवो पालवं ?'

'हं ...'

'मिरा ... अशें यो ...' अशें म्हणून शापून आशि–नाशिल्ली आंगातली तांक एकठांवन मिराक आपले वेंगेत घट्ट दांबून धल्लें आनी मिराच्या सर्सणाच्या कातलेक घांस मारता त्या विवान मिराच्या ओंठांक आपल्या दाताताळा धल्ले आनी म्होंव चोकतल्या चानयेवरी तो ओंठ चोकूक लागलो.'

माणकुल्या भुरग्यांच्या तोंडार चड वारे बसतकच अशें तें गुस्मट्टा त[redacted] मिरा शापूच्या तापिल्या नाकातल्या स्वासानी गुस्पलें, गुस्मटालें.

'मिरा ...'

'हं ... ?'

'तूं ... म्हजें मिरा, तुजी म्हजी गांठ सात जन्मांची !'

'हय ... तुवें भांगांत पिंजर घाल्या न्हय ?'

'देखूनच !'

'गळयांत मुर्तमणी बांदला न्हय ?'

'हय, म्हज्या नांवान !'

'तुज्याच नांवान हांव कापड न्हेसला, तुज्याच नांवान हांवें चुडो भल्ला तुज्याच नांवान हांवें तिळो लायला, आनी तुज्याच नांवान ही कुड तुका ओंपल्या.'

'तुजें ओंठयेत म्हज्या कुळाचे धन घालूंक !'

'म्हळ्यार ?'

'समजना ?'

'आ ... ना ...'

'आयज आमचें गर्भदान !'

'इशी' अशें म्हणून शापूक मिरान मात्सो कडेन काडून परत नाकाक हात धल्लो.

'कितें जालें ?'

'परत घांण आयलो.'

'मिरा, गर्भधन दान करतना मन नितळ दवर. गर्भधन तुजे कुशींत दितना बरें चितप, बरें येवजप.'

'जाणां हांव, पूणून घांण येता ती कशी सोसूं ?'

'घांण तुकाच येता ? तो म्हाका येना ?'

'येता जायत, पुणून तुमका तिची सवय जाल्या जायत.'

‘मिरा … परत थंय चित्त लाव नाका, अशें यो.’ आनी शापून मिराक घट्ट वेंगेत घल्लें.

‘कितलो काळोक न्हय ?’

‘घरातलो सगळों न्हिदलों जातलो.’ मिरान ल्हवूच विचाल्लें.

‘हय, बरींच रात जाली ना ?’

‘मिरा ?’

‘हं …’

‘एक विचारूं ?’

‘कितें ?’

‘तुका कितें जाय ?’

‘म्हणजें, समजलें ना ?’

‘पिशें, तुका कोण जाय ?’

‘कोण म्हळ्यार, तूं !’

‘हांव जालोंच. पुणून आमच्यामदी तिसरो मनीस–जीव पळय येतलो तो, कोण जाय ?’

‘हांव … पळय … लज दिसना ?’

‘आमचे उलवप आयकूपाक कोण आसा हांगा !’

‘म्हाका लज दिसता !’ मिरान ताज्या कानांत म्हळें आनी ताणें आपले दोनय हात शापूच्या गळ्याक लेस गुटलायतात तशें गुटलायलें.

‘सांग मगो ?’

‘म्हाका ? पुणून आतांच कशें सांगूं ?’

‘सांग, तू तुजी इत्सा !’

‘आमच्या हातांत आसा तें ?’

‘तें कोणांच्याय हातांत आसूं, पुणून इत्स आवंडेवपाक कितें जालां ?’

‘तुका कितें जाय ?’ आनी मिराच्या परत्या प्रश्नान शापूच्या आंगाची ल्हंव तापिल्या तणाकणसावरी तायट जाली. ताज्या आंगात नवीच हुवार व्हांवपाक लागलो, आंगातल्या पाटातल्यान रगतांचें व्हाळ धांवपाक लागले कानसुलांच्यो शिऱ्यो पिटपिटूंक लागल्यो आनी शापूच्या सगळ्या आंगांत पुनवेचो जोरगत चडलो. जोरगतीन कडोतडो उबयल्यो आनी जोरगतीच्या वसाडी नेटार सगळे बांद तुटलें. कुडीची कातोल्लां मोगाच्या पाण्यान उपाट भरून गेली आनी काय खिणांत काळजाच्या मानशेचीं कवडां वयर–सकल घट्ट बसलो. मिरान सुस्कारो सोडलो आनी शापूक ल्हवूच विचाल्लें. ‘जालें ?’

‘कितें ?

‘गर्भदान.’

‘जालें शें तुका दिसनां ?’

आनी शापूच्या परत्या प्रश्नान मिरा निरुत्तर जालें आनी कोणांक कोण जाय आशिल्लो हे दोगांकय निमाण्या खिणांमेरेंन समजलेंना.

□□□

शापूच्या लग्नाक आयिल्ली सोयरी-दायरी आप-आपल्या घरा गेल्यान परत शापूल्या घरांत किण्ण पडिल्लें. शापूच्या व्हडल्या भावाली भुरगीं राजांगणा पयल्या चौकात राबताली. आनी शापू आयल्या सालांत राबतालो. शापु शणैलें घर म्हळचार रानांतलो कोट कसो. भोवतणी दाट कुळागार आनी माथ्यार कुपांभर मळब ! आगणांत मल्लांचो माटव आनी माटवाच्या दोनूय कुशीनो दोन ल्हान ल्हाल पोरसां. पुणून शापूत मात आपल्याक न्हिदूक कुळागाराक तेकून आशिल्ले कुडीचीच निवड केल्ली. हरशी येद्या व्हडल्यां घरांत जाय ते कुड आशिल्ल्यान शापूक फुडलें साल काडून आशिल्ल्या दोन कुडींपैकी खंयचीय कुड न्हिदपाखातीर दजरूक येताली. पूण शापूची नदर दोन-तीन वांवां इतरांपरस सदांच फुडें, देखूनच जो-तो शापूक तोखेतालो. तसो शापू चड शिकू नाशिल्लो, तरुय शापूक पोर्तूगीज आनी इंगलेज उलोवक येता हें सगळयाक खबर आशिल्लें.

कुळागारांत आपली नदर सदांच आसची, माकडांची जाग लागची वा कोणूय कुळराडी केळींच्यो सिर्त्यो काडूक आयल्यार तांचेर धेंगसो घालूक मेळचो, जाता जाल्यार ताचेर दोन मारची, नाच जाल्यार चोरये बदलां ताचेकडच्यान घराची कामां करून घेवची, हे तजविकेन शापू न्हिदूक कुळागारांतलीच कुड उजार करी. लग्न जातकूच तर शापून कुडींचें भाग्य उदयाक हाडोल्लें, कुडीक वाळयाद पेंट मारून रंगियल्लो पाडसाचो घोयरूब आनी

वांशाची घस निवळ करून कुड चकचकीत केल्ली. शाणू मेस्ताकडच्यान सागवानाची बाज्ज करून कुडींत हाडून दवरिल्ली. खाटीवयर धाकटी तांबरेद आनं त्याभायर धाकटे कपाट, माथ्यावयर लायटीचो बटन दवरिल्लो. आनी कोनशाक तांबड्या-पिंगशे रंगाचो बल्ब घाल्लो लँप दवरिल्लो. शारांतल्यान खेड्यांत लग्न जावंन येवपी मिराक खेड्यांतली आडांगीपणां नदरेक पडचींना, आनी खेड्यांत कांयच फरक ना हें दाखवपाखातीर खासा खर्चून निर्माण केल्लें वातावरणान शापूक जरी खर्चाक मारिल्लो तरूय ताका तो कुडींची सोबा पळोवन आपलो आपल्याकूच अभिमान दिसतालो.

शापून मिराक प्रसन्न करपाक घर सजयलें, कुड सजयली, आपूणय नटलो, पेंट पिजामा घालून घरांत मिरोंवक लागलो. घरांत स्लीपर केन्नां न घालपी शापू आतें घालून भोंवपाक लागलो. शापूकाकाचो बदल शापूल्या भावांच्या भुरग्याच्या लक्षांत आयल्याबगर रावलो ना. वोंवळ वावराडेन आनी केशवान लगीत आपल्या भाटकारालो अचकीत बदल्लोलो अवतार पळोवन खिणभर तोंडांत बोटां घाल्लीं.

'शापूबाबाक पळेला ?' वोंवळ वावराडेन केशवाक माडयेंमुळांत रावून कल्लें पायार दवरीत विचारल्लें.

'बायल येवपाची न्हु घरांत ?'

'बरो मुरगुट्टा न्हु ?'

'मुरगटपाचेच. तुवें सोडलां सोगलां म्हण, सगळ्यानी सोडला कांय किते ?' आनी शापूच्या लग्नाचो विशय घेवन वोंवळ वावराडेन केशवाक ल्हवूच उतरांचो चिमटो काडिल्लो. गोरवां राखणा केशव तीस-वसांचो जालो तरूय लग्न जांव नाशिल्लो. कितली चेडवां पळेलीं. पुणून कोणाकूच तो पसंत पडलो ना, आनी 'लग्न-लग्न' करीतच बाडडो केशव दर वर्सा आपले पिरायेच्यो काडयो मोट्टालो.

शापूच्या घरांत भितर सरतानाच वोंवळान आपल्या कापडाचो पदर छातयेर सदळ सोडिल्लो. काम करताना जांगो, पोंवटयो उक्त्यो पडसर कापड वयर खोवपाक वोंवळाक मात्तूय लज दिस नासली. वोंवळान बरेच पावसाळे माथ्यावयल्यान घेतिल्ल्यान आनी बारा गांवचें पाणी पिवून आयिल्ल्यान ताका दादल्या मनशाक भूल घालपाच्यो नाना कळाशी खबर आशिल्ल्यो. वावराडेचे नाते विसरून तें शापूच्या आगलटाक कितलो तरी वोगोत नुस्त्याक जपून राविल्या बक्याभशेन आपली खाल नदर जोखून पळेंतालें. शापूच्या नदरेंतल्यान वोंवळाची ती नदर तरो कित्याक चुकतली ? शापू जरूय गोरे कातीचो मनीस आसलो तरूय तो हेरां परस वेगळो नासलो तरूय कोणाचे तरी कसले तरी भिडेन ताणें आजूनमेरेन वोंवळाच्या नदरेक नदर मोखून मूळ खणपाचो यत्न केन्ना केलोना. शापूच्या मनांत तशें जायतें

कितें खोदळयले पुण त्या खोदुळ चितपाचो हुंवार येवचे पयलींच शापूली मडगांवचे मधु कामतीचे चलयेंलागीं सोयरीक जुळून आयली, आनी आंगा-तल्या, शिरंतल्या आयिल्ल्या हुंवाराक हक्काची वाट मेळ्ळी.

शापूचे लग्न जायत पासून वोंवळान केशवाक पळोवपाक सुरवात केली. आणि इल्लें इल्लें जाळें विणून ताणें कोनशाच्या पेटान्याभशेन केशवाच्या काळजाचेर आपल्या तन्न्या आंगलटान रोयण बांदली. वोंवळ आनी केशव दोगांय वांगडाच कुळागार शिपूंक लागलीं. केशवाक माडयेंच्या मूळांत दवरून वोंवळ मिरयेवेलीचेर मिरयां काडपाक चडूक लागलें. केशवाच्या कल्ल्याचेर आपलें कल्लें मारूंक लागलें. हांसता-हांसता केशवाचेर ताणें पाटातलें उदकूय मारूंक वेळ केलो ना.

आनी शापूची खबर सांगना-सांगता वोंवळान केशवाचें चित्त आपलें-वटेन ओडून हाडपाक हिकमत केली. ' शापूबाब खंय न्हिदता जाणां ? ' केशवाक पळेत वोंवळान गालभर हांसो भरून विचाल्ले.

' खंय न्हिदता ? '

' सकले कुडींत ! '

' आनी मिराबाय ? '

' पिसो, सामकोच मरे तूं ? '

' कित्याक ? '

' मिराबाय खंय न्हिदता तें खबर ना ? '

' म्हाका कशें कळचें, हांव आपलो म्हाजो गोठो कांय हांव, हायें कित्याक पळेलां तें ? '

' पळोव ना ? '

' तुज्यान तर ना. '

' ये केशव, मिराबाय खंय न्हिदता तें हांव जाणां. '

' तूं जाणां, खंय न्हिदता ? '

' तूं पळेतलो ? '

' इशी, मिराबायन म्हाका पळेल्यार तें कितें म्हण्टलें ? '

' तेका कित्याक नदरेक पडूंक जाय तर ? '

' मागीर कशें पळवप ? '

' केशव, रातीचो सरे गोठ्याचे दार काडून फुडल्या आंगणात यो. '

' केन्नां ? '

' आयज सगळीं न्हिदतकूच. '

' मागीर खंय वचप ? '

'तें तेन्नां सांगता.'

'तूं येतलें ?'

'हांव येतलें म्हणून तर तुका आपयता न्हु रे.' —अशे म्हणून वोंवळान कापडाच्या पदरान कपलाक आयिल्लो घाम पुशीत केशवाच्या काळजाचेर पयलेच खेप चिरपूट माल्ले.

तीस वर्साचो केशव म्हळचार मातये गुळो कसो, उलोंवक येता आनी मरसर काम करूंक येता म्हण ताका मनीस म्हणपाचो. शापून कितली चेडवां ताका दाखोवंक हाडलो. तितल्यांनी केशवाचीं मेंगेपणा पळोवन तोंडां परतीलीं, आनी निमाणेंकडेन शापून केशवाचें लग्नाचें सोडून दिलें. केशव खंयचो, कोणालो, हे कोणांकच केन्नांच खबर नाशिल्लें. एक दिस सकाळीफुडें पांच–स वर्साचो पोर हातात बडी घेवन शापूच्या बापाय म्हन्यात उबो जावंन 'भाटकारा म्हाका गोरवा राखपाक दवर' अशें म्हण दोनूय हांत जोडून मागणें करूंक लागलो तेन्नां शापूच्या बापायन ताका तागेर दवरून घेतलो. आपले जांणेंतली पंचवीस वर्सां शापूल्या घराचो शेण कोयर भरपाक केशवान झरयलो. आनी ताका लागून केशव शापूल्या फामीलातलोच जावंन गेलो. केशवाक एकूच खबर आशिल्लें ते म्हळयार मरसर काम करप आनीं कूबयाचें जेवप; भरपूर पोटाक मेळ्ळ्यार केशव खोशी केशवाक आनी कांयच नाका आसलें. तरूय शापून ताजें लग्नाची तयारी करपाचो यत्न केल्लो. पुणून जमलेना.

आयज वोंवळान केशवाच्या मेंग्यापणाचो, भोळेपणाचो फायदो घेवपाचो थारावन केशवाक मिराबायची कुड दाखवपाचे निमित्त केले, खरें म्हळयार शापूचें लग्न जायतपासून वोंवळाक तळमळें लागिल्लें. आनी रातभर कुशी परतीताना अचकीत केशव दोळ्यामुखार आयिल्लो. कसोय जायना तो ताचो देह आसा कांय ना, धडधाकट कुडीचो आपणे कित्याक फायदो घेवचो न्हंय असो विचार करून वोंवळान दुसरें दिसाच्यान केशवाच्या गोट्यावटेन शेण भरपाच्या निमतान आपली पावलां उडयिल्ली.

गोरवांचीं दांवी सोडटना वोंवळ केशवाक घस्टून वचूंक लागलें. पुणून बावड्या केशवाक मात कांयच समजलेंना. इतलो भोळो केशव मोन्यानी गोरवांक सोडोवन दोंगरार चरवाक व्हरतालो, नाच जाल्यार कुळागारांत येवपी मांकडांक धावणावपाक, मेल्ल्या माकडाक पुरपाक केशव धन्यताय मानतालो.

आयज लेगीत मिराबाय वा शापूबाब खंय न्हिदतात ते आमकां कित्याक असो प्रश्न ताणें वोंवळाक केलोना. वोंवळान सांगचें आनी केशवान हय म्हणचें अशेंच आतां आतां घडूंक लागलें आनी केशवाचो हयकार घेंवनूच वोंवळान कुळागार सोडलें.

□ □ □

शापूचो बदल जाला हे कुळागारांत येवपी माकडाक लेगीत कळ्ळें. जो शापू मोटवे चेड्डेन कुळागारांत भोवतालो तो शापू आता लांब पिजाम घालून आनी खांद्यार आर्म मारून कुळागारांत भोवता ते माकडाच्या नदरे-तल्यान कशेंच सुटलें ना, मिरान सांगत पासून शापू चड करून नाका तेन्नां माकडाचेर आर्म जोकी नाशिल्लो.

शापूच्या लग्नाचेपयली रातीपासून ते आजमेरेत शापून कुळागारांत काय माकडाचो जीव घेतलो ना. आर्म खांद्यार मारिल्लें हातात केन्नां घेतलेना, आनी घरा वतकच आर्म कुळागारांत घेवन गेल्लों हे मिराक कळूंक दिलें ना.

चार दोंगूल्ल्याच्या मूळसाकडच्या ह्या शापूल्या घरा भोंवतणी माड-माडयांचे आनी सुकण्या पाखरांचे जागेबगर जीतो मूस नाशिल्लो. कसल्याय आकांताक धांवून येवपी शेजारी–पाजारी नाशिल्लो. मडगांवसारख्या गज-बजलेल्या शारांच्या रस्त्यान भोवपी मिराक आपलें लग्न करून दिल्लें घर म्हळयार आग्वादचें बंदखणी परस भिरांकुळ दिसूक लागलें. झाडां-पेडांच्या सावटाक लागून आडवी–तिरपी सुर्या किर्णां लेगीत धा वरांमेरेन तांच्या घरा पाक्यांर पड नाशिल्ल्यान सुर्यांच्या पोंदा रावूनय चकचकीत अजवाड मिराच्या घरांत पड नाशिल्लो. आंगणाक तेकून आशिल्ल्या माळयेवल्या कुडीत मात्सो चड उजवाड पडिल्ल्यान मिरा वोलतेर ना जाल्यार कदेल घालून तें कुडीत बसून पुस्तकां वाची.घरांत जरी भरपूर उजवाड पड नाशिल्लो तरूय शारांच्यो किळांची आयकून भेरेल्या ताच्या कानांक आनी मनांक कुळागारांतल्या शांततायेन थंडसानीचें आचवण दिल्लें. जळी–मळी सगळो वाठार शांत आशिल्ल्यान मिराक कुळागारांतयो वाठार दिशी–दिशी मानवपाक लागलो मिरान अजून सगळे कुळागार भोंवून पळोंवक नाशिल्लें कुळागारांत पासय मारूंक जाय हें येवजून मिरान जायते खेपो पायांत व्हांणो लेगीत चडयील्लो. पुणून आज आसू फाल्या वच्चें अशें चितून ताणें भायल्यो व्हाणो पायांतल्यो काडील्ल्यो.

आपणे सांगत पासून आपल्या घरकारान माकडाक मारपाचें बंद केला ते पळोवन मिराक बरें दिसलें. मिरा शापूचेर मन ओतून मोग करूंक लागलें, शापूच्यो आवडी निवडी जाणून घेंवंक लागलें आनी शापूच्या आवडीक जाय तशें जेंवण–खांण करूक लागले. मिराच्या आनी शापूच्या लग्नाक म्हयने जाले. अज्रूनमेरेन शापून एकाय माकडाक मारू नाशिल्लो. आनी एक दीस रातचें मिरान तो गजाल शापूच्या कानांत ओतली.

'आयकला ?'

'कितें तें ?'

'हं ... हं ...'

'सांग मगो ?'

'बरी गजाल !'

'कसली ?'

'लग्नाचें पयलें राती तुवें म्हाका कसलो प्रश्न केल्लो याद आसा ?'

'घांण खंयच्यान येता काय म्हण प्रश्न केल्लो न्हय ?'

'हं ... श्शी, तें माकडाचे घांणीचो उगडास कित्याक केलो तुवें याद केल्यार लेगीत आंगार कांटो फुलता. हळशीक ! सगळें सोडून माकडाची याद केली.

'मागीर सांग मगो तर, म्हाका याद जायना.'

'सारखी याद करून पळय, तुवें म्हाका एक बोरो प्रश्न केल्लो'

'आं ... याद जाली; हांवें तुका' आनी शापू थप्प जालो, ताका खरो याद जाली ना, याद जाल्ल्याभशेन त का खंयचो तरी प्रश्न खीणभर दिसलो. पुणून खिणात तो विसल्लो आनी ताणें कांकूटेक येवंन मिराक म्हळें.

'ना बाये तूंच सांग, खऱ्यांनीच याद जायना.'

'हांव सांगू ?'

'हय, सांग.'

'तुवें म्हाका विचारिल्लें आमच्यामदलो–तिसरो–मनीस कोण जाय काय म्हण.'

'हय गो ... यादूच ना, मागीर आजशी तुका त्या प्रश्नाची यादशीं जाली ?'

'तशेंच कारण जालें ?'

'म्हाका सांगपाचें ना ?'

'व्वा, तुका सांगपाखातीरूच तर उगडास केला न्हय ?'

'आता सांग तुका कोण जाय ?'

'तुका कोण जाय हो प्रश्न करच्यापयली खबर कितें ती सांग.'

अशें म्हणत शापून मिराक आपलें वेंगेत ओडून घेतलें आनी आपले ओंठ ताच्या ओंठार घट्ट दाबलें.

'इशी सोड पळोवया.'

'ना ... सांग पयलें.'

'सांगता, सोड म्हाका.' अशें म्हणून मिरान आपलें तोंड शापूच्या तोंडा-कडच्यान कुशीक काडलें आनी ल्हवूच शापूच्या कानाक ती खबर सांगली

'म्हजी पाळी बंद जाली.'

'खरेंच ? खरेंच मिरा ?

'हय,' अशें म्हणून मिरानूय शापक आपलें वेंगेत ओडलो आनी शापूच्या उकत्या हड्डयार आपली तकली दवरून शापूच्या हड्डयाच्या केसांचेर ल्हवूच बोटां भोवणायलीं.

'मिरा, आता सांगपाक हरकत ना ?'

'कितें तें ?'

'कोण जाय ना, चलो काय चली ?'

'म्हाका चलो जाय.'

'म्हाका चली जाय.'

'ना, म्हाका चलो जाय न्हय.'

'ना म्हाका चली जाय न्हय ?' आनी शापूचो आवाज मोठो जालो तो पळोवन मिरान शापूच्या तोंडार पच्च करून हात धल्लो आनी म्हळें

'केदयान उलयता, भायल्यान कोणूय आयकत जाल्यार ?'

'येदें रातीचो भायल्यान आमच्यो खबरो आयकूपाक कोण कित्याक येतलो ? आनी आयलोय जाल्यार आमकां घोव-बायलाक भय आसा काय कितें ?'

'हांव म्हंटाले म्हाका चलो जाय म्हण.'

'कोणालें खरें जातलें तें पळोवया ? ?

'पळोवया, पयलो तो दिवो पालय.'

'काळखांत पळोया ?'

'नाका, दिव्याच्या उजवाडात बरें.'

'कितें करप ?'

'आं ... सांगता, आयडिया, आमी हे जनेल उघडप आनी मळबांत पळवप.'

'आनी मळबांत कितें नकेत्रां कितली आसात तें सांगप ?'

'मळबातली नकेत्रां मेजपाक तुज्या कट्टूलांत आसा काय कितें ?'

'मागीर जनेल उघडून मळबात कित्याक पळोवपाचें ?'

'मळबांत आमकां चंद्र दिसतोलो काय ना ते सांगप.'

'आवय, हो किते पोरखेळ. आज पुनव जावपाची आसा मळबांत चंद्र आसतोलोच.'

'मळबांत चंद्र आसतोलो. पुणून तो आमकां जनेलातल्यान मळबांत दिसतलो काय ना सांगप ' मिरान शापूक आपली येवजण सांगली. आनी ते बाज्जेवयल्यान उठलें आनी शापूकय हाताक धरून ओडलो.

'यो –'

'आगो पुण सारखें सांग मगो. शापून आपल्या सदळ जाल्ल्या लेंग्राची गांठ करीत म्हळें आनी तो बाज्जेवयल्यान देवलो आनी मिराचो हात हातांत तसोच धरून जनेलाकडे आयलो.'

'जनेल उघडून कितें करपाचें ?' शापून गोंधळून विचाल्लें तशें मिरा हासलें.

'जनेल उघडनाफुडें मळबांत आमकां चंद्र दिसतोलो कांय ना सांग जर' तुवें दिसतलो सांगलें आणि तुज्या म्हण्ण्याप्रमाणे चंद्र आमकां हांगच्यान दिसलो जाल्यार आमगेर तिसरो मनीस जो येतलो तो तुज्या मनातलो.'

'आनी मळबांत चंद्र नासल्यार ?'

'म्हाका जाय तो मनीस येतलो.'

'बरें, आता चल तर उघड जनेल.'

आनी मिरान जनेलाची खिळी काडून जनेल उक्तें केलें. आनी दोघानीय मळबांत पळयलें, आनी मिरा खळखळून हांसलें.

'हांव जिकलें. मळबांत चंद्र दिसना.'

'पुणून मळबांत खंय तरी चंद्र आसा.'

'आसा पुण आमच्या कोंत्राजाप्रमाणे तो ह्या जनेलातल्यांन दिसना न्हय ?'

'म्हणजे तूं जिकलें.'

'हय !'

'आमगेर चलो जातलो तर ?'

'अर्थात, म्हजी इत्सा ती.'

'ये ... नांव कितें दवरप ?' शापून मिराच्या केसानी आपलें तोंड घुस्पयत विचाल्लें.

'नांव दवरच्या पयली पाळणें बांदचें पट्टा न्हय ?'

'आनी पाळणें बांदच्यापयली बाळ जावचो पट्टा न्हय ?'

शापून परत मिराक कुचोवपाक म्हळें.

पुणून शारातलें पाणी पिऊन मिरा शापूक थोडेंच बदपी. ताणे रोकडेंच हळूच म्हळें.

'आनी बाळ जावच्याखातीर' – आनी हांगा मात तें शारातलें जावनूय फुडली उतरां उलोवपाक बायलांच्या सभावाचेर गेलें. ताणे तकली सकल

घाली आनी लजेच्या झाडासारखें ममूरख्यानीच हांसत लजलें. शापून मिराची फकणां करपाची संद सोडली ना. मिराक कितें म्हणूक जाय तें शापूक बरें कळिल्लें तरी लेगीत शापून मिराक लागी ओडीत विचाल्लें.

'सांग, बाळ जावच्याखातीर कितें करचें पट्टा ?'

'चल थंयचो, मिरान शापूक पयस धुकलूपाचो नकरो केलो. पुणून शापून मिराक घट्ट धल्लें.'

'सांग मगो, लजता कित्याक आतां. स्वताक व्हडले म्हूंटा न्हय तूं शारांतलें !' मिराक शाराचो थोमणो मारतकूच सामको चिमटो येतालो आनी तेन्नां ताचो तो सारी नेट सामको उमळून येतालो. आताय तशेंच जालें. शापून ताजी शारपणां काडिल्ली. मिराक चाळवोपाक. मिरान शापूच्या हाताक धल्लो आनी ओडलो.

'कित्याक ओडट्टा म्हाका ?' शापून न समजून विचाल्लें.

'यो-बाळ जावच्या पयली कितें करुंक जाय तें दाखयता.' आनी मिरान शापूक बाज्जेर ओडून व्हेलो आनी आपल्या आंगार ओडून घेवन एका हातान दिवो पाऱ्यलो

□ □ □

'वोंवळ ?'

'कितें बाबा ?'

'केशव खंय आसा ?'

'म्हाका खबर ना. पळोव खंय आसा तो ?'

'पळय आनी आसल्यार ताका सांग वयले चिचेंची चिंचेबोटा घेवन यो म्हण. आनी तू सकल पाणगेर वचून राजावाळें घेवन यो.' वोंवळाक सांगून शापू घरांत वचपाक वोंवळाचो परतो प्रश्न शापूच्या कानार पडलो.

'शापूबाब बायेक दुवाळें काय कितें ?' वोंवळाच्या हया प्रश्नान शापू मात्सो काचवेलोच. कारण वोंवळ शापूक केन्नां परतो प्रश्न करीनाशिल्लें.

शापून फाटी वळून वोंवळाचेर नदर मोखली. तांबडें कापड न्हेसिल्लें वोंवळ बाडकुळे आंगलटाचे आशिल्ल्यान वोंवळाचो देह म्हळ्यार हाण्याची तांब्या मडकी कशी. आंगातलो पोलको तर वोंवळाक पाव नाशिल्लो. कितलीय लिपयल्यार ओमत्या कळसुलेच्या आकारा येदीं वोंवळाची थानां लिप नाशिल्ली. पायांच्यो पोवट्यो केळीचे गोबे कशे आनी माथ्याचो केसांआंबाडो सवणाचो घोटीर कसो माथेभर दिसतालो. ह्या आंबड्यात आबोलेची ना जाल्यार शेवतीचीं फुलां केन्नां फाल्त नासली. खांवचीपान खावन रंगयिल्लें वोंवळाचे तांबडेच ओंठ आनी दोळ्यातलें काजळ वोंवळाच्या काळ्या सावळ्या तुरेक सजून दिसतालें.

शापून वोंवळाक पयलेंच खेप धाडसान वयर ते सकल मेरेन पळोवन घेतलें. शापू आपणाक पळेत रावला ते पळोवन वोंवळ काचवेले. ताका दिसलें, बायक दुवाळे लागल्यात ते विचाल्लें, शापूक राग आयला जातलो म्हण. वोंवळ भिलें आनी ताणें काकूळटेक येवंन शापूक म्हळें

'शापूबाब चूक जाली, रागार जावं नाका.'

वोंवळाच्या ह्या परत्या उतरान शापूचो तंद्री भंगलो आनी तो भानार आयलो.

'कितें ? कसली चूक ?'

'हायें तुका इचाल्ले न्हु ?'

'विचारपाचेंच मगो, ते कितें लिपोवन दवरूपाचें तर ?'

आनी शापून अशें म्हणना फुडें बावड्या वोंवळाच्या मनांतयलें मनाचें वझें कमी जालें. ताणें हलकोच उस्कारो सोडलो. पुणून तें वितूक पडलें. शापू आपल्याकडे असो नदर लावन कित्याक पळेतालो, आनी ताणें परत शापूक पळेलो. शापून खीणभर ताका परत पळेलें आनी जमनीर नदर मारून तो परतून घरांत वचपाक गेलो.

वोंवळ, शापूचे आकृतीक फाटल्यान पळेत गालांत-गालात आपल्या भितरूच हासलें पूण करून वोंवळान तोंडभर साठलेली खावची पानाची पीक भायर माल्ली आनी केशवाक शापून चिंचो हाडूक सांगिल्ला रकाद दिवपाक तें गोटयावटेन चलूक लागलें.

° ° °

केशव चिंचेर चडलो आनी चिंचेचो खांदो नेटान हालयलो. हाताक मेळटात ती बोटां काडून काश्टेच्या ओंटयेत घाली आनी हुमलां फाफडीत केशव चिंचेवयलो देवलो.

'हुमलां खाली ?' केसवाक देवता देवताच वोंवळान विचाल्लें.

‘ तूं कित्याक हांगा येयलां, तूं राजवाळें हाडूक गेल्लें न्हु गो ? ’

‘ राजवाळें हाडून मिराबायक केन्नां दिले, तुजी चिंचेबोटां मात आजून काडून जायना ! ’

‘ तुका कितें तर बाये, हे चिंचेर चडपाची माणसूकी ना. खांधया खांधयानी हुमलां भल्ल्यांत आनी परत केशवान आंग झडपिले. ’

‘ राव, हांव फाफडीता. ’ अशें म्हण वोंवळ केशवाच्या फाटल्यान आयलें तसो केशव मात्सो मुकार सल्लो.

‘ आरे पळटा कित्याक, खायना तुका हांव. असो उबो राव, फाटीर पळय कितलीं हुमलां चडल्यात ती ! ’

‘ तें राती केल्लें तशें करचें ना मगो ? ’

‘ खयचें राती कितें केल्लें ? ’

‘ याद ना ? त्या दिसा तुयें म्हाका मिराबायची न्हिदपाची कुड दाखयता म्हण काळखांत व्हेलो आनी – ’

‘ पुरो ... पुरो – मात्सो आंगाक तेकल्यार तुजे आंग झल्लें काय कितें रे ? ’

‘ पुण त्या दिसा म्हाका कितेशेंच जालें. ’

‘ कितें जालें, आंगाचे कुडके गेले ? ’

‘ कुडके गेलेना, पुण आंगात मात हुलोप पडलो. ’

‘ आंगात हुलोप पडपाक हांवें कितें तुजेंर मिरसांगाचो पिटो माल्लो काय कातकुल्यो घातल्यो रे ? ’

‘ हुलोप म्हटल्यार तसो न्हू गो, आंगात हुनसाणशी येयली, आनी खरें सांगू तूं वयतकूच म्हाका दिसलें तुवें म्हाका परत तसोच वेंगेत धरचो. ’ बायलेच्या स्पर्शान मनशाच्या आंगात किट पेटवपाची ज्या बायलांक कळाशी खबर आसा त्या बायलामदलें एक वोंवळ, हें वटेन–तें वटेन आंग मोडून, गाल दाखवन वा जिभली तोंडांत भोवणावन दादल्यांक भाळोवपाची हिकमत वोंवळाक बरीच जमिल्ली. आपलें तीस वर्सांचे पिरायेंत सादया–भोळया केशवाक खऱ्या अर्थान केन्नांच बायलेमनशेची हुनसाण कशी आसता ती चाखपाची संद मेळ्ळी ना. वोंवळ वावराडी म्हण शापूचें घरांत भितर सल्लें आनी वोंवळान जशी शापूक खीणभर भूल घाली तशी केशवाकय घाली आनी शापूचे लग्न जाल्ल्या कारणान शापूचें सावज जाळांत पडपाक कुस्तार जातलें म्हण पयली – पयली दोळयाआड केल्ल्या भोळया केशवाचेर शापू लग्न जायतपासून वोंवळान आपली नदर दवल्ली. आनी भोळया केशवाक जे कितें खबर नाशिल्लें तें तें सगळें वोंवळ उकत्या काळजान दिवंक लागलें.

राजावाळें घेबंन वोंवळ केन्नां चिंचेमुळांत पावलें तें वोंवळाकूच समजलेंना. वोंवळाचो तन्नी करकरीत पिराय ताका अस्वस्थ करताली. सारखी न्हिद पडनाशिल्ली, तळमळें लागताले आनी एका दादल्याच्या वेंगेतली सपना आपूण जागेपणी पळेतालें. कोणूय जायना, कसोय जायना भोगूंक मेळचो हे वान्सेन वोंवळान केशवाच्या भोवतणी जाळें विणील्लें. आनी केशव ताज्या जाळचांत दादल्या मनशांच्या सभावानुसार फाव तसो फीट्ट फारवल्लो.

'केशव होच मरे हुलोप, तो पडपाश्चोच. तुका पडलेलो नाका तर ?' केशव वगीच रावलो, ताका कितें म्हणचें तेच समजलें ना. जालें तो उठलो आनी मोन्यानी चिंचेपोंदची चिंचेबोटा पुंजावक लागलो. वोंवळ ताची मोनी भास समजलें आनी मनांतल्या मनात 'बरें आसा आयज राती दाखवया हाका' म्हणून आपूणय बी ताज्या बांगडा चिंचेबोटां पुंजावंक लागले.

° ° °

मिराक दीस गेल्यात ही गजाल शापूल्या सोयऱ्या—दायऱ्याक कळपाक कळाव लागलो ना. मिराक चड त्रास पडचें न्हय, सुशेग मेळचो, कसलीय वस्त उकलदवर करची न्हय, मनांत वायट विचार हाडचें न्हय अशें मिराच्या बापायची चीट मिराक मेळ्ळी.

मिराचो बापूय भुरग्यांचे मानसशस्त्राचो प्राध्यापक आशिल्यान एके गुरवार बायलेन गर्भधारणा, आनी गर्भवाड जातना कशे वागूंक जाय, कितलें खावक जाय, कितें खावंक जाय हे ताका खबर आशिल्लें, आनी आपले धुवेगेर भुरगी जातली ती बरी हिकमती, हुशार, चपळ आनी उंचल्या आय क्यूची जावची अशी ताची इत्सा जाल्ल्यान ताणें मिराक दीस गेल्यात ते आयकून रोकडीच मिराक भुरग्याच्या मानशास्त्राची मूळ तत्वां आनी तांचे फायदे व्यवस्थीत बरोवन धाडले आनी मिराक तशें-तशें वागूंक सांगलें मिरा आपल्या बापायची चीट वाचूक मग्न जाला आसताना शापू कुडीत आयलो.

'बाबाचीं चीट काय कितें ?'

'हय ...'

'कितें बरयलां ?'

'बाबाक दिसता आमगेर भुरगीं जातली ती बरी जावची म्हण, आनी त्याचखातीर ताणें आता ह्या दिसांनी हांवें कशें वागचें, कितें खांवचे, काम करचें काय ना आदी सगळ्या गजालीचेर व्यवस्थीत बरोवन म्हाका चत्राय केल्या.'

‘ हांव वाचू ? ’

‘ वाचूक कितें जालां, तुकाय म्हण कळू नाका ? आनी अशें म्हणून मिरान बापायची चीट शापूच्या हातात दिली शांपू चीट वाचून-वाचून मदीच हंसतालो. मिरा ताचे नुरेवयलें भाव बारीक पळेतालें. आनी चीट वाचता वाचता शापू एकदम थांबलो ताणें कच्च करून आंग काडलें.

‘ कितें जालें ? ’

‘ हें कितें बरयला पळेलां ? ’

‘ कितें, खंय ? ’

‘ हें पळय ...’ अशें म्हणून शापून त्यो चार वळी मिराक दाखयल्यो. मिरा त्यो वळी वाचूंक लागलें.

ताका सांग, तुका चड सुशेग जाय म्हण आनी सदांच त्रास करू नाका म्हण, सव्या म्हयन्यार आमी तुका व्हरूंक येतलीं ती वेगळी गजाल, पुणून म्हजें नदरेन गर्भाची वाड जाता आसताना घोवाक सदांच म्हन्यांत घेवप बरें न्हय. हांव समजता तुका म्हजी सूचक उतरां समजली म्हण. म्हज्या भुरग्यांच्या मानसशास्त्राचो अभ्यास आनी अणभव घेवन हें हांव तुका तुजो बापूय म्हण न्हय तर एक मानसशास्त्राचें गिन्यान आशिल्लो मनीस ह्या नात्यांन बरयता हे मतींत धर. एक बापूय आनी आपले लग्न जाल्ले चलयेक आपल्या घोवाकडेन केन्ना संबंध दवरचो आनी केन्नां ना हे पत्रांतल्यान सांगता ते लेगीत कोणाकूय खूप हासपासारखें, न्हय पिशेपण कशें दिसू येता, खुद्द तुज्या घोवाक लेगीत तशें दिसू येता. आनी शापून चीट कवळ्ळी, ताणें हड्डें भरून उस्कारें सोडले आनी मिराक पळेलें. मिरा ताका पळोवन हांसूक लागलें.

‘ हांसता कित्याक ? ’

‘ काकूट एका मनशाची. ’

‘ कित्या काय म्हंटा, हावें तुज्या बापायचें आदेश पाळचे अशें खंय आसा ?

‘ म्हळचार तूं म्हजेर जबरदस्ती करतोलो ? ’

‘ तशें खंय म्हळां हांवे, पुणून तूं हांसता न्हय ? तुका खोशी जाली. जें कितें म्हाका जाय आसता तें तुका नाका आसता काय कितें ? ’

‘ तशें खंय म्हळा हांवें ? ’

‘ मागीर हांसता कित्याक तर तू ? ’

‘ एकल्याची मात्शी मज्ज्याच करूया म्हळें, राग बरो येता न्हय ? ’

मिरा शापूच्या म्हन्यात गेलें आनी ताज्या हड्ड्यार आपली मान तेकवन ताका घट्ट चिकटून रावलें. शापू वग्गीच रावलो. ताणें कसलोच प्रतीसाद दिलोना. हात उकलून आपल्याक ओडून घेतलो म्हण मिरा रावलें. पुणून

शापून हात मिराच्या गळयांत घालेना. मिरान वयर तकली करून शापूक पळेलें. शापू पाडसाक पळेत येवजूक पडिल्लो.

'कितें येवज़ींता ?'

'आता कशें जातलें म्हजें ?'

'कशें म्हणजें ! तें बापायचे मानसशास्त्र मनाक लावन घेतलां काय कितें ?'

'बापायचें मानसशास्त्र एका अर्थान बरें आसा.'

'तुका मानवता तर ते ?'

हय मिरा, म्हज्या मनांक तुज्या बापायची चिट वाचून एक गजाल पटली. बरीं वायट भुरगीं जावपाक आवयबापूयच कारणीभूत आसतात. तूं जांणा आमच्या घरांत एकलो भुरगो म्हण बरें मतीचो हुशार असो जायना. भाऊची सगळीं भुरगीं सामकी बोणीं. आज त्यो येदचो घोडयो पांचवेक सवेक शिकतात, तर तांचे बरोबरची कॉलेजांत शिकतात. सगळयांच्या मेंदवांत खोबरें भल्लां. भाऊचो चलो विवेक तर कायच शिकना, शिकपाकूच जमना. तूं जाणां आमच्या घरांत मॅट्रीक वयर पाविल्लो एकलोय मनीस ना म्हण. ह्या घराक तो शाप आसूक जाय. ना जाल्यार म्हजें लेगीत शिकप अशें अर्धकुटे कित्याक उरचें ?' शापू इतलो गंभीर जाल्लो मिरान केन्नांच पळोवंक नाशिल्लो. एक सुजाण सुबुद्ध मनशाभशेन, एका विचारवंताभशेन शापू उलयता तें पळोवन मिराक बरें दिसलें, पुणून ताका दुबाव पडलो जो मनीस आपल्याकडेन संबंध येवचोना म्हण पिकार जाल्लो तो बापायचीं उतरां वाचून निराश जाल्लो मनीस असो अकस्मात आपल्यो कामवासना दाबून दवरूपाची इत्सा कशी उक्ती करता ? ताणें शापूच्या मनांचो थाव पळोवपाक म्हळें 'हांव नासल्यार तुका परवडतलें न्हय ?'

'तुज्या बापायचें आयकू नाका !'

'पुणून बापायची चीट वाचून पिकार जाल्लो तूं असो अकस्मात बदल्लो सो ?'

, मिरा, मनशान खंय तरी लगाम घालूक जाय न्हय, सगळयोच गजाली हावणेल्यो म्हण एकदम जर फाव जायना जाल्यार आमी आमच्याच बऱ्या-खातीर आमच्या भावनाकडे, इच्छाकडे, वासनाकडे भागोवन घेवंक जाय, अशें तुका दिसना ? फाव ती विश्रांती घेवन बऱ्या वातावरणान, बऱ्या विचारान सुशेकादीच्या परिणामान गर्भाची वाड बरी जावन आमचें पयलें भुरगें बरें जातलें अशी तुजी, तुज्या बापायची आनी म्हजीय बी इत्सा आशिल्यान आमी थोडो काळ तुज्या बापायच्या मानसशास्त्रानुसार कित्याक वलचें न्हय ?'

मिराक शापूची उतरां आयकून अजाप जालें. शापू जरूय चड शिकूनाशिल्लो तरूय वेळ पडल्यार तो जाय तसो, जाय ते वेळार बरो उलोवंक जाणां म्हणपाचें मिराक कळ्ळें आनी मागीर शापूकडे परते आनी त्या, संबंधान उलवचे न्हय, ताची इत्सा आसल्यार आपणें आपलीच इत्सा मारून बापायच्या सांगण्यानुसार कित्याक वागचें न्हय? आनी मनांत हो प्रस्न येनाफुडे ताणें शापूक पळेलो. शापूची नदर मिराच्या नुरेचेर माणून आशिल्ली. मिराच्या नुरेवयलो भाव वाचपाचो यत्न ताणें केलो. मिराच्या मनांत नेमकें हचा वेळार कितें घोळटा जातलें हाचो तो अदमास बांदूक लागलो. आनी येवज़ीता येवज़ीता दोघानीय एकाच खिणां एकामेकांक पळेली.

'कितें येवजीता, आजून पटना? —' मिरान विचाल्लें.

'पट्टा. पुणून तुका त्रास दिवप ना, सुसेग दिवप हें म्हणें म्हाका पटना. म्हज्या मानसशास्त्री मावान दादले म्हळचार बायलांक त्रास दिवपी, बायलांच्या इत्सेविरुद्ध वागपी, बायलांच्या भावनाची कदर न करपी असोच कितें तरी समज करून घेवंन तो बायल-दादल्याच्या संबंदाकडे पळेता सो दिसता. म्हाका सांग जशी दादल्याक पोटाची भूक लागता तशी बायलाक लागता. दादल्याक जे जे कितें सैमाच्या नेमानुसार जाय नाका पट्टा, तितलेंय बायलांकूय जाय पट्टा. दोघाचीय गरच एकूच, दादल्याक आपली कुडीची भूक लागता तशी बायलेकूय लागता. मागीर दादल्यापासून बायलांक त्रास जातात, ताणी सुशेग घेवंक जाय. बायलानी दादल्यापासून पयस रावू जाय अशें म्हण्टकूच दादलो हो एक रानटी जनावर कशें तुजो बापूय आपल्या मानसशास्त्रात दाखोवपाचो प्रयत्न करता अशें तुका दिसना?'

'तुज्यामुकार उलोवपाची माणसूकी ना. तूं वच आनी बाबाक विचार हें प्रस्न आनी पळय खंयची आनी कशी जाप दिता तो.'

'आगो, पुण तूं इतलें गंभीर कित्याक? हांव सहज उलयता, उलोवंक जाय म्हण, मनातलो दुबाव. इतलें मनाक लावन घेवपाचें न्हय.

'मनांक जर लावंक घेवपाचे न्हय जाल्यार तुवें म्हाका हात कित्याक लायलोना? म्हाका वेंगेत कित्याक घेतलें ना? सदांच हांव म्हऱ्यांत आसल्यार तूं म्हाका ओडून घेता, आपलें हडुचार म्हजी तकली दवरून पोशेता, म्हज्या केसांनी तोंड घालून केसांचो वास घेता. आनी आता हांव तुजेसरी येवन तुज्या हडुचार तकलो तेकोवन दवरल्यार लेगीत तुवें म्हाका कित्याक ओडून लागी घेतलेना? कित्याक म्हज्या केसांनी हात भोवणायलोना?' मिराच्या दोळ्यां कडो वोल्यो जाल्यो, ताणे पातळाचो पदर ल्हवूंच हातात घेवंन दोळें पुसलें. शापूक ताचे हे करणेचो हासो आयलो. पुणून शापूकय आपणें मिराक सदाभशेंन वागयले ना हाची जाणीव जाली. आनी मिराक बेठोच आपलो भलतोच दुबाव येवचो न्हय म्हण ताणें उठून हाताक धरून बाज्जेर व्हरून बसयलें. आपूण ताच्या म्हऱ्यांत बसलो आनी ताचें तोंड आपलेंवटेन ओडून ताज्या ओंठार ओंठ दवल्लें.

‘ राग गेलो ? ’ शापून हांसत विच्चालें. तरूय मिरा वग्गी रावलें. दुकांनी दादल्याचे काळीज, लोणी वतांत विरघळटा तशें रोकडेच विरघळटा म्हणपाचें मिराक खबर आशिल्लें.

‘ ए ... राग ... गेलो ? ’ शापून परत विचाल्लें.

‘ हं ... हं ... म्हाका घट्ट धर . ’

‘ रात ना आता. ’

‘ रातची गरज कित्याक ? हांव तुजी बायल, हक्काची बायल ! ’ मिराक नेमके कितें म्हणूक जाय तें शापूक कळ्ळे. ताणें मिराक बाज्जेर आडवे घालून आपूण उठलो आनी कुडीचें दार धापून खिळी घाली, जनेल बंद केलें आनी मिरा म्हऱ्यांत आडवो जालो.

□ □ □

चौघुडचार बडी पडली आनी चौघुडचा घुडावयल्या कुरकुटांतलें पारवे आंग काडून भियेत पाखां फाफडीत कुरकुटातल्यांन भायर सल्ले आनी अस्तमतेक उडाण केलें.

‘ अकरा जाली ! ’ शापून म्हळें, आनी मिरान पाटावयलें तांदूळ सुपांत ओतले, सूप फाफडिलें आनी तें उठलें

‘ मिरा सांगल्यार कळना तुका ? वोंवळाक तांदुळ वेंचूक सांगपाचे न्हय ? जीवाक कास्तीक कित्याक घेता ? ’

‘ कसली आयली हातूत कास्तीक ? ल्हान ल्हान कामां केली म्हण कांयच जायना ’

‘ हांव नकळो, तुका सांगल्यार समजना. ’ शापू जाग्यावयलो उठलो आनी भायल्या पडवेंत आयलो. मिरा तपल्यांत तांदूळ घालूक रांदचें कुडीत गेलें.

शापून राजांगणांपयल्यान आशिल्ल्या जनेलांतल्यान भायल्यान नदर माल्ली. खांद्यार कल्लें मारून केशव बेगी-बेगी धांवत येतालो. केशवाक नेटान येता तो पळोवन शापूक मात्शें अजाप जालें. केशव केन्नां झेतार असो नेटान चलिल्लो शापून केन्नांच पळोवंक नाशिल्लो. नक्कीच कितें तरी केशवाचें नदरेन बरेंच महत्वाचें घडलां जांवक जाय अशें येवजून शापू भायल्यान आयलो आनी ताणें धापेत येवपी केशवाक विचाल्लें.

‘ केशव कितें जाला रे ? ’

‘ बाव, कुळागारांत माकडांचे भिरे येयलां. ’ केशवान खंयच्या देशाचें सिमेर दुस्मनाचे झुजारी येतकच कोणेंय झुंजारो मनश्यान आपल्या वयल्या अधिकाऱ्याक कळोवचें तशें नेटान सांगले. माकडाचें भिरें कुळागारांत येवप

म्हळ्यार शापू शणैच्या फामीलाचेर कोणें तरी हल्लो करप अशीच आज-मेरेनची दर एकाची समजूत जाल्यान शापूनय केशवाची खबर तितल्याच तिडकीन आयकली आनी ताणें आपलें दांत-ओंठ चाबलें ताच्या आंगात अवसर आयील्यावरी माकडाचो सात्वीक संताप पेटून आयलो आनी सगळें विसरून तो चणचणीत भितर आपलें कुडींत गेलो, आर्मांक हात घालो, कपाटाभायर सरपाक मिरान ताचे ते रुप पळोवन ताका साद घालो.

'आर्म घेवन खंय वता ?'

'कुळागारात !'

'कित्या ?'

'माकडांचे भिरें कुळागार पाड घालतले.'

'माकड ... माकडांचे भिरें !' मिराच्या काळजांत लग्नाचें पयली राती जी धडक भरिल्ली तशी भिरांत घर करताली ती भिरांत आज परत ताका जाणवली, ताच्या काळजांत धस्स जालें, काळजाची धडधड चडली आनी ताणें नर्वसाणीन शापूक उलो मारलो, 'तुवें म्हाका सांगिल्लें माकडाक मारचो ना म्हण.'

'हय, पुणून कुळागार पाड घालू ?' शापूच्या आवाजात आगटाचो धग आशिल्लो, सदाची ताची मूर्वतीची उतरां आनी आयची धडकीची उतरां मिराक जाणवली. तरूय मिरान ताका समजावपाचो यत्न केलो.

'पळय माकडांची हत्त्या बरी न्हय.'

'मागीर सगळचो केळीं खांवदी तांका.'

'तांका धांवणांवक येता न्हय, जीवें मारुकच जाय काय कितें ?'

'म्हाका पटना, धांवणांवन धांवणांवन कितले खेपो धांवणायतलो. तांचे भिरें परत परत येतलें, आनी तांका धांवणावपाक चार-पांच मानांय कुळागारांत दवरचें पडलें.'

पडू. पुणून माकडांची हत्त्या नाका.'

'मिरा, कसली पिशांपणां घेवंन बसला तू ? आमच्या घरांत माकडांचे हत्त्येक कोणेंच विरोध केलो ना. फकत तुकाच तांच्या मरणांची काकूट येता.'

'मोनजातीक मारून आमी आमचोच हांगा जगपाचो हक्क आशिल्ल्यावरी वागतात अशें दिसना तुका ?'

'अर्थात, जनावरां ती, तांका कितें मत आसा ? आनी संवसराचो न्यायूच तो, व्हड जीवान ल्हान जीवाच्या मालवजार जगपाचे. तुका खबर ना मोठें नुस्ते ल्हान नुस्त्याक खातां म्हण ?'

'मनशाक आनी जनावरांक समान वेगळें दाखवपाक मनशाक मेंदू दिला. मत दिल्या, चितप दिलां, बरें वायट पारखूपाची तांक दिल्या ती उजार

करी नासतना जर अुल्लो तर मनशां आनी जनावरां ह्याच्यामदी फरक तो कसलो उल्लो ? '

'मिरा, म्हाका तुजी तत्वगिन्याना नाकात. आमी आमच्या पोटाच्यो खिळग्यो त्या कुळागारांच्या नाड्यार भरतात, त्या कुळागारांत आमी घाम ओतून पिक काडटात, पैसो खर्चीतात, तो किते त्या माकडांच्या जीवाक पोसूक ? तुवें इतलें मोव काळजाचें जांवक फावना, तुका ही सवय करून घेवंक जाय, हे आताचें न्हय, आमच्या परंपरेचीही करणी, ती वायट काय बरी हो विचार करपाक कोणेंच आपलो वेळ पेडुयार केलो ना. आयज तूं मात हया घरांत येवंन आमचें परंपरेत बादा हाडटा '

'कसली परंपरा घेवंन बसल्यात ? निष्पाप जीवाची हत्या तुमच्या भाटा-बेसां खातीर करप ही परंपरा जाली ? तरूय बरें हया घरांत शेण खावपाची परंपरा ना म्हण ! ' मिराची नुरा रागीश्ट पळोवन शापूल्या कपलाक मिरयो पडल्यो तरूय ताचो निश्चय कसोच असो-तसो पयस जावंक नाशिल्लो.

'मिरा, तुजी चितपां निदान हया खिणां तरी आयकूपाची इत्सा ना, हांव वता. माकडांनी केळी मोडून सगळे पाड केला जातलें. ' अशें म्हण शापू भायर वचपाक लागलो, तेन्नां मिरा ताच्यामुकार आयलें आनी ताका आडोवक लागलें. पुणून शापून ताका एका हातान कडेक काडून आर्म घेवंन तो आंगणात आयलो. आनी केशवाक साद घालो.

'केशव, खोरे कुदळ घेवंन यो, माकडांक पुरूंक जाय. '

'बरें बाब, ' केशवान म्हळें.

मिराच्या काळजांत भिरांत आंगभर पसरली, ताका हात पांय गळून पडिल्याचें दिसूक लागलें, ताणें राजांगणातल्या पडवे खांब्याचो आधार धरून तोल सांबाळ्ळो आनी जनेलांतल्यान भायल्यान पळेंले. शापू ताच्या नदरेपयस जाल्लो, ताका दिसलें ते फकत कुळागार !

'माकडांचें हत्येचें पातक लागल्यार ? '

मिरान ल्हवूच दोळे धापले आनी तें थंयच बसलें. मनभर ना–ना चितपाची ल्हारां वसाडी जावंन ताचें काळजाचे धडेक आपटूक लागल्यो. वसाडीची कला ताज्यान सोसू नज जाली.

० ० ०

'फाल्या तूं वतलें ? ' शापूच्या उतराक मिरान प्रतिसाद दिलो ना. तें कुडीच्या पाडसाक पळेंत आसलें.

'कितें येवज़ीता ? ' मिरा येवजूक पडलां, आपल्या उलोवण्याचेर ताजें शितीद ना म्हणपाचे शापूक कळ्ळें आनी ताणें मिराच्या मुखामळाचेंर ल्हवूच आपलो हात भोवणावन तोंडार आयिल्लें मिराचें लांब केस हातात पयस केले ताच्या दोळ्याकडाचेर बोटां भोवणावन दुका पुशिल्ल्याभशेन केलें. मिरा आपल्यापासून बांयटेंर जाय म्हणसर पयस उरतलें हाच्या दुःखान मिराक रडूक आयला जातलें अशें समजून शापून ताज्यो दोळ्याकडो पुशिल्ल्यो. तशें पळोवंक गेल्यार मिराच्या दोळ्यांत दुकां नाशिल्लेंच. सुकिल्ल्या पाकळ्यावरी ताज्यो दोळ्यामलप्यो सुकिल्यो.

'अुलोवपाचें ना, निमण्या खिणां ? ' शापून परत विचाल्लें.

'कितें उलवूं, कितें सांगू ? '

'आयज आमची निमाणी रात न्हय ? '

'कसली निमाणी रात ? '

'तूं आनी स म्हयन्यांनी तरी अशें एकठें मेळटले ? '

'कित्याक, तुका जाय जाल्यार तुज्यान मडगांव येवं येना ? '

'तशें न्हय, हांव मडगांवा आयऱ्या पयऱ्यान येतलोच. पुणून थंय असो एकांत खंय मेळटोलो आमका ? '

'कित्याक मेळचो ना ? '

'तुज्या आवगेर कितली मनशां आसात हे सांगपाक अशें म्हणना. पुणून समज तुका वेंगेत घेवपाची म्हाका उमळशीक लागल्यार ! '

'तुका कोण अडयतालो, तुजें हक्काचें बायलेक तूं जर वेंगेत घेना जाल्यार कोणाक घेतलो ? '

'तशें न्हय. घरांत लोक आसतात न्हय, म्हंटकूच मात तरी घरा तांची मुर्वत दवरूक जांय काय ना ? '

'तो तुजो प्रस्न ! '

'देखूनत्र म्हंटा आयज आमी खूब तेपान रात जागोवयां. '

'तुका जाय तशें. हांव कित्याक नाका म्हणू ? '

'आनी तुका नाका ? '

'जाय ... ' आनी मिरान एक हुस्कारो सोडलो.

'कित्याक हुस्केले ? '

'जनेल बंद करशीं ? '

'कोण येता जनेलांत ? '

'कोणाची तरी सावळी दिसना ? '

'पिशें, भास जाला जातलो ! '

'ना. खऱ्यानीच जनेलार कोण बसला ? '

'खंय ? ' शापू उठलो आनी जनेलां म्हऱ्यांत गेलो.

'खंय कोण आसा ? '

'ही ती शेपडी कोणाची ? '

'खंयची शेपडी ? '

'तुज्या पाया पोंदा ! ' पायां पोंदा शेपडी ? शापूक अजाप जालें, ताणें काळखातलो दुबाव नाका म्हण लायट पेटयली.

'खंय ... खंयची आनी कोणाचीं शेपडी ? '

'ना, दिसना. म्हाका दिशील्याभशेन जाले. '

'मनांतलो दुबाब तो काडून उडय. ' शापून लायट पालयली आनी तो मिराच्या म्हऱ्यात आयलो आनी मिराक आपल्या वेंगेत घेतलें. मिराक आंग-भर सासपिलें आनी मिराच्या ओंठार ओंठ दवरून शापून मिराच्या कानांत म्हळें, 'मिरा, तूं जेन्नां परत येतलें तेन्नां कोणांक घेवन येतलें ? '

'पळोवया ! '

'अशें कित्याक म्हंटा तूं ? ' शापूची निराशा जाली. मिरा खोशयेन.

'चल्याक घेवंन येतले ' अशेंच किर्ते तरी म्हंटलें अशी ताची अपेक्षा आसलो, पूण मिरान निर्शेणेची उतरां काडिल्लीं पळोवन 'मिरा कसली तरी खंत घेवंन बसलां जावंक जाय, ना जाल्यार ते आज असो साद कित्याक दिना ? '

'मिरा, तूं आज़ अशें कित्याक वागता ? ' शापून ताका आपलें छातयेर घेत विचाल्लें.

'अशें म्हण कशें ? '

'तूं सदाभशेन वागना. '

'फाल्या वता न्हय ? '

'म्हणून इतलें निराश ? '

'जाय जाल्यार तशेंच किर्ते म्हण. '

'म्हणजे म्हाका समजलोना तुज्या म्हणण्याचो अर्थ '

'साधो, तुवें किर्ते समजप हांतून म्हजें सार आसा

'तूं गुढांत उलयता ! '

'मागीर कशें उलय ? सगळेंच गुढांत चल्ला न्हय हांगा ! ' आनी ह्या उतरांनी मिराच्या काळजांत कसली कालवा-कालव जाताली हाचो अदमास शापूक लागला. पुणून शापू शादूर जालो. मिराकडे आज शारिरीक संबंद येतना वाद घालून मिराक भलत्याच गजालींची याद करून दिवप बरें जावचें ना. शिरंगारांतली मजाच वतली आनी रात पेडुयार जातली. जिवाक त्रास जातले आनी ताचो परिणाम मिराचेर जातलो हे येवजून शापून मिराचें

चित्त वळोंवपाखातीर आपले हात मिराच्या कमराक घालून मिराक आपल्या आंगाचेर ओडून घेतलें.

'मिरा, म्हाका घट्ट धर. मिरा, म्हज्याबद्दल कसलोच गैरसमज मनांत बाळगू नाका. तुजें मायेन, तुज्या आदारान, तुज्या पावलाच्या सावटाक म्हाका म्हजी जीण सारची आसा. आनी तूं अशें निर्शेल्लेशें वागल्यार म्हज्या जिणेतलो रामूच वतलो.'

बायलेच्या सभावाक धरून मिराचें काळीज शापूच्या उतरांनी खिणांत बदल्लें. शापू इतलो भावनावश जावन आयल्याक कुरवाळटा आपल्या भावनाची खीणभर तरी कदर करताना स्वत: गुन्यावकारी जाल्ल्याभशेन गुन्याव भोगसूंवपाक मागता, त्या अर्थी आता ना जाल्यार फुडाराक शापू आपल्या म्हणण्याक मान दितलो अशी मिराक खीणभर जाणीव जाली आनी ताणेय बी आपलें हात शापूच्या गळयांत घालें. शापूक घट्ट वेंग माल्ली. शापूक खोशी जालो, शापूची चितपा एकठांय जावंन ताज्या काळजांत एकच चितप घर करून रावलें. मिराची आनी ताची निमाणी रात वगडावक फावना. ताणें मिराक आवळून आपल्या आंगावयलें बाज्जेर लकयलें आनी मिराच्या हुन्हुनीत भांगार ल्हवूच लंवडलो. मध्यान जाली, मिराक सुस्त न्हिद लागली शापूक मात आजून दोळो लागू नाशिल्लो. काळखातूच ताचें मन नाना चितपांनी घुंवतालें, शापूचो दोळो लागपाक मिरान व्हडल्यान किळांच माल्ली.

'नाका ... नाका ... मारू नाका ... नाका' आनी मिरा वगी पडलें

किळाचें सरशी शापून आंग काडलें. तो सारखो जागो जालो आनी ताणें कुडींत पळेलें लायट पेटयलो आनी मिराक जागयलें.

'मिरा .. मिरा.'

'हं ... !' मिरान दोळें उगडलें.

'मिरा, किळांच कित्याक माल्ली ? भिलें ?'

'सपन पडलें !'

'कसले ?'

'तुवें माकडाक माल्ल्यात तें.'

'हे ! ... माकड ... माकड ... माकड ! मिरा तूं कितें घेवन बसलां ? कसलो पिशांपणां ही ? शिकिल्ले सवरिल्ले चली तू, असली कुड्डेपणा घेवंन सपनेता ?

'आता उलोव नाका, म्हाका न्हीद येता, परत जागोव नाका म्हाका न्हीद वगी.' आनी मिरान न्हिदेखातीर परत दोळे धापले.

शापूकय ताजी न्हिद पेडुचार करीन दिसलीना. ताणेय जळकेंत आपल्या माथ्यावयल्यान चादर ओडली.

□ □ □

'वोंवळ ?'

'कितें बाय ?'

'बाबाक कितेंच कमी पडूक दिवं नाका, रांदचें कुडीतली तुजी कामां हांव नाशिल्ल्यान चड जातली आनी रांदप बरें करून वेळार जेवण जावपाकय जाय. व्यापार जाथजाय तो सांगपाचो, कुळागारांतली कामां केशवाचेर सपोवपाची आनी नवो राखणो काटू गोरवांक घेवन वतलो. दुध काडपाचें काम तुजें, समजलें ?'

'हय बाय, तूं कायच भियोंव नाका, सगळें हांव दचूस्त करता तूं सामके हुस्क्या मेकळें राव.'

'हे घे पांच रुपया.' अशें म्हणून मिराक मडगांव पांवपाक आयील्ल्या वोंवळाक हातातलो नोट दिली आनी खाणाचो डबो वोंवळाकडे दिवंन वोंवळाक भायर धाडलें.

ओसरेर शापू, शापूचे मेवणें, माव आनी हेर शेजारी हाजीर आशिल्ल्यान तांच्या मदल्यान भायर सरूंक वोंवळ घुटमळटा. तें मळोवन मिरा भांयर आयलें आनी मिरान म्हळें.

'बरी करूंन वचात.' मिराच्या आवाजान सगळचानी फाटी वळून पळेलें. शापूनय मिराक पळेलें आनी तो मात्सो हुंबऱ्याभितर सरलो. मिराक दोळेभर पळोवन घेवंन म्हळें.

'येता हांव, बरें करून, चीट बरोवंक विसरू नाका.'

'बरो करून राव, घरातलो सगळी कामां माथ्यार घेवं नाका. चेडो आसा, चेडू आसा तांचेकडचेंन करून घे.' मिरान हक्काच्या उतरानी शापूक सांगलें आनी ताणें शापूच्या दोळयांनी आपली नदर भल्ली.

'बरें तर येता. वोवळ सगळें सामान घेवन मोटरीत घाल.'

'घातलें बाब.'

'चल तर बस, बरें आं येता.' आनी मावोड्यांच्या सगळ्या लोकांचो निरोप घेवन शापू येवंन टॅक्सींत बसलो.

वोंवळ फाटल्या शिटार सामानघेवंन बसलें आनी ड्रायव्हरान गाडी चालू केली. शापून भितल्ल्या हुंबऱ्यार उबें रावंन पळेतल्या मिराक हात हालवन. ओंटार हांसो हाडून निरोप घेतलो.

वोंवळानूय हात हालोवन मिराचो निरोप घेतलो, आनी आपल्याभितरूच गालांत हांसले.

• • •

'बाय कुळारा गेल्यार म्हयनो जालो न्हु बाब ?'

शापू वोल्तेरांत बसून पुस्तक वाचतालो, आनी वोंवळ राजांगणाचे ओसरेर तांदूळ वेंचतालें. वोंव्ळाच्या अनपेक्षीत प्रस्नान शापू अजाप जालो तशें वोंवळ केन्नां आपूण जावन उलोवंक सुरू करो नाशिल्लें. वोंवळाच्या प्रस्नांक आपणें जाप दिवंक ना हाची शापूक जाण जाली. ताणें राजांगणाच्या पयलें वटेन पळेलें. भाऊलीं भुरगीं भितल्ल्या सालांत बोवाळ करतालीं. ताणी शापूक पळेलोना. तरूय शापूची नदर सालातल्यान आपल्या वेगळ्या राविल्ल्या मृत भावाच्या बिराडार गेली. भावाचे बायलेन बी आपणाक पळोंवक ना मू हया भयान ताणें परत जनेलातल्यान भितर पळेलें. भितर दिसा उजवडी लेगीत काळोख आशिल्ल्यान सारखें दिसलेंना.

शापू नाका आसतानाच अस्वस्थ जालो. खरें म्हळ्यार वोंवळाक जाप दिवपाक आनी भितर भावाच्या बिराडाक पळोवपाक कसलोच संबंध नासलो, तरूय ताच्या मनांत नाका तसलो दुबाव आनी भिरांत ल्हवूच तकली दाखोवन गेली.

शापूबाबान आपणांक जाप दीवक ना ते पळोवन वोंवळ मात्सें भिलें आनी ताणें बेगी-बेगीन थंयचे तांदूळ काडून भितर वचपाचे तयारीन तांदळांक मूठ माल्ली ताणें घोंदचें मानेन शापूक पळेलो, आनी त्याच वेळार शापुनय वोंवळाक जाप दिवपाक तोंड वोंवळावटेन केल्लें. दोगांचीय नदर नदरेक आपटली आनी कसली तरी कोट पडलो. नदरांच्या घर्षणान पडिल्ली कोट दोगांकूय जाणावली आनी आपल्या स्वभावानुसार वोंवळान गालात मुरको माल्लोच. धाडसान वोंवळान धीर केलो आनी मुरख्यानींच आपली नदर शापूचेर थीर केली.

शापूक वोंवळ पळेता तें पळोवन लज जाली. ताका कितें करचें तेच समजना जालें, ताणें आपल्या दोळमुकच्यार पुस्तक धल्लें आनी वाचपाचें नाटक केलें.

वोंवळाक खरीचो थाव लागलो. वोंवळ ते, बारा गावचें पाणी पिऊन आयील्लें, शापूत्री नूरा पारखूपाक वेळ लागलो ना. खिणांनीच मळबांत उट्टल्या सुकण्यांची पाखां मेजपाची हिकमत वोंवळाक आशिल्ल्यान शापूच्या मुखामळार कितली, रंगरंगी भावनाची पाखां फडफडली ते पारखूपाक वेळ लागलोना.

वोंवळान तांदूळ वेचून शापू मुकावयल्यान रांदचे कुडीत पाऊल दवल्लें. शापून न्हवूच चोर नदरेंन मुखावयलें पुस्तक पयस करून वोंवळाच्या फाटीक पळेलें. शापूच्या आंगात न कळटा खंयची तरी चमकी शिरशिरून गेली आनी आंगभर ल्हंव फुल्ली !

० ० ०

वोंवळाक तळमळें लागल्यात. वोंवळाक न्हिद पडना, वोंवळाचो दोळो लागना. मध्यान जाल्या आनी शापूच्या पालाशे येदचा राजांगणाच्या व्हड घरांत कोणतरी कुडीचे भुकेन आकुळ-पिकूळ जावंन अकलेक आयलां हे फकत अकलेक आयिल्ल्याकच खबर आशिल्ले.

वोंवळान आपलें जुनेर पयस केलें. आनी शेन्द्रीभर शेन्द्रेर आडवे-तिडवे लोळूक लागलें. वोंवळाच्या उशावयर मध्यान रातीक परवणी लागील्ली आंगातली तन्नी मस्ती रातीच्या थानाकडे खेळटाली. वोंवळ जमनीक तेकून घट्ट उमथें न्हिदलें आनी येवजीता-येवज़ीता ताका केशवाची मूर्त दोळ्यां-मुकार दिसली. वाटकुळोच काळो-सावळो भोळो केशव, ताची रुंदेली छाती आनी तोरंगाच्या आकाराचें मुखामळ वोंवळाक दिसूक लागलें. वोंवळाक केशवची मुर्त इल्ली सामकी जीवी जावंन दोळ्यांक दिसूक लागली. केशवाची वेतभर बोंबलें सकयल बांदिल्ली चेड्डी दिसली आनी वेंतभर चेड्डेचे कल्पनेन वोंवळाचें आंग शिरशिरल्लें; ताज्या आंगात खंयच्यान शक्त आयली कोण जाणां, वोंवळ अकस्मात आंथूणावयलें उठलें आनी आपलें कुडीचें दार वाजयनासतना चोर पावलांनी सकल्या पडवेतल्यान गोठ्या-कडच्या कुडीत वचूक लागलें. काळखांत खंयचेच वस्तूक आपटून आवाज जावचो ना हाची ताणें काळजी घेतली. हुस्कारें दाबून धल्ले आनी वोंवळ केशवाच्या आंथूणासरी पावलें.

केशव सुस्त बरो न्हिदील्लो. दिसाचें काशेंदन, तो न्हिदलो-मेल्लो सारखो जाल्लो. वोंवळान जाग घेतली आनी हळूच केशवाच्या पावलांक स्पर्श केलो. केशवान कसलोच हालचाल केलीना. वोंवळाचें हात पावलांवयल्यान वयर चडूक लागलें. दाबून दवरिल्लें हुस्कार आनी काळजाची धडधड काळखांत ताजो ताकाच आयकूक येवंक लागली, तरूय ताज्या आंगात संचार करून

आयील्लो अदृश्य शक्ती ताका धीर दिताली आनी वोंवळान आपले हात केशवाच्या आंगार सारखे घाले. वोंवळाचे हात जाय थंयच पावले आनी ताणें ल्हवूच आपली तकली केशवाचे छातयेर दवल्ली आनी आपूण आडवें जालें.

केशवान कुस परतिली, केशव जागो जालो ना. वोंवळान जाग घेतलो आनी आपूणूय बी दाये कुशीर जावन केशवाक घट्ट वेंग मार्ली आनी केशवाक जाग आयली.

'कोण ?' केशवान मोठ्यान विचारिनाफुडें वोंवळाच्या काळजांत धडधड भल्ली. ताणें आपलो हात केशवाची फुडली उतरां भायर पडचेंपयली ताच्या तोंडार धल्लो.

'केशव, हांव वोंवळ.' वोंवळान केशवाच्या कानांत फूत–फूतून सांगलें.

'कित्याक येयलां ?'

'केशव ... म्हाका मरें थंय भंय दिसता.'

'कोणाचो ?'

'कोणें तरी भेसडायलें, थंय सरं जालें. हायें आंग काडलें, सगळीं जागीं जायत म्हण हांव ल्हवूच तुजेसरी येयलें. केशव, हांव हांगा न्हिदता.'

'शापूबाबाक कळत जाल्यार.'

'तूं कांयच भिवू नाका. फातंड्डेर हांव आशिल्लें थंय वचूच न्हिदता.'

'खरेंच ?'

'हय, केशव तुका एकटो न्हिदपाक भंय दिसना ?'

'कसलो भंय ?'

'भुताचो, लावलुतांचो, देवचाराचो बी.'

'आमी कितें खालां तेंचे, खालां तेका वचत तें सोदीत.'

अशें म्हण केशवान आंगार पायांकडचें च दर ओडलें.

'हांव हांगाच न्हिदता तुका तेकून.' अशें म्हण वोंवळान केशवाक वेंग घाली, आनी केशवाच्या उकत्या आंगार वोंवळान आपलें हात भोवणायलें आनी केशवाच्यो वासना जागोवपाचो यत्न केलो. केशवाचें दादलेपण आयज तरी आपुण भोगतलेंच असो वोंवळान सामको निश्चय केलो, आनी ताणें आपुण एक बायलमनीस हें विसरून लजभिड नासताना केशवाच्या चेड्डेच्या दोरयेंक चिमटी माल्लो.

'वोंवळ ...'

'केशव, तुका कांयच जायना ?'

'कितें ?'

'म्हाका घट्ट धरीन दिसना ?'

'धरतां,' अशें म्हणून केशवान वोंवळाक घट्ट धल्लें पुणून खिणात ताची वेंग सदळ जाली.

'कितें जालें ? ' वोंवळान अजापान विचाल्लें.

'कांयच कळना.'

आनी वोंवळान फुडाकार घेवंन केशवाचे दादलेपण उचांबळ करपाक नाना–उपाय केले. पुणून केशवाची शक्ती पावलीना. केशव रोकडोच थंड पडलो आनी घामाघूम जावंन गुन्यांवकाराभशेन काळखातूच वोंवळाक पळोवंक लागलो.

वोंवळ केशवाक सगळें आंगभर आजून पोशेतालें. पुण केशवाक ताचें कायच दिस नाशिल्ले. बायलेच्या वेगळचा स्पर्शान दर दादल्याक ज्यो कातकुल्यो जातात त्यो कातकुल्यो केशवाक जायना जाल्यो, केशव दादलेपणाक थीटो पडलो.

आनी वोंवळाक बऱ्याच वेळान कळ्ळे, केशवात कसलीच दादल्याची लक्षणां ना म्हण. इतल्या दिसांचो ताचो भ्रम निवळ्ळो आनी केशवाकडेंन आपूण खेळटलें म्हुण बाळगिल्लें सपन ताजें सपनूच उल्लें. बऱ्या वेळान वोंवळ उठून काळखातूच आपल्या आंथूरणार वचून न्हिदलें.

फात्यां पारार वोंवळाक दोळो लागलो.

° ° °

ह्या दिसांनी म्हाका तुजी याद येता, एकमुळें न्हिदप आनी एकमुळें रावप म्हळचार जिवार येता. तुजीच सवय जाल्ल्यान म्हजें हे लग्नापयलीचे घर आसूनय परके–परकेशें दिसता. वळ मेळल्यारूच न्हय, वेळकाडून मुजरत मडगांवा बेगोबेग येवपाचे उपकार करचे. तुजेंच मिरा.

मिराचो चीट घेवंन शापू बाज्जेर वचून बसली. मिराची चीट वाचून शापूक मिराचे वेंगेत घाल्ल्यो राती दोळ्यामुकार येवंक लागल्यो आनी दर एके रातीचो उगडास जायनाफुडें शापूक रात खांवपाक येवपाक लागलो. मनांत ना-ना चितपां येवंन शापू अस्वस्थ जावपाक लागलो. म्हज्यासारखीच मिराचीय गत जातली, मिराक काडावडी लागल्यात जातल्यो. मिरा आता ह्या खिणां म्हजेंव येवजीता जातलें काय ? शापूच्या मनांतली चितपानीं शापूची न्हिद व्हेली.

मिरा शापूची बायल म्हण घरांत येवचेंपयली शापू आपल्या स्वर्गेस्त भावाच्या भुरग्यांवांगडा रावतालो. शापूची भावजय जिका शापू मायेन आनी आदरान व्हयनीबाय म्हण, ती शापूक खूब जपताली. शापूक कितें जाय नाका तें पळेताली. पुणून मिराकडें लग्न जावंन शापून राजांगणांच्या आयल्यान आशिल्या व्हड सालांनी आपलो राबीतो केलो. बाइलां–बायलांची तोंडां धड न्हय. आयदणां आयदणांक आदळून घोळ जावचो न्हय म्हण पयलीच शापू बायलेक घेवंन वेगळो रावन शादूर जालो.

दोघाय जावां मदलो संभाव्य संघर्ष टाळपाक शापून केल्लो उपाय खरें म्हळ्यार दोगांकूय उपेगाक पडलो. पुणून घराची वाटणी जावंन जरूय शापू आनी भावजेय बऱ्यान वेगळी रावलीं तरूय कुळागाराचे वाटे करतानां मात शापूचें आनी भावजयेचें पटलेना.

'वयले आनी सकयले तीनूंय कुळागारां म्हज्या भुरग्यांच्या नांवार आसात. शापूचे भावजयेंन जेन्ना अशें म्हळें तेन्ना शापूची तिडक मस्तकाक माल्ली.

'खरें म्हळ्यार आमची भाटां--बेसां सारखी कोणाकूच वाटूक ना आमच्या बापायन तरी खंय मृत्युपत्र केल्लें ? आमका जर झगडी आनी तंटे नाकात आमकां जर भरिल्ल्या फामिलांत रावूंक जाय, आमकां जर नातें, आपलेंपण बाळगून वागूंक जाय जाल्यार वयनीबाय आमी ह्या कुळागारांक लागून झगडून वायटपण करूंक फावना. ' शापून प्रामाणिकपणान आपले मत मांडलें खरें, पुण वयनीबायन मानले ना. तिका शापू आपल्याक फटोवपाचो कावो करपाक ही गोड उतरां उलयता जावंक जाय अशें मनोमन दिसलें आनी तिणें शापूक परती उतरां दिवन शापूकडेन वायटपण केलेंच,

भाव मरचेपयली जी कुळागारां भाव पळेतालो तितलीय ताणें भावजयेक म्हळ्यार तिच्या भुरग्यांक दिलीं आनी एक भाट आनी घरां दिवतणचे व्हडलें कुळागार आपूणच वसोवंक लागलो.

घरातलें वेगळेपण आनी एकमुळेंपण ताका आता आता चड जाणवूपाक लागले. लग्न जावचे पयलीं जेन्नां भावाच्या भुरग्यांमदी तो वावुरतालो तेन्नां ताका कांयच कळं नाशिल्ले. एकमुळेपण तर बिलकूल बाद नासलें. पुणून मिरा कुळाराक वचसान शापूक घर खावपाक येवंक लागलें. घरांत केशव-वोंवळ ही चाकरां आशिल्लीं खरी पुण तांचेंकडेन आमीदादीन कसो वाग-तालो ? तांका फकत कामां सांगपाचो आनी तांचेकडच्यान कामां करून घेवपाची, हाच्या शिवाय शापू वांगडच्याकडे वागता तसो मेकळ्चापणान वागूकय शक नाशिल्लो.

शापूचे घर भरिल्ल्या गांवापासून पयस आशिल्ल्यान शेजारी-पाजारी नाशिल्लें. फर्लांगाच्या अंतराचेर कुळवाड्याचें घर आनी मागील दाराच्यान एका अर्धमैलाचेर कायतनाली सोऱ्याची भाटी हाच्याशिवाय शापूल्या घराक तेकून अशें कणूच नाशिल्लें शापूलें घर दोंगराच्या मूळसाकडे आशिल्ल्यान थंय लोकांची चडशी येरादारीय नाशिल्ली. शापूले दारातल्या मुख्य रस्त्यार येवपाक एक पायण केल्ली आनी तें पायणीतल्यान शापूल्या दारात मोटार हाडू येतालीं, केन्नांय वसींतल्यान कोणूय आयल्लो जाल्यार तें पायणीचो मोटारीक उपेग जावपाचो. ना जाल्यार पांयण पाडगच पडिल्ली.

शापूचें लग्न जायत पासून मिराचो भाव केन्नां–केन्नांय मोटरसायकलीन तांचे खबरीक येतालो तितलोच. अशा एकांतात आशिल्ल्या व्हड मठयेंत शापूक एकमुळेपणाची तशी सवंयच जाल्ली खरी पुणून इतले एकमुळेंपण न्हय. कोणूच ना जाल्यार भावाची भुरगीं तरी आसताली. तांचेकडेन मस्कोऱ्यो करप, तांची फकणां करप, नाच जाल्यार आर्म घेवंन कुळागारांत भोंवप, ही दिसपट्टी कार्यावळ जाल्ल्यान लग्नापयली शापूक एकमुळेपण अशें केन्नांच भोगलेना.

शापून कुस परतोली आनी दोळें धापलें. दोळें धापले पुण चितपां कोण धापीत? दोळे धापतकूच चितपांक चडच जीव आयलो. शापूक वोंवळाचें तें तांदुळ वेचताना पळयिल्लें रूप दोळ्यांमुकार आयले आनी वोंवळाचे चितप आपल्या मनांत आयलां तें वायट, अशें चितप आपल्यासारख्याक तरी येवंक फावना. मिरा कितें म्हटलें? अशें परतें विचारूय शापूच्या मनांत येवंक लागले आनी शापूचे मनच शापूक खांवपाक येवंक लागले.

वोंवळ, मिरा, शापू तिघांय जाणां ते राती तें काळखे कुडीत झगडताली म्हणच्या परस शापूच्या काळखाच्या कुडीत झगडतालो. मिरा शापूक एकच गजाल सांगताले, तो म्हळचार 'मोनजातीची हत्या करून पातका आंगार घेव नाका.'

वोंवळ शापूक म्हंटाले 'कितें रें, तूं इतलो तन्नो आसूनय म्हजेर तुजी नदर पावना मरे? पिसो!'

शापू मात स्वताकडेनूच झुजतालो. शापूची कितली मनां शापूक चक्रांत घालताली ती शापूकच खबर नाशिल्ले. पुणून एका मनांन मात शापूक हरयील्लो.

तें मन म्हंटाले, 'मिरा पयस आसासर वोंवळांक पळोवक कितें जालां?'

□ □ □

'दोंगराच्या देगणाची पेसणां देंवतात तशी शापूच्या काळजाच्यो शिरो सदळ जांवन शापूच्या शितोदावयलो सांबाळून दवरिल्लो तोल सुटलो. शापू सरयेर चलतल्या मनशाभशेन तोल सांबाळूक हेवटेन तेवटेन झडपूक लागलो शापूची भावाची भुरगी कुळागारांक लागून तंटो जायत पासून शापूक फाट करून वताली तीं लेगीत शापूच्या नवे वागणूकेक अजापान पळेतालीं. शापू राजांगणाच्या भर चौकर वोंवळाकडे उलयतालो.

वावराडेकडे आनी खबरो? - अशा अर्थी नदरेंन भावाल्या भुरग्यानीं शापूक राजांगणाच्या पयले वोसरेंतल्यान पळेलो. शापूक मात भोवतणच्या वातावरणाचो विसर पडिल्लो.

'वोंवळ तू केशवाकडेन लग्न जायना?'

'तेका कितें आसा बाबा ? तोंड आसा म्हण मनीस म्हणपाचो ताका.'

'अशें कित्याक म्हटा, बरो धाडधकट पाटी कसो माजिल्लो मानांय !'

'मानांय आसलो आनी दिसलो म्हण जायना, मानांयपणां दाखोवंपाची शक्त आसू नाका आंगांत ? येंडयाची झाडा व्हडली जातात पूण पाटयेंक खंय उपकारतात ?'

'केशव येंड्याचे झाड म्हण तुका कशें कळ्ळें ?'

'तें कळपाक कितें कळाव जाय ?'

'तुवें पारखिलो तर ताका ?'

'एकदां ?' वोंवळ आनी शापूची उलोवणी इतल्या मेकळयापणान अशा थरार पाविल्ली. वोवळाची मुरवत इल्लीं–इल्ली शिऱ्याक मारिल्ली. वोवळाचे नकरें आनी लाळें–गोळें शापूक भूल घालून उल्लें.

शापू म्हण दुसरो कसो जायत ? त्याच विश्वमित्राचो वंशज जाल्यान नाच करतले मेनकेक वा अप्सरेक तो दोळयांआड कसो करीत ?

'काकूट न्हंय केशवाची ?'

'कित्याक काकूट ?'

'ताचेकडेन कोणूच चेडू लग्न जावपाक तयार जायना. हांवे कितले प्रयत्न केलें. ताका पळोवन आंग काडटात.'

'तसो पळोवपाक वायट दिसना तो.'

'तसो मातयेचो थापो कसो दिसलो म्हण जायना, तांतूत मात तरी जिवंतपणां आसू नाका ?'

'तांकां पळेना फुडें हो लजे व्हकल आपूण जातलो.'

'तांच्या तोंडार नदरूच घाली नासलो, मागीर उलोवपाचे सोडूच असल्या मेंग्याक मागीर कोण दोळे उक्ते आसून माळ घालीत ?'

'हय, तेयी खरेंच !' वोवळान ह्या उलोवपाक खंय तरी थांबोवन ताका जाय तें पान बदलूपाचे तजवीकेन म्हळें आनी तांदुळ वेचपाक लातातलें सगळें तांदुळ पाटार रखयलें. एक पांय पालसो करून दावो पाय लांब सोडलो आनी तांदळाची घूस कापडार पडटली म्हण कापडाची देग, वयर काडूक जाय आसली ताच्यापरस दोन वेंता वयरूच काडली. धपरावयर कापडाची देग काडून वोवळ बसलां तें पळोवन शापूक कितें करचें तेंच समजना जाल्लें. एकवटेन राजांगणाचे पयले वसरेंतल्यान ताजेर थिरावल्ल्यो नदरो ताका नसय जाताल्यो आनी वोवळाचे हे नाटक पळेंत जाल्यार आनी माणसूकी ना. मनाचो निर्धार करून करून शापू थंयच्यान उठपाक वोवळान तोंड उक्तें केलें.

'वयता बाब ?'

'हय, भितर बसता.'

‘हांव हांगा बसलां म्हण ? हांवूच वयता भितर, बस तूं हांगा.’ अशें म्हणून वोंवळ उठलें, शापूय उठलो आनी भितर गेलो. शापू भितर गेलो तो पळोवन वोंवळाचो मर्णकाळ जालो, ताका कितें करचें तेंच समजलेना. भितर शापूच्या फाटोफाट गेल्यार शापून धेंगसो बी घाल्यार अशें म्हण तें हातांत सूप घेवंन थंयच्या थंयच घुस्मळल्यासारखें जालें आनी कितें तरी येवजून तें परत थंयच बसलें. ताणें ओसरेच्या कोनशाक विणील्लें पेटाऱ्याचें जाळें, पळेलें. पेटाऱ्याचें जाळें बरेंच व्हडले जाल्लें. वताची किरणां पडून त्या जाळयाक सप्तरंगानी रंगयिल्ल्यावरी दिसतालें. पेटाऱ्याच्या त्या जाळयात जायतें जीव सापडिल्लें. थोडे जीव त्या पेटाऱ्यान खाल्ले, थोडें लोंबकळटाले आनी थोडे जाळयाच्या सुतार चरतालें.

‘खंय वयतले, फारवल्यात बावडे.’ वोंवळान त्या जीवांक पळोवन मनांतल्या मनांत म्हळें, तांदुळ पातळयले आनी तें तांदळातलो कोसोप, फातर बोरांड आनी भरसल्ले गंव काडून तांदूळ वेचूक लागलें. दर तांदळाच्या चिमटें कणकणी ताच्या मनात वेगवेगळी चितपां उदेतालीं. चडशी शापूचेरूच. पुणून केन्नां केन्नांय आनी एक चितप ताका सतायताले ते म्हळयार.

मिराबायक कळ्ळयार ?

° ° °

कुळागारात माकड आयल्यात- वोंवळान शापूच्या कानार ही खबर घाली.

शापू चवताळलो.

‘परत मरुंक आयल्यात खंय, आयज मात सोडचो ना तांकां.’

आनी विचारावांगडाच ताका मिराची याद जाली. मिराची भिरांत, मिराची खंत शापूक जाणवूक लागला.

‘बाब, माकडाक माल्ल्या बगर उपाय ना. सारखें बरे-बरे घडूच मोडून घालतात वयल्या दांडयांचो शंभरेक केळयांची फोकां पेडुचार केल्यात.’

‘तुमी कितें करताली कुळागारात, तुमकां हात नाशिल्लें तांका धांवडा-वपाक ? काय तुमचेंय हात केळी खांवपाक गेल्ले ?’ शापू तापलो तो पळोवन अर्धो धीर थंयच्या काबार जालो.

‘तो येंडो खंय आसा ?’

‘कोण केशव ?’

‘आनी कोण ?’

‘तो कुळागारांत सकल्या दांडयारूच आसा.’

‘थंय माकडांक धांवणायतालो ?’

'तें अजागळ कसो धांवणायत तांका ?'

'कितें करता तर थंय तो ?'

'फातरानी हय-हय करतालो, थोडें माकड पळटाले, पुणून थोडे माकड मात कोको दाखयताले.'

'केको ताकाच दाखोवपाचो तो ! रांव हावूच थंय वता.' अशें म्हण आमं हाडूक शापू भितर गेलो.

हाका कावत्यामुळात पूर. आनी हाका माडामूळांत पूरात, हो तोरंसावटाक पुल्ल्यार जाता शापू मारून उडयिल्ल्या माकडाक खंय-खंय पूरपाचें तें केशवाक आनी हेर मानयाक सांगतालो.

सगळ्या घडांची नासधूस केल्ल्यान शापूची तिडक कोणाक खांव अशें जाली. तो हातपांय आपटून–धपटून चलतालो ताका दाट कुळागारांचे माथें आनी माथेंभर केंस आशिल्ले बायलेचें माथें सम दिसतालें. कुळागाराच्या दाटयेतल्यान भर दनपारची सुर्या किरणा लेगीत आरपार जांवन कुळागारात पड नाशिल्ल्यान कुळागारांत दिसूयभर फातोंडे वा आमोरेचेच वातावरण आसतालें अशा शितळ सावळेक शापूच्या आंगात मात हुलोप पडिल्लो. जे जे केळीचेर ताची नदर पडटाली ते ते केळीचें घड मोडिल्ले दिसताले. शापूक कांयच सुचना जाले, माकडांचो जीव घेवंनूय ताजी तिडक कमी जाली ना. ताच्या आंगात म्हारू आयिल्ल्यावरी तो कुळागारभर नाचतालो.

शापूचें हे रुप पळेवन वोंवळाक अजाप जालेना. जेन्नां-जेन्नां माकडांची भिरी अशीं दोंगरावयल्यान कुळागारांत देवताली तेन्नां शापूची ही अवस्था जाताली. आनी ताची तिडक तो मागीर लागी आशिल्याचेर काडूंक फाटी राव नासलो. शापूचो हो गुग–दूर्गूण मतीत धरून वोंवळ बाबडें चार पावलां पयसूच उबें राविल्लें. शापूची नदर वोंवळाचेर गेली आनी ताणें वोंवळाचेर धेंगसो घालो.

'थंय उबे राहून कितें पळेंता, मडें ? माती ओड तांचेर. हळशीक खंयची. मात सुशेग म्हूंटा तो दिनांत, सदांच पिडापिड !' आनी शापू आपलो कपलाचो घाम पूशीत दांड्यावयल्यान घराकडें वचूक लागलो.

वोंवळान खोरें घेतलें आनी फोंडाचेर माती ओडून ताचेर फातर दवल्ले. केशव आनी दुसरो मानांय फोंड काडून माकडाची मडीं फोंडात घाली आनी वयल्यान हुस्केचें ताळे घाली.

'माकडांच्या सान्यान कुळागार खूप मातला न्हू ?' त्या परक्या मानांयान केशवाक म्हळें. 'माकड म्हण थोडे ? म्हाका दिसता दर माडयेंमुळात एक तरी माकोड आसूंक जाय. पळय मरें कशी फुल्ल्या ती खाकळां ! कात्र्यांचो आवाट केदो तो पळय. ताची भाती पळय–पोवळी कशी मागीर पोंवन्यो केदयाँ जातात त्या पळेय.' केशवान कुळागारांतल्या माडांच्या वाडीचेर

आनी माडयांक जातल्यो शिपण्या काव्यांचेर आपलो केदो अभ्यास आसा हे त्या मानयाक सांगपाक धन्यताय मानली. तो हांसलो आनी तायटार थुंकी घेवंन दोनूय हातांची तायटां ओली केली आनी बोटांचेर पडिल्ल्या खीणांक ओलसाण दिवन परत खणूक लागलो.

'केशव हांव वयता रे तुमी दोगूय मागशें पळेयांत.' वोवळान केशवाक सांगून ते पाटान वचपाक लागलें.

'तुजें किते, तू आता पट्टराणी जाल्या. तुका आमच्यानी आडोव येता ?' केशवाचो थोमणो वोवळाच्या वर्मार बसलो. वोवळाक सण्ण जालें. ताणें उलोवपाक तोंड उक्तें केलें. पुण कितें उलयचें तेच ताका समजलेंना. त्या भायर परको मानांय थंय आशिल्ल्यान वोवळान आपलो संताप गिळ्ळो, आनी मागीर सारखीच केशवाक भायरो दितलें अशें चितून वोवळ दांडया-तल्या चलूक लागलें.

'तुजो थोमणो सारको घायार पडलो न्हु ?'

'तुकाय खबर आसा काय किलें ?' केशवान त्या मानांयाक अजापान विचाल्ले.

'खबर कित्याक आसूक जाय. गावांक खबर ना काय कितें ? वय्नीबायली भुरगी म्हण सुमाराची नात, सामको आबसूलाद तेणोंच गांवभर घातलें पेरगांव !'

केशवाक केन्नां-केन्नांय भोळो कसो म्हणचो तो प्रस्न पडटालो. वेळ पडल्यार केशव बरेंच अकलेचेंच उलयतालो. वोवळ आनी शापू हांचे हालो-हालीचे मेकळचापणाचे वागप केशवाच्याय नदरेतल्यान सुटू नाशिल्ले. मिरा कुळाराक गेल्यार दोन म्हयने सोपन येताली आनी जसो-जसो शापूच्या विर्याचो गर्भ मिराच्या गर्भशयात आकार घेतालो तसो-तसो हे वटेन शापूचें आनी वोवळाचे नवे नाते निर्माण जातालें. चार वंटी भितल्ली गजाल आनी तियी बी असवडी आशिल्ल्या घरांतली गांवार पसरता हाका अजाप न्हंय. असल्यो गजाली लिपून उरपाक भौ कुस्तार. शापूचो आनी वोवळाचो संबंध आसा म्हण गांवाक कळ्ळे तेन्नां दर एकल्यान मिराचे चुरचुरे केले. बरी सापडली वावराडी म्हण जण एकलो वोवळाच्या नाचऱ्यापणांचेर आपली मतां मांडतालो. केशवान तरी लिरोवन अशें कांयच दवल्लेना. जें-जें मानांय कुळागारांत दिसवडयाक येताले तांका मिठ-मसालो लावन. शापू वोंवळाचे नाचरंग कशें चलतात ते सांगपाक भान विसरतालो.

'रातचें वोवळ खंय न्हिदता रे ?' त्या मानांयांन केशवाक ल्हवूच प्रस्न केलो.

'खंयी न्हिदली म्हण कितें जालें ? वोवळ तशें काळखांत लेगीत चलपाक जाणां. आपल्या आंथूणार न्हिदून दुसऱ्यांची आंथूरणां सोदून काडपाक

वोवळाक कोणें सांगपाचें ना.' 'तुजेंय बी आंथरूण सासप्र नासलें मरे तेणें ?' आनी ह्या प्रस्नान केशव निरूत्तर जालो. ताका त्या रातीचो अुगडास जालो आनी खीणभर आंगात चमकी आयली आनी गेली. केशवाक सगळें जाय दिसतालें. पुणून ताच्या आंगातली वासना मात्सी खिणानीच सदळ जातालीं. ताची कानसुलां तापतालीं, रगताचो हुंवारो शिरांनी व्हांवतालो तरूय तो चड वेळ उरं नाशिल्लो. आनी ताच्या कुडीची ताठरपणा खिणांन गळून पडटाली.

केशवाक लज जाली. आपली खोजेपणां दुसऱ्याक सांगून हांशें करून घेव अशें चितून केशवान ताका जाप दिली.

'ना रे बाबा, म्हाज्या आंथूरणार पावू ना तें.'

'मागीर तुका कशें कळ्ळें तें आंथूरणा सासपता म्हण ?' मानयांच्या प्रस्नाक केशवाक मात्सो गोंधळलो, तरूय कितें तरी उलोवक जाय म्हण केशवान म्हळें.

'आरे कळपाक वेळ लागतात ? काळखांत सामकेंच कितें दोळे फुटनात, मात तरी झळकता काय ना ?'

'तुवें पळेलें तर ?'

'हय, हांव पळेंनासताना उलयता ?'

'केशवा, तुमकां बाबान घराकडेन आपल्यात.' केशवान आनी दुसरो मानायांन भिवून आंस काडले.

'आमचें उलवणें त्या पोरान बी आयकू ना मू ?' केशवान वळून राखण्याकडें पळेलें.

'तुमकां आपयल्यात दोगांकूय !' केशव वोळून पळेता म्हण त्या राखण्याक दिसले. केशवान आपणे कितें सांगलां तें आयकूना जातलें अशें समजून ताणें परत सांगले.

'चल तू, येता आमी.' त्या मानायान राखण्याक सांगले आनी तो राखणो परतून दांड्यान घराकडे वचूक चलूक लागलो.

'हो एक पोर, बेतोडेचो, बोरो सापडला तेका.'

'केन्नां दवल्ला ?'

'हालीच, मिराबाय वचतपासून म्हाजें काम तेका दिला, गोरवानी वचपाचें !'

'कुळीन्दर कसो न्हुं ?'

'कुळीन्दर ? तो बरो आसा मालकियाद, तेणेंच सगळें जुळोन दिलां.'

'कशें ?'

'आरे, बाबान वोवळाक आपयलां, माळयेर आपयलां, हें सगळें रकाद पावोवपी हो पोर !'

‘तेका कितें कळटा रे ? मालकान सागलें तें तेणें भुरगे मतीन केलें ?’

‘हय तेयी खरेंच. हांवसुद्धा तेज्या जाग्यार आसल्यार, काम जाय जाल्यार म्हाकाय बी तेंच करचें पडटले आसले कळ्ळें मरे ?’

‘बरें, चल या आमी कितें पट्टा तें घेवप !’

‘चल !’ आनी दोघानीय खोरें कुदळ खांद्यार मारली आनी शापू भाटकाराल्या घरावटेन वचपाच्या दांडयावयल्यान चलूक लागले.

चलताना दोघानीय सगळयां माकडांक पुरिल्ल्या फोंडाचेर फातर दवरल्ल्यात काय ना ते पळोवन घेतले आनी आडयावल्यान उडी मारून पायणींत देवले.

० ० ०

मडगांवच्यान मिराची चीट पावली. शापून चीट उक्ती करून वाचली. मिराक भर म्हयनें जाल्ल्यान त्या कांय दिसानीं मिराक दोतोराचे नदरेखाला दवल्ला म्हणपाचें चिटयेंतल्यान शापूक कळ्ळें. शापून चिटयेचो निमा ो वाटो परत–परत वाचलो मिरान बरयिल्ले.

पयर रातचे म्हज्या पोटात अकस्मात दुखूंक लागले. बाबान फोन करून रोकडोच दोतोराक हाडलो आनी दोतोरान इंजेसांव दितकूच दुख थांबली. म्हाका खरें म्हळचार बांयटेराचे वेद लागिल्ले. हे कळपाक म्हाका वेळ लागलो ना. म्हज्या पोटांत तुज्या मनांतले आसा काय म्हज्या मनातलें हें कळपाक मार्ग नाशिल्ल्यान हांव कांयच सांगूक शकना. तूं जाणा चड करून तुज्याच मनांतले खरें जावपाची शक्यता आसा.

बरी याद जाली, तुवें हया दिसानी माकडांची बी हत्या घेवंक ना मु ? कित्याक जाणां ?

राती म्हाका सपनांत तुवें शे माकड माल्ल्यात अशें दिसलें. पळय उपकार कर त्या पातकाचो मात वाटेकार जावं नाका. आमकां नाका तें, देवान दिल्लें आमकां भरपूर आसा.

तू केन्नां येता मडगांवा ? हालो चीट कित्याक बरेवंक ना. आता चीट बरोंव नाका. सोमतोच बेगीन यो. येतना वोंवळाक घेवंन यो हॉस्पीटलात म्हज्यासरी रावपाक उपेग पडटले. सगळी कामां करू नाका ? आमचो घरची वावराडी थंय सदांच कशी येतली ? न्हावप–धुवप आसा न्हंय ? बरें तर तुमची वाट पळेता. – तुजेंच मिरा.

‘तुजेंच मिरा’ हया उतरांनी शापू मात्सो अस्वस्थ जालो. ताचे मनान कितें तरी चोल्लां, कितें तरी वायट केलां, कोणांक तरी फसयला असो ताका भास जावंक लागलो. आपणें खऱ्यांनीच मिराकडेन प्रतारणा केली, मिराक फटयलें. मिराकडची एकनिष्ठा कावार केली काय कितें, खऱ्यानीच म्हजी

चूक जाली काय किते ? मनांत प्रस्नार प्रस्न उप्रासले. पुणून शापूक एक्काय प्रस्नाची जाप गावलीना. अशी एक जाप ताका ताच्या खंयच्या तरी मनांत दिवंची आसली की ताका ते जापेन सुशेग मेळचो. आजय सगळयाच मनांनी शापूचेर राग काडलो. शापूक येवजौता घाम आयलो आनी कोणाचो तरी खून मारिल्ल्याभशेन शापूक नेरवांसाण आयली आनी ताणें भयानच म्हळें.

'चूक जाली म्हजी, चूक जाली म्हजी. शापू एकलोच कोणावांगडा उल यता तो पळोवपाक वोंवळ रांदचे कुडीतल्यान शापूलें कुडीत आयलें.

'बाबा, कितें जालें ?'

'खंय, कितें ?'

'कोणाकडेन उलयतालो ?'

'खंय. कोणाकडें, हरशीच कितेंय म्हळां जातलें'

वोंवळान शापूक पळेलो. शापू घामाघूम जाल्लो. कपलार घामाच्यो पावळचो आयील्ल्यो.

'घाम कितलो येयला पळें तुका. शी बाये कितें जालें.' अशें म्हण वोंवळान तुवालो घेवन शापूचो घाम पुसूक हात उकल्लें.

'नाका, आसू तू वच हांगचे. शापून वोंवळाचो हात झडपीलो. वोंवळ अजाप जाले. आयज कितें जालें काय ? पुणून वोंवळ तें ! दादल्याचें काळीज कडोवपाक वोंवळाचो हात धरपी कोण नासले. तें परत शापूक पुसूक लागले.

'बाबा, हें कितें, घाम कसो येयलो, काम काय कसलें करू ना.'

वोंवळान हक्कान, अधिकारान, एका घोवाचें बायलेभशेन शापूचो घाम पुसलो आनी आपणेंच ताच्या आंगाचें बानयन काडलें.

वोवळाच्या स्पर्शान शापू सदासारखोच आयजूय कडलो. ताणें मुकाटयानी वोंवळाक आपल्या आंगाकडें खेळपाक दिलें,

'कितें येवजौतालो ? वोंवळान शापूक बोलको करूंक म्हळें.

'खंय कितें ?'

'हातात कागद कसलें ? मिराची चीट काय कितें ?'

मिराक मिराबाय म्हणल्याबगर केन्नांच न पाचारपी वोंवळान मुकार पयलेंच खेप 'मिरा' म्हळें. वोंवळान बरीच मेकळीक घेतल्या. फाल्या हें म्हाका शापूय म्हण नावान उलो मारपाक फाटी रावचें ना. वेळारूच चत्राय दिल्यार बरी अशें शापूक जालें पुणून वोंवळाक पळोवन शापू इतलो गळून पडटालो की तो वोवळाचो भाटकार, धनी हें नातेंच विसरून वतालो. शापून वोंवळाक शिटकावणी दिवपाचें थारावन म्हळें.

'वोंवळ, मिराक 'मिराबाय' म्हण, 'मिरा' म्हण केन्नां उलो मारूं नाका.'

'अशें ? बाबा मिराबायक मिरा म्हटले म्हण तुका इतलो घाम येयलो

काय किते ? '

'वोंवळ हांव खऱ्यानीच सांगता.' वोंवळाक शापूचे हें सदाचेंच दिसलें, शापू कितलोय गरम जाल्यार रोकडोच थंड जाता आनी मागीर लागीं घेता हो ताचो दोन-तीन म्हयन्याचो अणभव जाल्ल्यान वोंवळान शापूचे तितलेशें मनान धल्लें ना.

'तें आसू, चिटयेंत कितें बरयलां ?'

'तें तुका कित्याक, सगळी चवकशी करूंक तुका कोणें सांगलां ?'

शापूचो आवाज चडूंक लागलो. वोंवळाक आता मात भंय जाणवलो. तरूय अशा वेळार कसले नकरे करप हे वोंवळाक भरपूर खबर आशिल्लें वोंवळान शापूच्या छातयेर आपली गरम तायटां दवल्लीं आनी परत घामाचें निमित्त करून शापूच्या छातयेवयल्या काळ्या केसांनी ल्हवूच बोटां भोवणायलीं, वोंवळाची कळाशी वखदाक पडली. शापूच्या आंगात अवसरान पावलां दवल्लीं आनी इल्लें-इल्लें ताचे आंग सदांभशेन जालें.

शापूची हार पळेता-पळेता वोंवळाक आपल्या जैताचो मोद माल्लो. आनी वोंवळाच्या मोदांत शापू अटग्या रानांत वासरूं वाट चुकता तसो वाट चुकलो. घुस्पलो, शेंडलो आनी गळोभर पातकाचो आपलें तन्नें पिरायेतूच धनी जांवन बसलो.

मनशाच्यो कामवासना मनशाक कश्यो खणीण पुरतात ताची शापू आनी वोंवळ हें एक जिती देख म्हण येता. शापून वोंवळाक सदळ सोडलें तेन्नां आमोरी जाल्ली.

☐ ☐ ☐

□ □ □

वासनांचे धागे पडून शापूचें जिणेंत भोवरो निर्माण जालो. भोवऱ्यांत शापू घुंवता, आनी भोवऱ्यांच्या पोंदाक रावून वोंवळ शापूक ओडटा !

बोब मारून सांगपासारखी गजाल खरी, पुण गजाल कशी आनी कोणांक सांगची हो यो एक प्रस्नच. तशें पळोंवक गेल्यार शापूच्या जिणेंत जांव शापूच्या घरांत जे किते घडटा तें कितें नवीनूच घडटा अशातली गजाल न्हंय. जगार असल्यो गजाली घडटात, तरूय हें गजालीक खासा वेगळेपण आशिल्लयान कोणांय चार चौगाक कान दिवंन आयकपाची सवय जाल्ल्यान शापूविशयीं उतर लेगीत कानार पडल्यार कोणांय येतल्या–वतल्याची पावलां थंयच शिळा जातालीं

आयकतल्यांची पावलां घट्ट जावंक जेन्नां उलयतल्या वटेन आयकप्याचें कान लागता तेन्नां ती गजाल सादी–सुदी नक्कीच नासता.

'मिरा बाळंत जावपाचे आसा, शापू आजून मात्रडचो वोचू ना.' गावांतलो एक आवाज. घडये रस्त्यान आयकलां जायत पुणून गांवच्या खंयच्या तरी आयल्या–पयल्या कोनश्याक अशे उलवप आयकूक येता.

तशें गांवच्या तिस्कटचार, नाव जाल्यार देवळाकडच्या आर्कापोंदा, शाबाल्या हॉटेलात, गांवचे गांवपण गावपी गांवकार सगळयांची गवाय दिवंन खंयचीय गजाल घरा- घरांनी वाऱ्याचे गतीन पावोवपाचे काम करपाक केन्नांच फाटी नात. गांवची एक दोन कलवतां, नाच जाल्यार शेता मेरेर वचून पोटाखळगी भरपी कामेऱ्या हांच्या तोंडातल्यान तरी लिपील्ले उरिल्ले, आयकू नाशिल्लें आयकूक कळ्ळचाबगर राव नासलें.

'घराण्याचे नांव वगडायलें.' एक.

'वावराडेक म्हण भूलप.' दोन.

'खाज भागोवंक मेळटकूच जाली.' तीन.

'त्यावेळार तांचे गोत्र, जात पात, आडवेंपण, उबेंपण धर्म–बीर्म कांय लागना. थंय कोणूय चलता.' हो एक आवाज गावांतल्या भौसाल्या फुडा-

ऱ्याचो. तो असल्या गजालिचें भांडवल करपाक एक नंबरचो !

'आरे बापायन म्हण कितें केल्लें, त्या मोगूक दवरू नाशिल्लें ? तसलीच गजाल ही.' हो एक गांवातलो चड शाणो जांटो आवाज !

'ती चेडी खंय सापडली तेका ?' एके गावडेचो प्रस्न एका चलयेक आसता. ती चली चेडी ही गाळ आयकून 'शी बाये' म्हूंटा.

'वोगी राव गे गोपीके, तोंडाक मात तरी सुवाद आसा काय ना गे ?'

'मागीर तिका कितें सवाशीण म्हणू ? दुसऱ्याचो भल्लोलो संवसार उस्तून उडोवपी कोंबडेक कितें झाडार गायतली कोगूळ म्हणप ?'

'बरी मिगे आसा तूं, दिसता पळें कशीं !' गावडेचें गावठी अर्थपूर्ण उतर आयकून शिकिल्लें एक गांवचें बाय उलयता.

'भावज बावडो भुरग्याक घेवंन वेगळी रावली ती बरी जाली.' एका विचारवंताचो अदमास, आनी तांच्या संदर्भात उलोवणे.

तशें पळोवंक गेल्यार गावातल्यो बांयच्यो धडे, देवळाकडची तळी देवळाची सखळ, नाच जाल्यार चौघुडें–फाटलें ठिकाण हीं सगळीं चर्चेचीं ठिकाणां. कोणागेर कितें शिजलें आनी कोणागेर कितें करपलें तें आयकूपाक कोणेंय येंवचे आनी अशें आसकडाक उबें रावचे. शापूचो विशय गांवभर जाल्लो, पेरगांवाची गरजच नाशिल्ली.

'गांवार आमचें नांव घांण जालें. 'एके वावराडेक घेवंन पडला.' म्हणपाचे धाडस गांवकऱ्यांक जावचे ? ह्या घरां संबंदान उलोवपाक ज्या कुळवाडयाक दर उतराक दीस-दोस येवजीचें पडटालें ते आज उलवप ताका इतलें सोपे जाला की शणैलें घर म्हळचार काडी कुस्कूट !' शापूची भावजयेन पयलेंच खेप शापूक धारेर धल्लो आनी शापूल्या घरांत एकूच बोवाळ जालो.

भावजयेन लेगीत आपल्याक धारेर धल्लो तें पळोवन शापूचें दोळें उक्ते जावंक लागले. आनी ताच्या आंगांत संचारलेली वासना दर्याची भरती देंवता तशी देवूक लागली.

शापू तसो खंयच्याय विषयाचेंर खोलायेंन असो केन्नांच चिंती नाशिल्लो कुळागार आनी भाटां-बेसांच्या नादयार तशी येवजूपाची पाळी ताचेर खरें म्हळचार केन्नांच येवंक ना.

घराण्यांचे नांव, अब्रू, इब्रत मान, रेश्पेद, घराण्याची परंपरा नेमकी कित्याक खातात हे शापूक केन्नांच कळ्ळे ना. ल्हानपणांत शाळेंत वचून शापूची मत लेगीत उजार जालींना. चार–पाच खेपो घोडे खांवन शापू मॅट्रिकमेरेन पावलो तितलेंच घरच्याक व्हडलें दिसलें. तशें शापूच्या घराक शिक्षणाची व्हडली परंपरा नाशिल्ली. ताची परंपरा म्हूंटात ती कुळागारांतले चडानचड माकड मारून नांव जोडपाची आनी सामतीच नांवाक किडूय लावपाची !

'खऱ्यानीच म्हजें पावल वाकडें पडलें काय देवा ? ' असो प्रस्न शापूक केन्नां पडचो ना. शापू तसो पच्छताप करूंक जाणां, पुण तो तितल्या पुरतोच ! वयनीबायची उतरां आयकून शापूक घाम सुटलो खरो पुणून शापून घाम केन्नां पुसलो हे मात कोणांक कळूना. वोंवळ वावराडेच्या जाळचांत फारवत पासून शापू, आदलो शापू उरूंक नाशिल्लो. शापू पिसावलो, शापूक झंवपिशें लागिल्लें. शापूचें अंग सणसणटालें, शापूचें तन्नेपण फुटून गेतालें. आनी मागीर शापूक वोंवळ वावराडा कोताक येताली.

मिरा वचतपासून शापूची ही अवस्था शापूच्या चडच लागीं येवंक लागली आनी तिच्यापासून पयस वच्चें सोडून शापू तेंच अवस्थेत चड-चड समरस जावन व्हांवपाक लागलो.

आयज शापूची नदर मात्शी जमनीर पडली. शापू अंतराळातल्यान सकल पावलो. पुणून सकल पावपाक ताका बरोच वेळ लागलो.

पयले वोसरेवयल्यान भावजयेन उलयिल्ली उतरां थंयच्या हवेंत विरघळली. आनी शापू कोणाच्या तरी आवाजान भानार आयलो. ताणें तकली वयर करून पळेलें. तोच हासो तेच मुरकें, छातयेवयलो पदर कुशीक काडून पालक्यातलीं थानां दाखोवपाचीं तीच पद्धत, आनी तोंडाचेर तशेच केंस !

'बाबा, भायल्यान कोणाली मोटार येयल्या.' वोंवळान सांगनाफुडें वोंवळाचेर धेंगसो घालून वोंवळाक थंयच्यान धांवणावपाचे येवजीताना वोंवळान 'कोणाची तरी मोटार आयल्या.' अशें सांगनाफुडें शापूचो खिणातलो निशय कडेक पडलो.

'मोटार, कोणाली ? ' आनी शापून जनेलातल्यान भायर पळेलें. मोटारीतल्यान शापूचो व्हडलो मेवणो देवतालो. मेवण्याक पळोवन शापून बेगीबेगीन लेंगो चडयलो. आनी भायर येतना वोंवळाक नदरे पयस रावपाक सांगलें.

'बाबा, च्या करून हाडपाची ? '

'कांय ना, चल तू आनी भितर येंव नाका, वच.'

शापू वोंवळाचेर बरोच ताणशेलो आनी मेवण्याक येवकार दिवपाक भायर आयलो. मेवण्यान शापूक पळेनाफुडें तोंडार हांसो हाडलो.

'मिरा कशें आसा ? '

'हॉस्पीटलात घालां, ऑपेरसांव करचे पडटले. आयज ऑपेरसांव, देखून तुमकां व्हरूकच आयलों, गाडी घेवंन.' मेवण्यान सांगनाफुडें शापूक बांयटेराचे वेद लागिल्ले मिरा दोळ्यांमुकार दिसूक लागले.

'आताच भायर सरपाचें.' मेवण्यान म्हळें.

'बरें आसा. आनी कितें-कितें हाड बी सांगला ? शापून मिराची फाटली चीठ याद करून दुबावानूच विचाल्लें.

'हय, बरी याद जाली, येतना वावराडेकूय घेवंन यो सांगलां.' मेवण्यान सहज सांगले खरे, पुणून शापूच्या काळजांत मात कोणें तरी जड घण माल्लो. पुणून ताचें वेग आता दुसऱ्याक दाखवन कोताक नाशिल्लें. शापून आपल्या आंगातली कमोपणां दाखोवचोना हाची गांठ माल्ली आनी ताणें नेटार बोंवळाक उलो माल्लो. पयलो उलो माल्लो, दुसरो माल्लो, तरूय बोंवळाचो पत्तो ना.

'खंय कामांक धाडल्या ?' मेवण्यान दुबावान विचाल्लें.

'ना, घरातच आसतलें. राव त्या मानांयाक आपोवन ताका भायर सरूंक सांगता. चल तूं मात्सो बस.' शापू आनी मेवणो भितर आयले. मेवणो शापूल्या कुडी आयल्यान आशिल्ल्या सालांत बसलो.

'राव आ मात्सो वावराडेक पळोंक धाडटां.' शापून बोंवळाक नांव न घेता वावराडी म्हण पाचारून मेवण्याक वावराडी कितली किंकोत आसा हे दाखोवपाचो पयलो प्रयत्न केलो.

शापू ओसरेर आयलो आनी खींणभर ताच्या मनांत चितप आयलें.

'बोंवळाक मडगावा व्हरप आनी थंय बोंवळान तांच्यामुकार म्हाका दाखोवपाक कसलेंय नकरें केले, वा आनी कितेंय मर्यादे भायलें उतर म्हळे जाल्यार, माव डेचे लोक कितें समजतलें ? छे, बोंवळाक मडगांव व्हरना जाल्यार बरें शें दिसता. पुणून बोंवळाक व्हेलेना जाल्यार मिराक कितें दिसतले ? फाटी धाडिल्ले चिटीत लेगीत मिरान बोंवळाचो थंय कितली गरज आसा तें बरयिल्ले.' शापू कात्रेत सापडलो. एक मन म्हटालें, 'बोंवळाक व्हेल्यार थंय सगळो स्फोट जातलो.' शापू सदांभशेन विचारांत गुस्पलो. ग्रेवजीता-येवजीता ताणें येतल्या अदृश्टांक मेकळेपणान तोंड दिवपाचे तयारीन फुडले पावल अुकल्लें. तो वोसरेवयल्यान सकल्या सालांत आयलो. बोंवळाचे कुडीत ताणें पावल दवल्लें. बोंवळ उदारेंच जमनीर पडोल्लें. ताचे नदरेक पडलें. शापून आपणाचेर ताबो दवल्लो ; ज्या अवस्थेत बोंवळ उदारें न्हिदील्लें ती अवस्था खंयच्याय दादल्या मनशाक पेटवपाक पुरो जाताली.

'बोंवळ.' बोंवळान दोळे उक्तें केलें आनी आपल्या मुकार प्रत्यक्ष शापू आनी आपल्या कुडीत पळोवन बोंवळाक अजाप तर जालेंच. त्या भायर ताका हांसो आयलो. दादले हे अशेंच. ते मागीर खंयच्याय जातीचे. खंयच्याय धर्मांचे वा कसलेय कातीचे आसू, निश्चाणें दादले तें दादलेच, काकूट ! बायलांखातीर आपलें सगळें घाणांक दवरून लज-भिड सोडून मान रेश्पेद गांठीचो सोडून कर्माची कर्मा करूंक कशेच फाटी रावना.

'बोंवळ.' शापून परत उलो माल्लो. खरें म्हळ्यार शापूक पळेनाफुडे बोंवळान उठपाचें. पुणून बोंवळ उठलेना, परत आनी कित्याक उठून परतें

आडवें पड अशें म्हण वोंवळ तशेंच रावलें. वोंवळाची खात्री आशिल्ली की शापू ताका भोगूंक आयला म्हण ताणें शापूच्या उल्याक मुमुरक्यानीच जाप दिली आनी म्हळें

'हांव जाणाच आसलें तू हांगा येतलो म्हण. यो.' अशे म्हणून वोंवळान उदाऱ्यानीच आपलें दोनूय हात विस्कारावन आपले वेंगेत येवपाक शापूक वाट दाखयली. खींणभर शापू असो–तसो जालो आनी ताका आपल्या मेवण्याची याद जाली. ताणें बेगी–बेगीन वोंवळाक तिडकीन साद घालो.

'वोंवळ, उठ. तुका मडगांवा वचूं जाय.'

'मडगांवा, आं तो येयला तो मिराबायचो भाव– बीव कांय किते ?'

वावराडी शापूच्या खांद्यारूच न्हंय माथ्यार बशिल्ली. वोंवळान सगळचो सिमो–मेरे उबयिल्लो. वोंवळाक शापूकडे उलोवपाचो मानाचो ढंग नाशिल्लो, इतलो शापू वोंवळाक सवाय जाल्लो.

वोंवळाची ही कवनां पळोवन शापूक कितें करचें तेंच समजना जालें. ह्याणे खुद्ध मिरामुकार म्हाका असोच वागयलो जाल्यार ? 'वोंवळा तुका हांव सांगता तें आयकूचें पडटले.'

'सांग कितें करू ?'

'मडगांवा मिरा म्हऱ्यांत हॉस्पीटलांत तुका रावचें पडटले. आनी थंय तुवें म्हज्यामुकार रेंश्पेदान वागचें पडटलें. वावराडी न्हंय तूं आमची ? मागीर वावराडेन जशें वागूंक जाय तशेंच वागचे पडटलें.'

'हय बाबा, आयजमेरेन एके वावराडेंसारखेच वागत येयलां न्हू हांव ?'

वोंवळाचो थोमणो शापूक लागलो. पुणून आता शिडांत वारें भल्लां, शीड मुठीत धरना, तरूय तारूं सांबाळूंक जाय म्हणपाचें शापूक कळ्ळें. ताजो आवाज मात्सो सकल आयलो.

'वोंवळ पळय हांव फकाणां करीना. चल कापड न्हेस, या आमी मडगावा. मिराक हॉस्पीटलांत घाला, वेळ करूंक फावना. मिराक जाय तें थोडें सामान बॅगेंत घाल आनी भायर सर, चल कळाव नाका.' एक घोव आपले बायलेक जसो सांगतलो तशें शापून वोंवळ वावराडेक नम्रतायेन सांगलें. आनी थंयच्यान भायर सल्लो. वोंवळाची निराशा जाली. वोंवळाची पयलेंच खेप आशा भंगली. वोंवळान आंग झडपलें. आनी आंगावयलें पातळशें जुनेंर फापडीलें.

० ० ०

वार्ड नं. बारा, कॉट नंबर बारा, मडगांव गोंयचें एका खाजगी हॉस्पीटलांत मिराक बांयटेराचे वेद लागल्यात. मिरा वळवळटा, कळा मारून येतकूच मिराच्यान सोसू नज जाता. मिरा बोबो हुयेली मारता. मिराभोंवतणी तसो कोण ना. नर्सी मात दोळें दबरून आसात. वोंवळाकूय थंय लागीच रावूक सांगलां.

भायल्यान मिराचो सायकीश्ट बापूय येवजीत उबो आसा. तो याद करता मानशास्त्रांच्या खंयच्या तत्वाप्रमाणें तळमळचांनी जलमल्ली भुरगीं बरी जांव येता तें. ताका जगातल्या मानसशास्त्रांची मतां दोळयांमुकार येतात. अमेरिकन सायकीश्टाचें मत ताच्या काळजांत घर करून रावता. बाळंत जांवच्या पयलीं जे बायलेक चड त्रास जातात त्या बायलेच्या भुरग्यांक फुडाराक चड त्रास भोगचे पडनात. कारण तांचे अर्देअधीक त्रास जलमापयलीं तांचे आवयन भोगिल्ले आसतात. हो भुरगो जांव भुरगें एकदम बरें वा सुपर जांव येता. ताचो आय क्यू एकदम चड आसता. नेपोलियनच्या जलमाक नेपोलियनच्या आवयक खुप त्रास जाल्ले खंय आनी मिराच्या बापायच्या मनांत हो विचार याद जांवन येनाफुडें ताका सुशेग दिसता,

तो वार्डा दारार पळेता. तांबडो लायट पेटली. आता ऑपरेसांव करतात जातले. मिराच्या बापायन कपलाचो घाम पुसलो, ताणें आपल्या जांवयाक शापूक पळेलो. शापू हॉस्पीशेंच्या जनेलातल्यान भायल्या रस्त्यार पळेत आशिल्लो पुणून शापू कितें तरी येवजीतालो हे ताच्या नुरेवयल्यान पारखूंक येतालें.

ऑपरेसांवाच्या उमळशीकेन दाराक लागिल्लें सगळचो नदरो वार्डाचें दार उक्तें जाल्लें तें पळोवन अजाप जाल्यो. सगळयांनी दारांतल्यान कोण भायर येता काय पळोवपाक आपल्यो मानो मात्श्यो वयर केल्यो 'हाका मात्शें भायर रावूं दी, ऑपरेसांव जातकूच भितर आयल्यार जाता.' एक नर्स वोंवळाक घेवन भायर आयली आनी मिराच्या बापायक तिणें ल्हवूच कितें तरी कानांत सांगलें.

वोंवळ आंग चोरून मिराच्या सोयऱ्या–दायऱ्यामदीं गर्देन उबें रावलें. सगळयांच्या गोरे कातीचो आनी आंगावयल्या उंची वस्त्रांचो रंग वोंवळाच्या काळे-सावळे कातीक लाग नासलो. वोंवळ कोण तरी वाजराडी हे पळेतल्याक न सांगताच पारखूक येतालें. पुणून वोंवळाचेर कोणाचीच नदर नासली. ऑपरेसावाच्या दारार थिरावल्यो नदरो तश्योच आशिल्ल्यो पोंदचे नदरेन वोंवळान शापूक पळेलो शापूच्या मनांत नेमके कसलें विचार घोळटात तें सांगपाक कुस्तार आसले. पुणून शापू मिरा संबंदान येवजीतालो अशेंय म्हणू नज. शापूची नदर हेरांभशेन ऑपरेसांव थेटराच्या दारार आसचे सुवातेर ती भायर खंय तरी शारातल्या रस्त्यांचेर घुटमळटाली.

खरें म्हळ्यार सगळ्यांप्रस शापूची नदरच न्हंय, ताचो उमळशीक मिराक चलो जातलो काय चली जातली हाचेर आसपाची. पूण शापू कितें कोण जाणां आयज थाऱ्यार नाशिल्लो. एकवटेन शापूक घरचो हुस्कोय खातालो.

कुळागारांत माकडांचे भिरें आयल्यार माकड फोकान फोक काबार करतले हाचीय ताका भिरांत लागिल्ली. तरूय मडगांवा आशिल्ल्यान मावाडेच्या लोकांक कळचे न्हंय हाची तो जापसालकी घेवपाखातीर शक्य तो कृत्रीम रितीन वागतालो.

' किते येवजीता ? ' वोंवळाच्या अनपेक्षीत प्रस्नान आंगार विंचू पडिल्ल्या-वरी शापून कच्चकरून आंग काडलें. वोंवळान इतले सांगूनय म्हाका हांगा-सर सगळ्यांमदीं जाप करपाची न्हंय. शापूची तिडक मस्तकाक माल्ली. ताणें दात-ओंठ जाबून आयिल्लो राग गिळ्ळो आनी तांबड्या दोळ्यांनी नाका पुड्यो फुलयत वोंवळाचेर नदरेचे आगटें वोतलें.

वोंवळ शापूचो तो लाल अवतार पळोवन भिलें आनी आंग कवळून कोनशांक उबें रावलें. वोंवळ वोग्गी रावलें तो एक देवाचोच उपकार म्हणून शापून उस्कारो सोडलो.

आनी ऑपरेसांव थेटराचें दार उघडलें आनी बोलसांतलो लेस काडून दोतोर तोंडावयलो घाम पुसीत भायर आयलो सगळ्यांची उमळशीक सामकी उचंबळ जावन आयली. जवळ-जवळ सगळ्यांनीच एकदम एकूच प्रस्न केलो दोतोर कितें जालां ? '

सगळ्यांच्या एकाच प्रस्नान दोतोर गोंधळलो. पुणून तोंडावयलो गोंधोळ लिपावन, सगळ्यांक आवशील आनी धीर दिवपाक दोतोरान तोंडावयलो हांसो दिसपाखातीर सगळ्यांचेर नदर माल्ली. दोतोराच्या तोंडार हांसो पळोवन दोतोराचे अपेक्षेप्रमाणें सगळ्यांक सू जालें. मिरा बरे भशेन सुटलें आनी मिरान भुरग्याक जल्म दिला म्हणपाची सगळ्यांची खात्री जाली.

शापून दोतोराक पळेलो. दोतोरान शापूक पळेलो. आनी दोघांचीय नदरा—नदर जाली. दोतोरान आपले ओंठ हालोवन शापूक मात्शें हांशें दिले आनी दोतोर मिराच्या बापाय म्हऱ्यांत गेलो. शापूय फाटोफाट थंय गेलो.

' अ ॲबनॉरमल चायल्ड विथ अ टेल ! ' दोतोरान न्हवूच मिराच्या बापायच्या कानांत म्हळें, आनी सळसळीत तेल कोणें तरी आपल्या कानात ओतिल्ल्याचो भास मिराच्या बापायक लागलो.

' ऑलमोस्ट जल्ट लायक अ मंकी ! '

' माय गॉड ! '

आनी खरी गजाल जमिल्ल्यांक कळपाक वेळ लागलो.

' मिरा कशें आसा दोतोर ? ' शापूच्या प्रस्नान दोतोरान हांसत जाप दिली.

'भिवपाचें गरज ना शी इज ओके. मात्शें बेशुद्ध जालां.'

'भंय ना न्हीं दोतोर.'

'तसो भंय ना.' दोतोर सगळ्यांक धीर दिवंन थंयच्यान कुशीक सल्लो आनी ताणें एका कोनशाक आडवी पडिल्ले बायलेक पळेली.

'ही बायलमनीस कोण ? ' दोतोरान फाटी वळून सगळ्यांक प्रस्न केलो. दोतोराच्या प्रस्नासरशी सगळ्यांची नदर कोनशाक जमनीर पडिल्ल्या बायलेचेर पडली.

'आमची वावराडी ती दोतार ! ' शापून ल्हव आवाजात म्हळें.

'कित्याक पडल्या ? '

'कांयच खबर ना, आताच थंय उबी आशिल्ली.'

दोतोरान बेगी-बेगीन वोंवळाचो हात धरून नाडयेचे ठोके मेजले. ठोके मेळना म्हण दोतोरान वोंवळाक उकलून भितर हाडपाची ओर्द सोडली आनी तेन्नांच ऑपरेशन थेटरातल्यान नर्स भायर आयली आनी नर्सीन म्हळें.

'तुमच्यानी भितर वचू येता.

सगळीं भराभर भितर गेलीं आनी मिराचे कुशीक आशिल्ल्या त्या तांबशा रंगाच्या मासागुळ्याक दोळे मोठे करून पळेला.

मिराच्या बापायन तकली सकल घाली आनी शापून तर पळेना. फुडें केन्नांच मारू नाशिल्लें इतल्या व्हडल्यान बोब माल्ली आनी त्या बोबेंत शापून व्हडल्यान एकूच उतर म्हळें

'केशव ? '

शापूक सावशीक करपाक सगळ्या मेत्रण्यानी घट्ट धल्लो आनी कोण केशव जाय, कोणांक उलो माल्ला तें शापूक विचाल्लें.

'केशव भितल्लें आर्म घेवंन यो.'

शापूक आपलें शुद्धी शेंडयल्या म्हणपाचें सगळ्यांच्या लक्षांत आयलें. ऑपरेशन थेटराच्या हॉलाक एक भिरांकूल रूप आयलें. खाटीर बेशुद्ध पडिल्लो मिराचो देह आनी ताच्या कुशीक पडिल्लो विचीत्र जीव ल्हवूच गांयडोळ हुळहुळटा तसो हुळहुळटालो.

मिराल्या बापायन कपलार हात माल्लो. आनी थंय हाजीर आशिल्ल्या दोतोराक ताणें कुशीक व्हरून ल्हवूच सांगले.

'डॉक्टर दॅट चायल्ड मॅस्ट बी किल्ड.' दोतोर अजाप जालो आनी दोतोरान एकूच म्हळें, 'व्ही आर टू गीव द लायफ, नॉट टू टेक द लायफ सॉरी ! '

दुःखाची काळजां, अपेक्षा भंग जालो. काळजां घेवंन सोयरे-दायरे हॉस्पीटलाच्या वारांडात ना जाल्यार भायल्या गॅलेरीत हेवटेन-तेवटेन चुरचुरत

गोंधळटाले. कोणांक सावशीक करचो आनी कोणांक समजायचो होच प्रस्न दर एकल्याक पडिल्लो.

कोणें तरी जाणकारान म्हळें. 'गर्भदान सारखें जालें ना, गर्भाची वाड जावपासारखें वातावरण नासतकूच अशीच विचीत्र भुरगीं जल्माक येतात,' सायकीश्ट, मिराचो बापूय, शापूचो माव, सायकलॉजीतली तत्वां, आनी जगांत घडिल्यो असल्या तरेच्यो घडणूको याद करपाक लागलो.

बऱ्याच वेळान मिरान दोळे उघडले तेन्नां सगळयांनी हुसक्या मेकळो श्वास घेतलो. इतल्या मजगतीं वोंवळाचो सगळयांकूच विसर पडिल्लो ताची जाणीव दोतोरान करून दिली.

'शापूबाब ? '

' तो भानार ना. '

' कितें जालां ? '

' मात्सो नर्वस जालां. '

' काय ना, जातलो सारखो. हे पळय ती वावराडी हांगेलो न्हंय ? '

' हय, दोतोर ! '

' बरी गजाल. शी इज ॲक्सपॅक्टींग, तिका दीस गेल्यात. '

दोतोरान शापूक पळेत म्हळें तेन्नां शापू भानार आयील्लो. दोतोराची उतरां शापूच्या कानार पडलीं. शापून दोतोराक अशे नदरेन मोन्यानीच विचाल्लें, ' खरेंच दोतोर ? वोंवळाक दीस गेल्यात ? '

दोतोराक शापूच्या नदरेची भास समजली. दोतोर आपल्या मिशांनी मुमुरक्यानीच हांसलो.